BIMB/APR. 2023/Vol.22/ISSUE4/Panaji-Goa. REGISTERED GOA/01/2021/2023 Published on 1st and Posted on 5th & 10th day of every month RNI Regd. No. GOA KON/2008/30413

# बिम्ब

मासिक
आब्रील 2023

# कहीं 'आग' न लग जाए....!

मोल : ₹50/-

कोंकणी मासिक
# बिम्ब

शीर्शकथा :
## कही 'आग' न लग जाए
- दिलीप बोरकार



**BANK DETAILS :**
**Bimb Monthly Publication**
The Saraswat Co. Op. Bank Ltd.
Branch : Panaji Goa
IFSC Code : SRCB 0000071
CA A/c. No. : 071100100000793



वर्स 22 : अंक 4
आप्रील 2023
मोल 50 रुपया

मुखेल संपादक
दिलीप बोरकार

पालवी संपादक
मानसी धाऊसकार

अंक सजावट
गिरीश मंद्रा बोरकार

छापणावळ
इम्प्रेशन्स, बेळगांवी

वर्गणीचे दर :
वर्सुकी वर्गणी 500 रु.
3 वर्सांची 1400 रु.
विद्यार्थ्यांक वर्सुकी 300 रु.
आनी 3 वर्सांक 800 रु.
जाल्यार संस्थांक वर्सुकी 700 रु.
आनी 3 वर्सां खातीर 2000 रु.



संपादकीय पत्रवेव्हाराचो पत्तो :
Dilip Borkar
2-A, Govt. Qtrs, Ponte De Linhares
Patto, Panaji - Goa 403001
Tel.: 0832-2438355
Mail: bimbkonkani@yahoo.co.in
कचेरी
'धर्म लक्ष्मी', सांत लॉरेन्स,
आगशी-गोंय, 403204

# काळ सोकावता..!

म्हातारी मेल्ल्याचें दुख्ख ना, काळ सोकावता अशी एक म्हण गोंयांत घोळणुकेंत आसा. भोवतेक ती मराठींतली कोंकणी जावन आयल्या आसूं येता! 'म्हातारी मेल्याचे दुःख नाही काळ सोकावतो' अशी ती मराठींत घोळटा. तिजो अर्थ आनी आशय कितेंय जावं पूण आतां तातूंत बदल जावन 'काँग्रेस सोंपिल्ल्याचें दुख्ख ना, भाजप सोकावता' वा 'लोकशाय मेल्ल्याचें दुख्ख ना हुकुमशाय सोकावता ' अशी जातली काय कितें अशीं चिन्ना सद्याची देशांतली परिस्थिती आनी वातावरण पळोवन दिसता.

आमच्या देशांत सत्ता कोणें भोगची आनी ती कितली काळ भोगची हाका तसो कांय नेम ना. जाच्या हातांत तुबक ताजें सावज अशी परिस्थिती देशांत आसा. सद्या भाजपच्या हातांत तुबक आसा म्हणटकच सावज तांचेंच. तांणी तें बटर फ्राय करून खाल्लें कितें, मसालो घालून झणझणीत करून खालें कितें, कोण विचारतलो ना. ताज्या वासान कोणूय लाळ गळयता वा आपले जिबेर पडूंक ना म्हूण जळफळटा ताका अर्थ ना.

भाजप सगळें कायद्यान करता. तांचें तुबक ते वेळच्या वेळार साफ करतात. तातूंत फावो तो दारुगुळो भरतात आनी पांच वर्सांनी एकदां न्हय तर वर्साचे बाराय म्हयने आनी तिनशें पासष्टय दीस फार सोडटात. म्हणटकच सावजाक फार लागूंकच जाय अशें ना. तुबकाक पळोवनूच सावज आपल्या चोपक्यांत कशें येतलें हाजी सगळी तजवीज ह्या पक्षान बेस बरी केल्या आनी ताच्या यत्नाक दाद दिवकूच जाय. म्हणटकच फाटलीं आठ वर्सांच कित्याक, फुडाराचीं अयशीं वर्सां लेगीत ह्या पक्षाक सत्ते भायरो करपाची तांक आशिल्लो पक्ष आयज आमच्या देशांत एकूय ना. आसात ते तुबकवाल्यांच्या सावजा कडेन पळोवन तें लाटपाचो यत्न करपी लांडगे आनी हिरांटे. तांका कशे तरेन धांवडावपाचें, कशे बांदून घालपाचें वा कोणा मुखार केन्ना आनी कशें हाडकूट उडोवपाचें हाजी पुराय मांडावळ तुबकवाल्यां कडेन आसा. म्हणटकच सावज फुडाराक आनीक कोणाच्याच नशिबांत ना हें जेन्ना सुर्यप्रकाशा इतलें चकचकीत दिसता तेन्ना भाजपाकूय तशी भिवपाची गरजूच ना. कोणेंय तकली वयर काडली जाल्यार तुबकाक हात घाल्यारूच पुरो तांचीं काल्सावां आनी धोतरां ओलीं जावपाचें वातावरण सद्या देशांत आसा.

इतलेंय करून हे जळामळाक शिंपडिल्ले पक्ष एकटांय येवन तांणी सावज हातासलें अशें धरुंया, पूण तें तांचे भितरल्या झगड्यांक, सुवार्थाक आनी धुसफुसीक लागून तिगोवंक पावचेनात हेंय तितलेंच सत. म्हणटकच फुडाराक आमच्या देशांत लोकशाय म्हणटात ती वखदाक सापडची ना आनी एकाधिकारशायेक लागून कोण तोंड उगडपाकूय फुडें सरपाचो ना. असले हे परिस्थितीक देशांत आरंभ जाला आनी ताजें जितें जागतें मोस्त्र म्हणल्यार राहुल गांधीची ख्यास्त आनी ताजी अपात्रताय.

जांका थोडेंशें राजकारण कळटा, जांका देशाची घटना आनी लोकशायेचें तंत्र कळटा त्या देशांतल्या सर्व सामान्य मनशाक शंबर टक्के खबर आसा, राहुल गांधीक जी ख्यास्त दिल्या आनी जे प्राधान्यतायेन ताका खासदारकी वेल्यान निलंबीत केला वा अपात्र थारायलां तें कायद्या भायलें आसा. देशांत चाळीस टक्क्यां परस उण्या मतांनी वेंचून येवन, पक्षीय विघटनाक लागून विस्कळीत आशिल्ल्या साठ टक्के मतदारांचेर शेक चलोवपी सरकाराक, ह्या साठ टक्क्यानी एकवटीतपणान प्रस्न विचारचे पडटले. ह्या प्रसंगार राहुल गांधी काँग्रेस पक्षाचे, ते आपल्या पक्षाचे न्हय, ताजें ताणें पळोवंचें, वा जालें तें बरेंच जालें, आमचो एक प्रतिस्पर्धी उणो जालो अशें मानचें न्हय.

राहुल गांधी ताजे धडाडीक लागून, भारत जोडो यात्रेक लागून ताणें केल्ले जनजागृतायेक लागून, अदानीचीं बोल्सां कोणें भरलीं आनी कित्याक लागून अशे भिये नासतना सातत्यान प्रस्न विचारून पिडटा देखून ताजें तोंड बंद करूंक ताका सगळ्यांत आदीं सुपांतल्यान काडून दात्यांत घाला. तो सद्या भरडटा आसतय! पूण आपलें कितें हाजो विचार सुपांतल्यांनी करपाची वेळ आयला. हें चल्लां तें लोकशाय सोंपोवपाचें राजकारण म्हणपाचें जगाक खबर आसा. भक्त सोडल्यार हेरांक काळजांतल्यान हुलोप पेटला. तो राहुल गांधीच्या मोगाक लागून न्हय तर लोकशायेच्या मोगाक लागून! बिम्ब मासिकाचो आवाज खंयच पावचो ना हें आमकां खबर आसा तरी हुकूमशाय सोकावता म्हणपाची नोंद जावपय काळाची गरज थारता!







# म्हजे सान बुद्दींतल्यान समिक्षा

पुस्तकां भोव मोलादीक हातूंत दुबाव ना. हालींच दोतोर उल्हास गो.प्रभू नास्नोळकार हांचें 'गोयचे सण आनी उत्सव' हें पुस्तक वाचनांत आयलें. आमचे सण आनी उत्सव हांची वळख तांणी त्या पुस्तकांत केल्या आनी आमच्या देवादिकांनी जें जें अपसरण आयिल्लें ताका कशें तोंड दिलें, असुरां लागीं कशे झगडले हाजेरूय दोतोरान बरेच मोलादीक विचार मांडल्यात. प्रत्येक सण आनी उत्सव हो दुख्खांतल्यान सूख मेळोवपी आनी देख दिणो उत्सव. प्रत्येक सण आनी उत्सव आमकां कितें देख दिता? तर ते आमचेर संस्कार करतात. दोतोरान हातूंत सत्ययुग, त्रेता, द्वापर आनी कलियुग हांचेर मात्सो उजवाड घालूंक जाय आशिल्लो. देखीक-त्रेता युग-रामजल्म,सत्य युग- गोल्डन एरा म्हळ्यार भांगरा युग जातूंत सगळे 'सत' आनी ताजीच पुजा करताले. सरासरी 1,00,000 वर्सां पयलीं शीव आनी सती हांचें लग्न. त्रेता युगांत विष्णुच्या रुपांत वामन, परशुराम आनी राम हांचे अवतार जाले.

द्वापर युगांत कृष्ण जल्म, म्हणजेच महाभारताचो जल्म. कलीयुग हें नांवा प्रमाणे कळ लावपी कली युग, जातूंत आमी मनीसजात जियेता. ह्या काळांत कायदो आनी वर्तणुक मनशाचे शक्तीबळार थारता.

दोतोरान नक्षत्रां, तिथी, वार हांचें बरेंच विवेचन करून बेस बरें वाचकां मुखार दवरलां. हिन्दु धर्माच्या प्रत्येक म्हयन्याचे 30 दीस. ताजे शुक्ल पक्ष आनी कृष्ण पक्षांत प्रत्येकी 15 दीस घाल्यात. प्रजापतीक 27 चलयो म्हणजे 27 नक्षत्रां अशेंच म्हणटात. तातूंतल्या रोहिणी नक्षत्राचेर चंद्रिमाचो भोव मोग. बाकिच्यांनी बापाय कडेन कागाळ केली तेन्ना दक्ष प्रजापतीन चंद्रिमाक सांगलें, तूं पयले पंद्रशीक व्हड जायत वतलो आनी दुसरे पंद्रशींत तुजो आकार ल्हान ल्हान जायत वतलो. पूण शुक्ल पक्षांतल्या निमणे दिसा 'पुनव' आनी कृष्ण पक्षाच्या निमण्या दिसा'उमास' अशीं तिथीक नांवां दिल्यांत. पुनव पूर्ण चंद्र आनी उमास काळखी चंद्र म्हणून ओंपार!

उमास आनी पुनव हाजेरूय घरांघरांनी पयलीं ओंपारी मारतालीं. चली गोरी आसल्यार पुनव नाजाल्यार उमास हें बरोवंक जातालें. तशेंच सोम-रवी-मंगळ, गणपती, बुध -सरस्वती, गुरू-दत्तमहाराज, शुक्र-लक्ष्मी, शनी-शनी देव अशें वारांक सुद्दां प्रत्येक देव देवतांचें म्हत्व आसा.

आषाढ म्हयन्यांत घराघरांनी सणाची सुरवात जाताली. आमी म्हणटालीं 'आयली आषाढी परबो, आकारी आयली कार्तिकी परबो निवारी.

दिवाळी आनी विजयादशमी दिसा नरकासुराक आनी रावणाक ल्हासयतात आयच्या कलीयुगांत अशें म्हणूं येता. तांका ल्हासतल्या भौसा मनांत राम कितलो आनी रावण कितलो आसा?

तशेंच हिरण्यकश्यपागेर प्रल्हाद-म्हळ्यार वायटागेर सुद्दां घरच्यांचे पुण्यायेन अशें जावं येता.

आपले व्यस्त जिणेंत वेळ काडून म्हाका मुजरत सांगीन दिसता, आयचे पिळगेक आनी येणारे पिळगेक हें भोव भोव मोलादीक पुस्ताक. विचारांच्या मुदलाक दोतोराक कळंतर मेळटलें हें ठाम! म्हजें मत, मम्मी डॅडीच्या ह्या युगांत एकलो तरी मनीस आसतलो 'आई-बाबा' म्हणणारो! आनी तो ह्या पुस्तकाक खूब दिनवास दितलो हातूंत दुबाव ना.

वाचप्यांनो तुमी आनी सगल्यांनी मुजरत हें पुस्तक वाचूंक जाय. आमचो सैम, ताजे वरवीं आमचीं खाणा जेवणां जाल्लीं आसात. ताजेरूच आमची पोसवण जाता हाज़ेर जरूर विचार करचो.

दोतोराकूय एक विनवणी. तांणी आपले लेखणेक आराम दिवंचो न्हय. हे तुमचे उत्स्फुर्त आनी काळजांतल्यान आयिल्ले विचार वाचतल्यांक सण आनी उत्सवां फाटली काणी सांगतात.

**सौ. कामिनी सिनाय कुंडयकार**
पणजी-गोंय
फो.9764336821.

# 'बिम्ब अस्तुरी' सुपर्ब कल्पना

बिम्ब मासिकान 2021 साकून 'बिम्ब अस्तुरी' पुरस्कार भेटोवपाक आरंभ केला ही खऱ्यानीच एक खूब सुपर्ब कल्पना अशें म्हाका दिसता. आमच्या गोंयांत दर वर्सा आंतरराष्ट्रीय महिला दिसा निमतान खूबश्यो कार्यावळी जातात आनी त्या दिसा निमतान महिलांचें बरेंच गूणगायन करतात. मागीर तांका विसरून वतात. फाटल्या कांय वर्सांनी तर महिला सबली करणाच्या नांवान महिलांक राजकारणा पासत वापरून घेवप चल्लां म्हणपाचें दिसता. गांवां गांवानी जे आप मजत गट तयार जातात तांकां ह्या गटाची एकामेकांक मजत जाताच. तीं एकमेकाच्या आदारान आपली आर्थिक बाजू घट करतात. तांका थळावे आमदार मंत्री मजतूय करतात. पूण ह्या आमदारांचो हेतू 'आपणें तुमकां मजत केल्या आतां तुमी आपले मतदार, तुमी म्हाकाच मतां मारूंक जाय वा आपले पासत वावरूंक जाय' असो अलिखीत नेम राबोवन तांचेर अधिकार गाजयतना दिसतात.

तांच्या राजकारणाचे भकीक पडून ह्या महिलांचें आर्थिक सबलीकरण जाता आसूं येता पूण तांचे भितर वैचारीक सबलीकरण जाल्लें दिसून येना. हें सबलीकरण म्हाका 'बिम्ब अस्तुरें'त दिसता आनी ह्या पुरस्कारा पासत तुमी आतां मेरेन जी निवड केल्या ती पळयत जाल्यार तुमची नदर चोखंदळ आसा म्हणपाचेंय कळटा. 2021 वर्सा डॉ.प्रमोद साळगांवकार, 2022 वर्सा प्रा.प्रशांती तळपणकार आनी आतां 2023ची बिम्ब अस्तुरी डॉ.मिनाक्षी मार्टीन्स हांची निवड ही कोणाचीच हरकत नाशिल्लीच म्हणूंक जाय.

तांचो गोंयच्या वेगवेगळ्या मळा वयलो वावर समाजाक खबर आसाच. आतां मेरेन 'हीं आनी कोण? हांणी कितें काम केलां पुरस्कार दिवंक?' अशें कोणें म्हणलां अशें म्हाका दिसना. तेच पासत अंदुची बिम्ब अस्तुरी कोण? हाजे कडेन म्हजेंच न्हय तर खूबश्या अस्तुऱ्यांचें लक्ष आसतलें.

पुरस्कारान मनीस व्हडलो जायना वा पुरस्कार कोणाक व्हडलो करी ना. पुरस्कार फकत तांच्या वावराची दखल घेवन समाजा मुखार एक आदर्श उबो करता. तांचे कडेन पळोवन कोणाकूय दिसूंक जाय, 'आपणेंय हांचे वरींच वावर करूंक जाय,मागीर आपल्याक पुरस्कार मेळूं वा ना मेळूं. पूण बिम्ब अस्तुरी जावपाचें ध्येय आपूण बाळगितलें.'

फाटल्या अंकांतली डॉ.मार्टीन्सची मुलाखत वाचतना जे विचार सहज मनांत आयले ते वाटसएप करतां, तुमी ते छापल्यार उपकारता. नांव मात टाळचें, कित्याक हेंय लायनींत आसा काय कितें अशेंय कोण म्हणूंक शकता. डॉ.मिनाक्षीचें अभिनंदन.
साखळी–गोंय




# बिम्ब अस्तुरी पुरस्कार

## बिम्ब परिवाराक चत्राय

फाटल्या दोन वर्सां सावन बिम्ब अस्तुरी पुरस्कार आमी भेटयतात. कोंकणी भास,साहित्या वांगडाच गोंयचे अस्तुरेन सामाजीक तशेंच सांकृतीक मळाचेर योगदान दिवंचें आनी तातूंतल्यान हेरांकूय हे दिकेन व्हरचें अशी ह्या पुरस्कारा फाटली भावना आसा. 2023 ची मानेली डॉ.मिनाक्षी मार्टीन्स आसा ही खबर तुमचे मेरेन पावल्याच.

हो पुरस्कार भेटवण सुवाळो बिम्ब परिवाराची मदलस थारची अशीय भावना आसा. फाटल्या दोन दसकांत कितल्याच लेखक–कविंनी बिम्ब मासिकांतल्यान बरप केलां. बिम्ब नेमान आपल्या घरांत व्हेला. हातूंतल्यान बिम्ब परिवाराचें नातें जुळून आयलां. ह्या सगळ्यांनी ह्या पुरस्कार भेटवण सुवाळ्याच्या निमतान एकठांय येवंचें, एकमेका लागीं वळख करची, सांगातान जेवण घेवंचें आनी बिम्ब मासिकाचे सुदारणेंत आपलें मत मांडचें अशीय भावना आसा.

हो सुवाळो आयतार 7 माय 2023 दिसा पणजे जातलो. ह्या सुवाळ्याक बिम्ब परिवारान हजेरी लावंची देखून तांचे पासत येरादारीची वेवस्ता केल्या. एक बस साखळेच्यान सुटून,दिवचल,म्हापशें करीत पणजे आनी दुसरी सावर्डेच्यान,केपें,मडगांव करीत पणजे करत सांजची परत वतली.. तुमकां निमंत्रण येतलेंच

ते पासत तुमी हो दीस आजूच नोंद करून दवरात.आनी आमकां ह्या नंबरार कळयात– 98221 36885/87885 95022

आयच्या काळांत एकठांय येवप खूब गरजेचें!



# हास्यबिम्ब

## दुदयां ऑर्डर

नानू म्हळ्यार गांवचो सगळ्यांत गिरेस्त मनीस. ताका आपले गिरेस्तकायेचो सामको मद मारिल्लो. पूण तो दुडवांनी जितलो गिरेस्त आशिल्लो तितलोच वृत्तीन दळभद्र आशिल्लो. तरी आपूण गिरेस्त म्हूण आपलें दरेक उतर हेरांनी जिकून घेवचें अशें ताका दिसतालें.

एक दीस ताका दुदया शाक खावपाची इत्सा जाली. गांवात टोपणशेट म्हूण एक खूब व्हडलो वेपारी आशिल्लो आनी तो भाजयांचो घाऊक वेपारी म्हूण ताजी नामना आशिल्ली. तो ट्रकाचे ट्रक दुदयांची आयात करतालो आनी मागीर गोंयभरचे लोक ताजे कडल्यान दुदी आनी हेर भाजी व्हरताले.

नानून फोन उखल्लो आनी ताका आपले गिरेस्तकायेच्या धेंकार फोन केलो.



''हॅलो, टोपणशेट हांव नानू उलयतां. म्हाका पाव कील दुदी जाय. बेगोबेग घरा धाडून दी आनी वांगडा बिलूय धाड. कॅश फारीक करतां.''

टोपणशेटीन ताका सांगलें,''पात्रांम, हांव इतली ल्हान ऑर्डर घेना. शंबरां सकयल ऑर्डर आसूंक फावना हें तुका खबर ना?''

''आरे हांव नानू उलयतां..पाव कील दुदी धाड फटाफट.''

'' नानू जावं नातर सोनू जावं! शंबरांची ऑर्डर आसल्यार सांग फटाफट!'' अशें म्हणत टोपणशेटीन फोन दवरलो.

त्या बराबर नानूचो अहंकार चाळवलो. ताणें चरफडत फोन दवरलो तरी राग गेलो ना. 'ताका आतां सोडप ना,ताका दाखोवंकूच जाय आतां,आर्रा तूं !'अशें चिंतत नानू ताका सतावपाचो मार्ग सोदूंक लागलो.

तो दर दिसा सकाळ आनी सांज ताका फोन करूंक लागलो आनी आपली पाव कील दुदयाची ऑर्डर दिवंक लागलो. ऑर्डर दितना,'बील धाड,कॅश फारीक करतां' हें सांगपाक तो विसरनासलो.

लागीं लागीं वर्सभर नानून हो उद्योग मात्तूय उबगनासतना केलो. एक दीस असोच पोन केल्या उपरांत टोपणशेटीन ताका नमळ आवाजांत म्हणलें,'' नानू पात्रांम, फाटलें वर्सभर तूं महाका ऑर्डर दिता. तुजी ऑर्डर बरोवन घेतल्या. ते ऑर्डरी प्रमाण तुमकां म्हाल पावतो करतां.''

टोपणशेटीन म्हणलें तशें नानूच्या मुखामळार जैताचो सो फुटलो. शेवटाक घेतली काय ना ऑर्डर! अशें मनांत तीत ताणें गुर्मीतूच टोपणशेटीक म्हणलें,''आनी बील डूंक विसरशी,कॅश दितां.''

आपले ऑर्डरी प्रमाण म्हाल घरपोच येता हाजी नानूक ग्रंकर कोस जाल्ली. तेच खोसयेन तो दुदयाची वाट ळोवंक लागलो.


कांय वेळान दुदयान भरिल्लो एक ट्रक नानूच्या बंगल्या वार रावलो. धा-बारा मानाय घडाघड दुदी देंवोवन नूच्या बंगल्यांत रास घालूंक लागले. टोपणशेट खासा ालाचें बील घेवन कॅश व्हरपाक आयिल्लो.

दिसाक अर्द कील दुदी ह्या हिसपान 365 दिसांची ॉर्डर आनी बील घेवन आडदांड टोपणशेट नानू मुखार भो राविल्लो.

▶ शीर्शकथा

# कहीं 'आग' न लग जाए....!

गोंय विधानसभेचें अर्थसंकल्पीय अधिवेशन चार दिसांनी सोंपोवन सरकारान बिडकी कवळ्ळी. विधानसभेचें अधिवेशन राज्याचे शेकड्यांनी प्रस्न, जाल्यार गोंया सारख्या सगळे तरेच्या भ्रश्टाचारी राज्याचे हजारांनी प्रस्न सभाघरांत चर्चेक हाडचे पासत विधानसभेचें अधिवेशन चड काळ चलपाची गरज आसता. पूण हे प्रस्न निर्माण जाले तरी ते सभाघरांत पावपाक उपकारनात आनी कोणाय सभाग्यान विचारपाचें थारायलें तरी ते विचारपाची संद तांका मेळची न्हय म्हूण राज्य सरकारान आपले परीन तजवीज करून दवरल्या. ते पासत विरोधी पक्षूच अस्तित्वांत उरचो न्हय म्हूण विरोधी पक्षांतले भोवतेक आमदार विकते घेवन आपल्या गोठ्यांत व्हरून बांदल्यात आनी तांका जाय ती खावड घालून स्वंथ करपाक बसयल्यात, जाल्यार गरज ना म्हूण विकते घेवंक नाशिल्ल्या आनी विरोधक म्हूण हाताच्या बोटार मेजूं येता इतल्या वांगड्यांक मेकळे सोडल्यात तरी तांका आवाज काडूंक मेळचोच न्हय म्हूण हें अधिवेशन जमता तितले बेगीन गुठलावपाचो यत्न सरकारान केल्लो पळोवंक मेळ्ळो. फुडाराकूय तें तशेंच जातलें म्हणटकच ह्या विशयाचेर कोणें चड बरोवपाचें वा उलोवपाचें उरूंक ना. जो कोण उलोवपाचो यत्न करता ताका काळे यादींत घालून कितलें पिडूं येता हाजो विचार सगळ्या स्तराचे भक्तगण आपले परीन करतात. ते पासत राज्यांत कितें चल्लां ताजेर चडसो कोण विचार करूंक वचना आनी उलोवंक, बरोवंक तर सोदीच ना.



**दिलीप बोरकार**

*साहित्यकार, ज्येश्ठ पत्रकार आनी बिम्ब मासिकाचे मुखेल संपादक*

अशें आसलें तरी विधानसभा अधिवेशनाच्या निमतान लोकांच्या ह्या प्रस्नांचेर आवाज काडचो वा काडला म्हूण दाखोवपा पासत कांय आमदार आपले परीन प्रस्न विचारतात आनी ताजेर मागीर भासाभास जाता. ह्या प्रस्नांक वा भासाभासेक तशें राज्यांत व्हडलेशें म्हत्व नाशिल्ल्यान ते विचारी नाशिल्ले वा चर्चेक घेवंक नाशिल्ले जाल्यारूय फरक पडपाचो नाशिल्लो. फरक केन्ना पडटा, जेन्ना त्या प्रस्नांची दखल घेतात! पूण आमच्या सरकारान अनुल्लेखान मारपाचें धोरण आपले भितर इतलें बळायलां, कितलीय आरड मारूनय कोणाची ल्हंव लेगीत हालना.

तरी लेगीत विधानसभेचे कांय वांगडी, जे आपल्याक विरोधक अशें मानून घेतात ते आपलें अस्तित्व सुगूर करपाक प्रस्न विचारपाच्या नांवान आनी जांणी खालां आनी जांका खरजता ते सत्ताधारी पंगडांतले कांय जाण जापो दिवपाच्या नांवान थोडें भोव नाटक करून ही भोगावळ सोबोवन व्हरतात. हे खेपेचें मार्चाचें अधिवेशन हाजे परस कितें वेगळें आशिल्लें अशें म्हणूं येना!

ह्या अधिवेशनांत उज्याचो प्रस्न आयलो आनी हातांत सत्ता

नाशिल्ल्यान सातत्यान आपले भितरूच धुमसत आशिल्ल्या फातोर्डयाचे आमदार विजय सरदेसाय हांणी गोंयच्या साबार वाठारांत लागिल्ल्या उज्याचो प्रस्न सभाघरांत हाडलो. तशें पळोवंक गेल्यार गोंयच्या म्हत्वाच्या आनी पर्यावरणाचे नदरेन अती संवेदनशील आशिल्ल्या वाटाराक उजो लागता काय तो कोण लायता आनी उजो लागलो जाल्यार तो आळाबंदाक हाडपा पासत सरकारान कितें उपाय येवजण करूंक जाय हाजेर खरें म्हळ्यार ह्या अधिवेशनांत चड भासाभास जावपाची गरज आशिल्ली. पूण ही भासाभास वाडिल्ली जाल्यार गोंयांत जायते कडेन लागिल्ल्या वा लायिल्ल्या उज्या परस खर उजो आनी हुलोप सरकाराक आनी विधानसभेंतल्या कांय वांगड्यांक लागपाचो आशिल्लो. देखून गोंयाक लागिल्ल्या उज्या कडेन सरकारान जे अलिप्ततायेन पळयलें तितलेच अलिप्ततायेन विधानसभेंतल्या कांय वांगड्यांनी विचारिल्ल्या प्रस्नां कडेन पळयलें.

गोंय राज्यांत हालींच म्हादय अभयारण्य आनी हेर सुवातांनी लागिल्लो उजो हो कोणें लायला वा तो सैमीक कारणांक लागून लागला हाजी चवकशी करची अशी मागणी हे विधानसभेंत विरोधकानी केली. पूण हो विशय जितलो जाय त्या प्रमाणांत सरकारान गांभिर्यान घेवंक ना. कित्याक हो उजो सैमीक काय तो कोणें लायला हाजी जाप वा कल्पना सरकाराक आनी उजो लागिल्ल्या वाठारांतल्या आमदारांक बेस बरी आसा. तेच पासत विधानसभेंत उज्याच्या नांवान जो उजो लावपाचो यत्न विरोधक करतात तो हाता भायर वच्चो न्हय देखून त्या प्रस्नांक जाता तितले बेगीन पानां पुसपाचें काम विधानसभेंत जालें म्हणपाचें आमी सगळ्यांनी पळयलां.

सद्याचो काळ हो जागतीक तापमानवाडीचो. हें तापमान हेर नदरेन संवसाराक हुसक्याचो विशय थारला आसूं येता. पूण गोंयकारांक वेगळ्या तरेच्या वाडिल्ल्या तापमानाचो ताप चड हुलपावंक लागला. गोंय हें खूब ल्हान आशिल्ल्यान तें कशें गिळूं येता वा ताजे चडांत चड लचके कशे तोडूं येता हाजो विचार आनी यत्न सगळे तरेन गोंयांत जाता. जे कोण ह्या वावराक भान सोडून लागल्यात तांका हो विशय आनी ताजे परिणाम तशे विशेश जाणवनात, वा म्हणुया त्या प्रस्नांत तांका रस ना. आपलो सुवार्थ हेंच तांचें ध्येय जाल्ल्यान ते कशें साध्य करप हाजेच कडेन जण एकलो आपलें तन मन लावन बसला, म्हणटकच गोंयच्या हिताचो प्रस्न ह्या मुखार कोण घेवन बसता तो फकाणेर थारूं येता. फाटल्या एका दसकांत गोंयांत जी भोगावळीची संवय लायल्या ती पळोवक गेल्यार कोण जिविता कडेन गांभिर्यान पळयता असो दिसना. गोंय राज्याचें चित्रण संवसारभर हालींसराक सोरो, अस्तुरी आनी जिवाक सुखदेणें हवामान आशिल्लें राज्य म्हूण जालां वा केलां. तेच पासत मौजमजा करपाक संवसार भरचे लोक गोंयांत येतात. आदलीं वरीं संवसारांत विचारवंतांचें, बुद्धीवाद्यांचें आनी जिवना कडेन अर्थपूर्ण नदरेन पळोवप्यांचें प्रमाण उरूंक नाशिल्ल्यान आनी भोगवादी जिवनाक वेंगावपाची मानसिकताय बळावत गेल्ल्यान खाओ, पिओ, मजा करो हेंच आपलें ध्येय म्हणपाचें भावनेन जग चलता. जें कितें आयज हे घडिये आसा तें सगळें आपले पासत, फुडारा पासत तें सांबाळून दवरप हें आपलें काम न्हय म्हणपाची जी मानसिकताय आयज बळावता ती घातक आसा. ताका लागून गोंयचीय नवी पिळगी तेंच सत मानून ते दिकेन वचत आसा. दुसरी गजाल, कोण कोणाचें आयकून घेवपाचे मनस्थितींत ना. आपलें तेंच खरें, आपूणच शाणो आनी आपलें हें शाणेपण प्रसारमाध्यमां कडल्यान बाजारांत कशें खपोवप हाजी नाट हे पिळगेक लागिल्ल्यान आयज पुराय जिवितूच थिल्लर जावन गेलां.

सद्याच्या काळांतलें हें वातावरण पळयत जाल्यार गोंयचो फुडार कितें तो आमकां सगळ्यांक खबर आसा. देखून त्या फुडाराक फुडो करपाक आमची पिळगी आपले परीन आपल्याक संवकळ लावन घेतात जाल्ल्यान तांका खरें कितें हें सांगपाक कोण वचना. तशें सांगपांत अर्थूय उरूंक ना म्हणपाची भावना जाल्ल्यान आयज गोंयांत चलता तेंच बरें म्हणपाची निश्क्रीय विचारसरणी बळावत चल्ल्या.

जेन्ना गोंयांत हालींच्या काळांत धा बारा जैवीक आनी पर्यावरणीय नदरेन संवेदनशील वाटाराक उजो लागलो वा लायलो तेन्ना जी हानी जाली ती कल्पना करपा भायली. जे कोण भोगवादांत बुडून गेल्यात आनी जांका आपलें सूख सोडून हेर कांयच लागना तांका ह्या उज्यांत कितें जळून गेलां आनी ताका लागून, त्या उज्याच्या हुलपान ज्या कोणाच्या दुकांचें बाष्पीकरण जालां तें आज कोणाचे नदरेक पडपाचें ना वा जाणवपाचें ना. भोगवाद आनी सुखा फाटल्यान लागिल्ल्यांच्यो संवेदना केन्नाच मेल्यात म्हणटकच तांचे मुखार कितलीय तकली धोडायली म्हूण तांका पाजर फुटपाचो ना.

गोंयांत जें हें अग्नीतांडव जालां तें पळोवन शासकीय यंत्रणा खरें म्हळ्यार झुजा पातळीर धांवपळ करतना दिसूंक जाय आशिल्ली. रानाक लागपी उज्याचें वेवस्थापन करपा पासत सर्वसमावेशक कृती आराखडो तयार करपाची गरज आशिल्ली. ती करपा पासत कोण आवाज काडटा काय म्हूण रावपाची गरज नासता. जेन्ना ही असली आपत्ती येता तेन्ना ती आळाबंदाक हाडपा पासत कृती येवजण तयार करून असल्या अरिश्टां आड वर्साचे बाराय म्हयने आनी दिसाचीं चोविसूय वरां झुजपा पासत एक फौज तयार करून दवरची पडटा. वेंचणुकेक मतां मेळोवपा

पासत आयज सत्ताधारी पक्ष जी फौज बाळगिता तेच फौजेक हाजें प्रशिक्षण दिवन जर तांका सदैव जागरूक दवरले जाल्यार असल्या अरिश्टां वेळार तांचो उपेग सत्कारणी लागूं येता. जाय जाल्यार तांणी आपल्या वावराचें भांडवल फुडाराक मतां मेळोवपा पासत करूं येता. पूण फाटल्या दिसांनी जेन्ना उजो लागलो तेन्ना तो पालोवंक सोडात, त्या उज्यांत जो जीव हुलपलो तो पळोवन तांचे पासत दोळ्यांत दोन दुकां हाडपी ह्या गोंयांत कोण नाशिल्लो. अशें आसलें तरी खंयच्याच राजकी पक्षा कडेन आपलें कसल्याच प्रकारचें नातें नाशिल्ले कांय तरनाटे मात जीव तोडून हो उजो पालोवंक धडपडटाले आनी हताश जावन दुकां गळयताले. पूण ह्या लोकांचेर सरकारचें लक्ष आसना. सरकार लक्ष दवरून आसता, कोण पक्षकार्य करता तांचेर. तेच लोक सरकारा भोंवतणी आनाळ्यो गुनाळ्यो काडटात.

गोंयांत जो हो उजो लागलो तो सैमीक रुपान लागलो काय तो कोणें मुद्दाम लायलो हो प्रस्न आजून अनुत्तरीत आसा आनी फुडाराक ताका जाप मेळटलीच अशें ना. ती मेळची अशी कोणाची अपेक्षाय आयज उरूंक ना. तरी लेगीत म्हादयच्या रानवटी जिवावळीच्या अभयारण्यांत मुद्दाम जमीन विकसीत करपाचो वावर चलता आनी ते जमनीची विक्री करपाक वा ती भाड्यान दिवपा पासत थंय उजो घालून ती ल्हासतात म्हणपाचें पर्यावरण मोगी उलयतात. तातूंत खरेंपण आसले बगर कोण उलोवंक वच्चो ना. जंय धुंवर येता थंय उजो लागला हो सादो तर्क आमी जर मानून घेवपाक तयार नासत जाल्यार मागीर आमचो फुडार कितें हेंय सांगपाची गरज ना.

सरकार म्हणटा तशें हो उजो कोणें लावंक ना तर तो तापमानवाडीक लागून लागलो आनी वाऱ्याक लागून सगळ्याक फाफसलो. तो दुर्गम वाटांरांत लागिल्ल्यान तो पालोवपा पासत कसलीच यंत्रणा नाशिल्ल्यान ताजेर नियंत्रण हाडप शक्य जालें ना अशेंय सरकार आपली बाजू मांडटना सांगता. तातूंत सत्यताय आसा हें आमी न्हयकारूंक शकना. संवसारीक तापमान वाडटा आनी ताजो हुसको संवसाराक लागला ही सत गजाल. तें कशें नियंत्रणांत हाडप हाजेर व्हडा प्रमाणांत विचार जाता आसलो तरी तें तापमान कशें वाडूंक दिवंक फावना हाजेर मात व्हडलोसो विचार जायना. ताजें कारण हें जागतीक तापमान वाडोवपा पासत मनीसूच जापसालदार आसा आनी त्या तापमानाची झळ मात तापमानाचें संतुलन दवरपा पासत सातत्यान कार्यरत रावतल्या सृश्टींतल्या हेर प्राण्यांक लागता. म्हादय अभयारण्यांत लागिल्ल्या उज्यांत जे कोण तापमान वाडोवपाक जापसालदार आसात तातूंतलो एकलोय भकीक पडूंक ना तर ल्हासून गोबोर जालो तो रुखावळीचो आनी ताजेर राबितो करून आशिल्ल्या पक्ष्यांचो आनी त्या वाठारांतल्या प्राण्यांचो. म्हणटकच आमचे सारके संवेदनशील जे कोण आसात तांणी हो उजो सैमीक म्हण ओगी रावपाचें काय हांगची ही जमीन आमच्या राजकारण्यांनी दिल्लीश्वरांचे भकीक घाल्या म्हणटात तें सत मानून ओगीच बसपाचें!

आमचे सारख्या निश्क्रीय लोकांनी पयलेंच सत मानपाचें आनी ते नदरेन कितें करूं येता हाजेर समाजांत जागृताय हाडपाक दोन उतरां बरोवपाचीं आनी समाधान मानून घेवपाचें! दुसरें सत जर सत आसत जाल्यार तें सत न्हय म्हूण आपल्याकूच समजावपाचें. कित्याक तें सत आसलें तरी ताजे आड आवाज काडपाची धमक आयज आमचे भितर ना आनी त्या आवाजाक प्रतिसाद दिवपीय आमचे वांगडा नात. म्हणटकच असल्या



गजालींचेर विचार करून आपल्याकूच पिडून घेवपांत अर्थ ना.

पणजे जो कोण पावता आनी मिरामार वारें खावपाक बसता ताजी नदर जर नेरूल आनी आग्वादचे दिकेन वचत जाल्यार तांका थंयचो दोंगर बोडको दिसतलो. कांय वर्सां आदीं त्या दोंगरार रुखावळ आशिल्ली आनी पळोवंक रम्य दिसतालो. आतां एक एक करून त्या दोंगरा वयली सगळी रुखावळ ना जावन गेल्या आनी थंय आतां बांदकामाक आरंभ जाला. थंय इमारती येवंक लागल्यात. कांय दिसांनी त्या दोंगरार कॉंक्रीटचें जंगल नदरेक पडटलें.

पणजे सारख्या गोंयचे राजधानींत दिसपट्टे राज्यपाल, मुख्यमंत्री आनी हेर मंत्री तशेंच आमदार भोंवतना तांका हो दोंगर बोडको करतात तें दिसना जाल्यार म्हादय अभयारण्यांत जें कितें घडटा ताजेर तांचें शिंतीद वतले म्हणपाची अपेक्षा बाळगप शाणेपणाचें अशें कोण म्हणचोना. म्हणटकच गोंयांत जो उजो लागपाक लागला तो कोण लायनांत तर तो संवसारीक तापमान वाडत आसा ताजो दुश्परिणाम अशें मानून ताजेर कितेंय उपाय काडूंक मेळटा काय कितें हाजेर आमच्या सारख्यानी विचारमंथन करचें पडटलें.

जाका आमी आयज जागतीक तापमानवाड म्हणटात ताका संवसार 'ग्लोबल वार्मिंग' म्हणत ह्या तापमानावाडी आड गांभिर्यान विचार करतात अशें पळोवंक मेळटा. ही तापमानवाड फाटल्या देडशें वर्सां सावन सुरू जाल्या आनी ताका जापसालदार औद्योगीक क्रांतीक धरतात. म्हणटकच ही तापमानवाड मनशाची निर्मणी जर मानली जाल्यार ती नियंत्रणांत दवरपाची जापसालकी मनशाचेरूच पडटा. पूण मनशाक ताजें भान आसा काय कितें हाजोय विचार करपाक जाय. जर मनशाक भान आसुनय जर तो आपली जीवन पद्दत बदलना जाल्यार सृश्टीच्या जिवार आयला म्हूण ताका समाजान 'सृश्टी खायरो' अशें बिरूद लावचें पडटलें आनी पुराय समाजूच जर सृश्टीखायरो आसत जाल्यार ताका कसलें बिरूद लावप होय प्रस्न आसा. आयज समाजाचे जिवनपद्दतीचें जर निरिक्षण करीत जाल्यार हो समाजूच सृश्टी खायरो काय कितें असो प्रस्न पडटा! आनी तें जर खरें आसत जाल्यार संवसारीक तापमानवाडीच्या नांवान कोणा पासत शंख मारप होय सगळ्यांत व्हड प्रस्न म्हणूंक जाय.

आमची धर्तर तिजे पिरायेचे नदरेन पळयत जाल्यार ती आयज 455 कोटी वर्सांची जाल्या अशें जाणकार मानतात. म्हणटकच कांय लोकांक प्रस्न पडूं येता, त्या काळार हें ग्लोबल वार्मिंग नाशिल्लें? त्या काळचे लोक कितें शाणे आशिल्ले? त्या काळार तापमान मेजपाची यंत्रणा जरी नाशिल्ली तरी सैम आपले परीन अप्रत्यक्षपणान कुरवो दवरता. तपमानांत जेन्ना बदल जाता तेन्ना ताजो परिणाम सैमांतल्या सजिवां वांगडाच निर्मितीचेर जाता आनी सैम ती प्रमाण कुरवांनी [illegible] पदी दवरता! रुखावळीची रुपां आनी [illegible], तर्की, दर्यांतले प्राणी, हिमनद्यांतलो गाळ आनी बर्फ हांचेर हो कुरवो सापडटात आनी शास्त्रज्ञ तांचो अभ्यास करतात. ह्या आदाराचेर तांणी हवामान बदलाचो इतिहास रचला.

धर्तरे वयले तापमान हें सतत बदलता. हे धर्तरेर [illegible] कोटी वर्सां हिमयुग वसतालें. थंड काळ आनी गरम काळ अशें वातावरण आलटून पालटून बदलतालें हें काळचक्र कित्येक काळ चल्लें. सादारणपणान दरेक शंबर-हजार वर्सांनी धर्तरेर वयलें तापमान तात्पुरतें गरम जाता आनी हें गरम आसपाक पंदरा ते वीस हजार वर्सां तिगता असो जाणकारांचो अदमास आसा.

फाटल्या अठरा लाख वर्सांच्या काळाक क्वॉटर्नरी म्हणटात. तो मानवी उत्पत्ती पासूनचो काळ ह्या काळखंडांतल्या फाटल्या अठरा लाख ते अकरा हजार वर्सां मेरेनच्या काळाक प्लिस्टोसीन म्हणटात. ह्या काळांत युरोप, आशिया सारख्या खंडांतलें तापमान आयच्या काळा परस चड थंड आशिल्लें. त्या उपरांत हालींच्या काळार बर्फाचें आच्छादन फाटल्यान सरकत हवामान गरम जावपाक लागलें. हो होलासीन काळ. देखून हाका ग्लोबल वॉर्मिंगाचो आरंभ अशें म्हणूं येता. त्या उपरांतूच हे धर्तरेर मानवी संस्कृतायेचो उगम जावंक लागलो. वातावरण दमट, [illegible] बी जावन तें मानवी संस्कृतायेक पुरक थारलें.

धर्तरि वयल्या तापमानांत जावपी बदल हे चालू आसप हो काळचक्राचो वांटोच. पूण हो बदल जावपाक खूब व्हडला काळावधी लागता. हो बदल दर्तरिच्या गर्भांतले हालचालींक लागून, सुर्या कडल्यान मेळपी उर्जेचो परिणाम आनी पृश्ठभागाचेर जावपी स्थित्यंतरां हाका लागून हें तापमान बदलत आसता. ज्वालामुखीच्या स्फोटाक लागूनय तातूंत बर पडत आसता. हें सगळें सैमीक रुपान घडटा. आनी मनीस तशेंच हेर जिवावळ सैमाचोच घटक आशिल्ल्यान सैमाच्या बदला वांगडा हो बदल जुळोवन घेवपाची प्रक्रियाय सातत्यान चालू आसता.

अशें आसलें तरी मनीस आपले बुद्धीची वाड करून वेगवेगळे प्रयोग करीत रावता आनी हे धर्तरि वयले सगळे सैमीक स्रोत हेर जिवावळीचेर शेक गाजोवन आपलेच पासत चड प्रमाणात वापरता. ताजी हाव उणी जावपा बदला ती वाडत आसता आनी सुर्वेक हेर जिवावळीचो वाटो तांका दुय्यम मानून आपूणच हातासतालो तो आतां आपले भितर सर्त करून दुसऱ्या मनशांचोय वाटो आपूण हातासपाक लागलो. तातूंत मालकी हक्क आयलो आनी दरेकल्याची सर्त वाडली. तातूंत सैमाचेर हावळ येवंक लागली. मनशाचे हपापीचे गती मुखार सैमाचे निर्मितीची गती उणी पडली. तातूंतल्यन विध्वंस आरंभ जालो. जेन्ना औद्योगीक क्रांतीन गती घेतली तेन्नाच्यान सुशिक्षीत, उच्चशिक्षीत मनशाचें




चलन कृतींतल्यान संस्कृती कडेन जावपा बदला विकृती कडेन जावपाक लागलें. हे विकृती सामकार सैमाची संस्कृती बळी थारूंक लागली. तातूंतल्यान तापमान वाडून सैमीक संतुलन इबाडूंक लागलें. अरिश्टां वाडूंक लागलीं. खरें म्हणल्यार मनीसजातीक अरिश्टां दिसतात तीं सैमाक अरिश्टां दिसनांत. तें सैमाचें संतुलन इबाडिल्ल्यान सैमाच्या घटकांचें स्थित्यंतर. तातूंत मनीसप्राणीय आसपावल्ल्यान आनी तांचे भितर संवेदना आशिल्ल्यान तांचो आक्रोश हेरांक दिसता. पूण सैमाचो आक्रोश समजून घेवपाचीं इंद्रियां आनी संवेदना मनीसप्राण्या लागीं नाशिल्ल्यान ताका आपलींच अरिश्टां दिसतात. ताजींच तो गगना करता. कोरोनाच्या काळांत लॉकडावनाक लागून सगळीं यंत्रां कांय काळा पासत ठप्प जाल्लीं. ताका लागून सैमांतलें प्रदुशण थिरावन सैम श्वास घेता म्हणपाचो साक्षात्कार आमच्या मदल्या कांय संवेदनशील लोकांक जालो. पूण तातूंतल्यान कोणेंच देख घेतली ना. कोरोना गेल्या उपरांत परतून सगळीं यंत्रां चड नेटान सुरू जालीं. कोरोना काळांतल्या दोन वर्सांत जाल्लें लुकसाण भरून काडपा पासत मनशां मदलो राकेस दोना सुवातेर चार हात वापरून चड गतीन आपलो सुवार्थ साधपाक लागलो. आतां तांचे पासत आनी तांकांच लागून कोवीड परत एक खेप तकली वयर काडूंक लागला.

ऑस्कर पुरस्कारान सन्मानीत 'ॲन इनकन्व्हिनियंट ट्रुथ' म्हूण एक म्हायतीपट आसा. हो म्हायतीपट करपी एक राजकारणी. पूण तो भारतीय राजकारणी न्हय. भारतीय राजकारणी असलो म्हायतीपट करपाचें सपनांत लेगीत चिंतपाचो ना. उरफाटो कोणूय जर करता जाल्यार ताका आडखळ हाडपी. हो राजकारणी अमेरिकेचो माजी उपाध्यक्ष,अल् गोर.

अल् गोर हो 2000 सालांत अमेरिकेच्या अध्यक्षीय वेंचणुकेक उबो राविल्लो. ताजो प्रतिस्पर्धी आशिल्लो ज्यॉर्ज डब्लू बुश (ज्युनियर). ही वेंचणूक इतिहासांतली पेजाद वेंचणूक थारली. मतदाना वेळार बोवाळ आनी घुस्पागोंदळ जाल्ल्यान हि वेंचणूक न्यायालयांत पावली. म्हयनो सरलो तरी हे वेंचणुकेचो निकाल येना जालो. अमेरिकेची ते पासत संवसारांत लज गेली. लोक अमेरिकेचीं फकांडां मारूंक लागले. उपरांत बुश ज्या राज्याचो–फ्लोरिडाचो गव्हर्नर आशिल्लो त्या राज्यांत प्रत्यक्ष जाल्ल्या मतदानाची परतून मोजणी जाल्या उपरांत न्यायालयान बुश जैतिवंत जाल्ल्याचें जाहीर केलें. बुश जिखून अमेरिकेचो अध्यक्ष जालो आनी अल्गोर उपाध्यक्ष!

'ॲन इनकन्व्हिनियंट ट्रुथ' ह्या म्हायतीपटांत अल् गोर हाणें जागतीक तापमानवाडीचो विशय घेतला. जागतीक तापमानवाड हो विशय आतां फकत शास्त्रज्ञ आनी पर्यावरण मोगी हांचे पुरतोच मर्यादीत उरूंक ना जाल्यार तो आतां संवसारांतल्या सर्वसामान्य मनशा कडेन पावला. ह्या वाडट्या तापमानाक लागून संवसारांतल्या कितल्याच घराब्यांचे संवसार उध्वस्त जातना दिश्टी पडटात. ग्लोबल वार्मिंगचे समस्येन संवसाराची न्हिद खळयल्या. पूण हें अरिश्ट वयर सांगलां तशें सैमीक न्हय. तें मनशान आपूण जावन आपल्या आंगार ओडून घेतलां. विज्ञान आनी तंत्रगिन्यानाच्या मालवजार मनशान उदरगतीची गती कशी वाडयली आनी आनी आपल्याक बुदवंत मानपी ह्या मनीसप्राण्यान आपल्या पर्यावरणाचो कितलो इबाड केला, हीच गजाल सामकी खरायेन 'ॲन इनकन्व्हिनियंट ट्रुथ'ह्या म्हायतीपटांतल्यान मांडल्या.

पर्यावरणाच्या इबाडाक लागून संवसारीक तापमानाचे संकश्ट आमचे मुखार कशें येवन उबे रावलां इतल्यारूच हो म्हायतीपट रावना. तर अल् गोर हे समस्येचो पुरायेन वेध घेता. तातूंतली गुंतागूंत कलात्मक नदरेन आमचे मुखार उसोवन दाखयता. मानवी प्रवृत्ती कशी आसता, समाजाची एकवटीत प्रवृत्ती कशी आसता हाजोय सोद तो घेता. इतलेंच न्हय लोकशाय राज्यवेवस्थेंतल्या ह्या संदर्भांतल्या राजकारणाकूय तो ह्या माध्यमांतल्यान स्पर्श करता. राज्यकर्त्यांचेर कशे तरेन दबाव हाडूंक जाय, दरेक नागरीक ह्या प्रस्नाचेर नियंत्रण दवरूंक



रेन पावलां उबारूंक शकता, सर्वसामान्य मनीस आपले लीचेर कसले स्वरुपाचे बदल घडोवन हाडूंक शकता या विशयांचेर ताणें तळमळीन आनी कळकळीन भाश्य तातूंत ताणें सुचना दिवपा वांगडाच आवाहनूय केलां. लागून तो दरेक मनशाक त्या म्हायतीपटांतलेंच पात्र करून ा आनी ह्या म्हायतीपटाक एक आगळीच उंचाय दिता.

ायतीपटाच्या आरंभाकूच 1968 वर्सा अपोलो –8 अवकाशांतल्यान घेतिल्ल्या निळ्याच पृथ्वीचो पयलोच लो फोटो दाखोवन धर्तरिचें एक सुंदर दर्शन घडयता. लक्षण देखणें अशें धर्तरिचें दृश्य दोळ्यां आड जातनाच च दुसरें दृश्य येता तें 1972 वर्सा अपोलो –17 यानान लें चित्र. आनी त्या उपरांत एका फाटल्यान एक येता यो स्पेसशिपांतल्यान वेळावेळार घेतिल्लीं धर्तरिचीं चित्रां. चित्रा फाटल्यान धर्तरिचो जाल्लो पर्यावरण बदल आमकां पडटा. मागीर दोळ्यां सामकार येता बर्फान भरिल्ल्या चें दर्शन. पूण हो बर्फ शुभ्र धवो दिसपा बदला विटको ाल्लो नदरेक पडटा. व्हडा प्रमाणांत शिखरां वयलो बर्फ ् गेल्ल्यान शिखरां वयली माती आनी फातर नदरेक . मागीर दिश्टी पडटा अंटार्क्टिका वयल्या आकांताळ्या खरां वयले झेलांचे पर्वत वितळटात तें दृश्य. थंयच्यो यो न्हंयों आनी तळीं आटून वतात म्हणपाचेंय दृश्य ां दिसूंक लागता. हें पळयता आसतना काळजांत सामकें जाता. मागीर दिसतात म्हासागरांतलीं प्रचंड वादळां तुफानां, तांतूंतल्यान जावपी नागरी विध्वंस. सैमाच्या ाडाक लागून मनीसकुळये मुखार फुडाराक कितें वाडून ' हें पळोवन काळीज कलकलूंक लागता.

ोबल वार्मिंग' हो विशय तसो खूब गुंतागुंतीचो. हो विशय आमी शास्त्रज्ञाचो विशय मानून तांचेच पुरतो मर्यादीत कांय पर्यावरणवादी ह्या विशयाचेर चर्चा आनी भासाभास करतात काय [illegible] काय लोक हातांत फलक घेवन [illegible] करतात. इतल्यार हो विशय इतलो [illegible]. [illegible] गोर हाणें तो विशय सर्वसामान्यां [illegible] आनी [illegible] हे गोबील मुद्दे [illegible] आपल्या [illegible] कितें केलें, ही धर्तर आपलीच न्हय तर फुडल्या [illegible] पिळग्यांची तिचेर आपले इतलोच अधिकार आसा [illegible] आपल्याक तिजो असो इबाड करपाचो अधिकार ना. [illegible] कर्तव्य आमृण जल्माक आयिल्लो हे धर्तरेचो वापर [illegible] कांय काळा पासत, आमृण हागा [illegible] म्हणटकच कांय काळा पासत आमी वापर करतात [illegible] धर्तर सांबाळून वापरप आनी [illegible] विचार 'अॅन इनकन्व्हिनियंट ट्रुथ' ह्या म्हायतीपटांतल्यान एक सत्य म्हूण अल् गोर आमचे मुखार दवरता.

आमच्या गोंयचोच विचार कल्यार म्हजे [illegible] म्हणल्यार साठ–सत्तरच्या दशकांत अणभवल्लें [illegible] ना. तेन्नाचो शिंयाळो, पावसाळो आतां ना. [illegible] दारां उक्तीं दवरीत जाल्याक झमझमीत वारें [illegible] पासार जातालें आनी शितळ वावेन रातची आवांताद न्हीद पडटाली. हे आयच्या आमच्या भुरग्यांक सांगत जाल्यार नाका सत दिसपाचें ना. एसी बगर तांका घरांतच न्हय तर शाळेंत लेगीत रावप जमना. गरमी वाडली म्हणटकच एसी जाय. आतां पावसांत आनी शियांत लेगीत एसी जाय. एसी युनीट थडाय हाडूंक भायर गरमी सोडटा. तापमान वाडींत भर घालता.


हें विशचक्र. तातूंतल्यान सुटका ना. आयज भायर पळयात वताचो रखरख आनी वैराण धर्तर. तण आनी करड सुकून सामकें कडकडीत जावन पडलां. कोणेंय गाडयेंतल्यान वतना पेटिल्ली सिगरेट वा काडी ह्या करडार उडयल्यार पुरो! करड, तण भरभरीत जळूंक लागतलें. कोणेंच मुद्दम उजो लावपाची गरज ना. शेताची मशागत करतना कोयर पोतरो ल्हासपाक घालो आनी जतनाय घेतली ना जाल्यार तो खंयचे खंय वचूंक शकता. म्हणटकच कोणें उजो घालो म्हणचे परस 'उज्या कडेन खेळ नाका' ही शिकवण आयज दरेकाच्या मनांत बिंबोवपाची गरज आसा. उजो लागूंक फावना म्हूण आनी लागल्यार तो कसो आळाबंदाक हाडप हाजेर जागृताय करपी 'अॅन इनकन्व्हिनियंट ट्रुथ' सारखो ल्हानसो म्हायतीपट शाळा–कॉलेजींनी आनी चित्रपटघरांनी दाखोवपाची गरज आसा. पूण आमचो सभाव उजो लागतकच बांय खणपाक धांवपाचो..ते मेरेन ह्या उज्यांत कितें कितें ल्हासून गोबोर जायत हें कोणाच्यान सांगू नज...!

---

***पणजे मो. 9822136885***

# विश्वाची उत्पत्ती

...श्वाचो आवाट आनी आकार कितलो अफाट आसा हाजी कल्पना आमी करूंक शकनात. ...ई विश्व समजून घेवपाची तांक आधुनीक विज्ञाना...र शक्य जाला, हें आमी मान्य करपाक जाय. ...चो उगम, रचना, अंतराळांतले बदल आनी ...को अश्या वेगवेगळ्या दिश्टीकोनांतल्यान ताजो ...सं जाता. प्राचीन काळांत धर्तरी ईश्राची अप्रूप ... मानताले. ती विश्वाच्या मदीं आसा आनी सगळें ... तिज्या भोंवतणी घुंवता असो समज आशिल्लो. ...ीय पुराणांत धर्तरि भोंवतणी दर्यो आसा आनी ... ताजेर उफेता अशें वर्णन मेळटा. धर्तरी अधांतरी ...रेक्षांत घुंवता ही कल्पना त्या काळांत पटपाक कठीण ...ी. तशेंच धर्तरि वयर पाखाटें आसा म्हणजे 'स्वर्ग' ...ाले. थंय देवांचें राज्य चलता, असो समज ...ल्लो. नावाडी लोक होड्यान पयस पयस वचून ... दर्यांत खंय मेळटा तें सोदपाचो यत्न करी. पूण तांकां येस मेळ्ळें ना, हें सांगपाची गरज ना.

**विज्ञानदूत श्रीकांत शंभू नागवेंकार**

*आपल्याक विज्ञानदूत मानून विज्ञानाचें गिन्यान सोंपे भाशेंत कोंकणींत हाडून समाजाक विज्ञानाची गोडी लावपी विज्ञान शिक्षक आनी लेखक*


### प्राचीन विश्व-रचना

सादारण ख्रिस्तपूर्व 500 वर्सां सावन मळबांतल्या चंद्र, सूर्य, गिरे, ताऱ्यांची शास्त्रीय पद्दतीन निरिक्षणां जातालीं. ग्रीक संस्कृतायेंतले पायथॅगोरस, टॉलेमी, आर्किमिडीज अश्या विद्वानांनी आनी भारतांतले ऋषी तशेंच आर्यभट, ब्रह्मगुप्ता आदी पंडितांनी अचूक निरिक्षणां आनी मेजमापां करपाचेर भर दिलो. सादारण 6 ते10 वो शेंकडो भारताच्या ज्योतिश्य शास्त्राचो भांगराळो काळ मानताले. ब्रह्मगुप्ताच्या ज्योतीश शास्त्रा वयल्या पुस्तकांचे अरबी भाशेंत अणकार जाले.

त्या तेंपार धर्तरी विश्वाच्या केन्द्र स्थानाचेर आसा अशें समजताले. सभावीक धर्तरी हो एक गिरो म्हणून आसपाव जायनाशिल्लो. सूर्य, चंद्र हे अंतराळांतले गोल धर्तरी भोंवतणी घुंवतात ते दिश्टी पडटाले. त्या खातीर तांचो आसपाव गिऱ्याचे वळेरींत जातालो. त्या भायर बुध, शुक्र, मंगळ, गुरू आनी शनी हे पांच गोल मळबांत भोंवतात हे मनशाच्या दोळ्यांक दिश्टी पडटालें. हे पांच धरून वट्ट सात गिरे जाताले.

सप्तकांतले सात वार गिऱ्यां वयल्यान घेतल्यात हें



तांच्या नांवां वयल्यान सिध्द जाता. ही वेवस्था ग्रीक संस्कृतायेंतल्यान आयल्या.

हिंदू ज्योतीश शास्त्रांत राहू-केतू हे गिरे मानल्यात. ते धरून नवग्रह जातात. पूण एक म्हत्वाची गजाल मतींत धरपाक जाय. राहू-केतू अशे गोल मळबांत अस्तित्वांत नात. सूर्य आनी चंद्र हांची भ्रमण कक्षा जे बिंदूंत छेदतात त्या बिंदूक भारतीय ज्योतिशांनी गिरे मानल्यात. कागदाचेर एकमेकांक छेदपी दोन वर्तुळां काडलीं जाल्यार जशे दोन बिंदू मेळटात तेच बशेन हे दोन बिंदू आसात. गिराणांचो अभ्यास करपाक हे दोन बिंदू खूब गरजेचे आसतात.

## आधुनिक खगोलशास्त्राचो उगम

धर्तरीचे स्थान केन्द्रांचेर घेतल्यार गिऱ्याचीं मळबांतली स्थानां आनी भूमितींचीं सुत्रां हांचे मदलो संबंद बरोबर जुळून येनाशिल्लो. जशीं जशीं निरिक्षणां अचूक जावपाक लागलीं तशी ही तफावत वाडत वचपाक लागली. सूर्य केन्द्र स्थान घेतल्यार लागीं लागीं जमून येतालें, पूण धर्माच्या कर्मठपणा मुखार त्या तेंपा वयले विद्वान बदल करपाक फुडें येवपाचें धाडस करिनाशिल्ले, दुसरी गजाल आपलो मुद्दो सिध्द करपाक त्या तेंपार यंत्र-साधना नाशिल्ली

तरी 24 मे 1543 त निकोलास कॉपर्निकसान 'अंतरीक्षांतल्या गिऱ्यांच्यो कक्षा' हें क्रांतीकारी पुस्तक उजवाडाक हाडलें. तो एक पाद्री आशिल्लो पुस्तका खातीर धर्माचो राग सोंसचो पडटलो हाजी जाणविकाय ताका आशिल्ली. म्हणूनच तो मरणा दारार आसतना हें पुस्तक प्रसिध्द केलें.

टायको ब्राहे, ते तेंपार एक व्हड खगोलशास्त्रज्ञ, धर्माचो कट्टर समर्थक आशिल्लो. कॉपर्निकसाचो नवो सूर्य-मंडळ सिध्दांत खोडून काडपाचें ताणें थारायलें. एक स्वतंत्र वेधशाळा बांदून आनी साधनांत बऱ्योच सुदारणा करून ताणें अचूक निरीक्षणांचेर भर दिलो. खगोलशास्त्राच्या इतिहासांत ताजें बरेंच योगदान आसा. आपल्या आदाराक ताणें जोहानीस केप्लर हाजी नेमणूक केली. टायकोच्या मरणां उपरांत वेधशाळेचीं सुत्रां केप्लरा कडेन आयलीं. केप्लरान अचूक निरिक्षणां करून कॉपर्निकसाच्या सूर्य-मंडळ सिध्दांतांत क्रांतीकारी सुदारणा केल्यो. ताणें गिऱ्याच्यो कक्षा लंब-वर्तुळाकार धरल्यो.

कॉपर्निकसान सूर्य केन्द्रस्थानार धरलो तरी कक्षा

पूर्ण वर्तुळाकार मानल्यो. म्हणून निरिक्षणांतली तफावत आनी कॉपर्निकसाचीं सुत्रां हांचे मदीं व्हड बदल जाले नात. म्हणून कॉपर्निकसाच्या सिध्दांताचेर त्या वेळार व्हड बोवाळ जावपाक पावलो ना. पूण केप्लराच्या लंब–वर्तुळाकार कक्षां खातीर कॉपर्निकसालो सूर्य–मंडळ सिध्दांत खऱ्या अर्थान पुराय जालो. त्या खातीर सूर्य–मंडळ सिध्दांताचें श्रेय कॉपर्निकसा परस केप्लराक चड फावो जाता.

गॅलिलीओन 1609 वर्सा दुर्बिणींतल्यान मळबांत नदर मारली. गॅलिलीओ आनी केप्लर हे दोगय लागीं लागीं एकाच तेंपा वयले. गॅलिलिओक मळबांतलीं निरिक्षणां करपाक दुर्बिण मेळ्ळी. कॉपर्निकसाचे सूर्य–मंडळ आनी केप्लराच्यो लंब–वर्तुळाकार कक्षा आदाराक मेळल्यो. ताणें सूर्य मंडळा विशीं जाहीर प्रचार करपाक सुरूवात केली. ते धर्माच्या सिध्दांताच्या आड वचपाक लागले. गॅलिलिओक कशे त्रास सोंसचे पडले ह्या विशीं वेगळी काणी जातली. तो वाटो हांगा नाका. पूण गॅलिलिओ खातीर खगोलशास्त्रांत खरी क्रांती घडून आयली. इतलेंच न्हय तर ताजे खातीर विज्ञानीक विचारसरणीचो उगम जालो.

## विश्वाची उत्पत्ती कशी जाली?

उगड्या दोळ्यांनी रातच्या मळबांत 2 ते 3 हजार तारे दिसतात आनी मदीं सगली रिकामी अशी अफाट पोकळी दिसता. पूण दुर्बिणींतल्यान पयस नदर मारल्यार ह्या विश्वांत खूब खूब कितें भरलां आनी एका फाटोफाट एक अश्यो घडणुको घडत आसतात. मळबांत म्हाकाय कुपां दिसतात, चड करून तीं धुळीच्या आनी वायुच्या कणांनी भरिल्लीं आसतात, तांचो आवाट संबंद सूर्य–मंडळा येदो आसूं येता. तांका 'नेबुला' म्हणटात. ते भायर ताऱ्यांचे अनेक प्रकार आसतात. देखीक; लाल दानव, धवल बटू, पल्सार, ब्लॅक होल अशे, तशेंच जोड तारे, असंख्य ताऱ्यांचे चोंबे, गॅलक्सी. आमचें सूर्य–मंडळ अश्याच एका गॅलक्सीचो वांटो आसा. तिका 'दूदगंगा' म्हणटात. अश्या ह्या विश्वाची उत्पत्ती कशी जाली जावये? हो प्रस्न आतांचो न्हय. मनीस संस्कृतायेच्या उगमा सावन उत्पन्न जाल्लो आसा.

## विश्वाची उत्पत्ती

सुरुवात एका प्रसंगातल्यान करूंया:

म्हान शास्त्रज्ञ बर्ट्रांड रसेल एका व्याख्यानांत विश्व–उत्पत्ती विशीं सांगतालो, 'धर्तरेचो जल्म सूर्या सावन जालो. अंतराळांत धुळींचीं आनी वायूचीं म्हाकाय कुपां आसतात. तांकां नेबुला म्हणटात. तांचें आकुंचन जावन सूर्या सारके तारे जातात. अनेक तारे आनी नेबुला पासून गॅलक्सी जातात. गॅलक्सींची निर्मिती ..... रसेल सांगतालो. इतल्यांत आयकुप्यां मदली एक जाण्टी बायल उबी रावली आनी मोठ्या आवाजान म्हणपाक लागली,'मिस्टर रसेल, तुमी फट सांगतात.'

रसेलान अजाप जावन विचारलें, 'मागीर सत कितें?'

'धर्तरी एका म्हाकाय हतयाचेर बसल्या.' ती सांगपाक लागली, 'तो हत्ती अश्याच एका म्हाकाय कासवाचेर उबो आसा.'

रसेलान फुडें विचारलें, 'तो कासव?'


बायल व्हड विश्वासान सांगपाक लागली, 'अजाप कसलें? तो कासव दुसऱ्या कासवाचेर. तो तिसऱ्या कासवाचेर, तो चौथ्या ... अशें फुडें फुडें चालू उरता.'

ही प्राचीन तेंपा वयली विश्वाची रचना आशिल्ली. विज्ञानीक आदार नाशिल्ली एक कल्पना आशिल्ली. आधुनीक खगोलशास्त्राचे दोन मुखेल सिध्दांत आसात.

## विश्व स्थिरतेचे तत्व

18 शेंकड्याच्या पयलीं विश्व स्थीर आनी मर्यादीत आसा, अशी संकल्पना आशिल्ली.

1948 वर्सा हर्मन बॉन्डी, थॉमस गोल्ड आनी फ्रेड हॉयल्स हाणीं विश्व–स्थिरतेचे तत्व (Steady State Universe) मांडले. अंतराळांतले गिरे, तारे, गॅलक्सी तसेच नवे तारे जल्माक येतात. ताऱ्यांचो स्फोट जावन,



तारे मरतात, अशें हें विश विचल आसतना. विश्व स्थीर कशें? असो प्रस्न मुखार येता.

ते खातीर 'विश्व स्थिरताय' ह्या तत्वाचो सोपे पद्दतीन विचार करूया. समजा एक व्हडलें तळें आसा. ह्या तळ्यांतलें उदक भितरल्यान भायर वचना आनी भायलें भितर येना. आतां हातभर शेंकरो तळ्यांत भिरकावन मारलो. उदकांत जे जाग्यार फातर पडटात थंय वाटकुळीं ल्हारां तयार जातलीं आनी वाडत वतलीं. कल्पना करात हे चित्र कंप्युटर स्क्रिनाचेर सेवर म्हणून घातलें. तर एक सारकें तेंच चित्र दिसपाक लागतलें, त्या अर्थान स्थीर. चित्रा प्रमाणे विश्व स्थीर आसा. ताका अंत ना आनी उगमय ना.

(वाचप्यांक सोंपें करून सांगपाचो यत्न केला. प्रत्यक्षांत विज्ञानीक तत्वांत खूब तरेच्या सुत्रांचो उपेग केल्लो आसता.)

भारतीय खगोलशास्त्रज्ञ डॉ. जयंत नारळीकर हांणी हर्मन हार्डीच्या आदारान ह्या तत्वांत सुदारणा केल्यो. पूण विश्वांतल्यो घडणुको आनी निरिक्षणां स्थीर विश्व सिध्दांताच्या आड वचपाक लागलीं.

## बिग-बॅंग (Big-Bang)

एडवीन हबल ह्या म्हान शास्त्रज्ञान गॅलक्सीचे गतीं विशीं खोलायेन अभ्यास केलो आनी ताक [illegible] दिसून आयलें, [illegible] पयस वतात आनी एकमेकां सावन फांकारत [illegible] गॅलक्सी [illegible] सोदांतल्यान ताणें 'विश्व फांकरता' (Expa[illegible] Universe) असो सिध्दांत मांडलो

जर गॅलक्सी एकमेकां सावन पयस वतात तर [illegible] त्यो एकमेकांक लागीं आसपाक [illegible] ताज्या आदीं त्यो आनीक लागीं [illegible] विश्व उत्पत्तीचें चित्र रिवाइंड (Rewind) [illegible] फाटीं वचपाक लागलें तर विश्व लागीं लागीं ये[illegible] दिसतलें. विश्वांतल्या घडणुकां [illegible] लाखांनी-कोट्यानी वर्सांचो आस्ता हें [illegible]

निमणें विश्वांतलें सगळें द्रव्य आनी सगळी [illegible] एके ल्हानशे जागेंत बंद केल्ले वरी दिसतलें, [illegible] 'विश्व-अंडज' (Cosmic Egg) म्हणटात. [illegible] अंडजाचो स्फोट जावन विश्वाची उत्पत्ती जाल[illegible] स्फोटाक बिंग-बॅंग म्हणटात. शास्त्रीय सुत्र [illegible] हो स्फोट सादारण 1500-2000 कोटी वर्सां [illegible] जालो, अशें दिसून येता.

बिंग-बॅंग जालो हें कित्या वयल्यान? विज्ञान [illegible] पुरावो मागता. काळ केन्नाच फाटीं वचना आन[illegible] भूतकाळांत वचूंक शकनात. त्या खातीर आ[illegible] विचार करूया, बिंग-बॅंग स्फोट जालो तर त्या वे[illegible] कितें घडलें ताजे आतां विश्वांत कितें परिणाम [illegible] आशिल्ले, हाजो खोलायेन अभ्यास करून त्या [illegible] प्रयोग सुरू केले, ते विश्व-फांकारलां ह्या सिध्[illegible] वटेन वतात, त्या खातीर विश्व-स्थिरतेचें तत्व[illegible] पडलें.


विज्ञानांतलो खंयचोय सिध्दांत अंतीम सत न[illegible] वयल्यान तो फट म्हणून सिध्द करून दाखोवचें [illegible] शास्त्रज्ञा मुखार सदांच उबें आसता. पूण त्या [illegible] पुरावे दिवचे पडटात.

मेरशे- मो. 9096[illegible]

▶ कथा

# रस्ताद

कळंगुटे घरा वचपाक हांव म्हापश्यां बस स्टॅण्डार बशींत चडलों. देवा दयेन दनपारचो वेळ आसून लेगीत बसपाक सुवात मेळ्ळी. वळखीचो कोण दिसता काय म्हूण हांवें बशींत चोंय वशीं नदर भिरभिरायली. बशींत फॉरेनर आसले, मल्ल्याळी आसले, कर्नाटकी आसले, कश्मिरीय आसले, दिसलें जणूं हांव भारत दर्शनाक भायर सरलां. हाजेर कळस म्हटल्यार बशींत पंजाबी सॉंग चलतालें. बस स्टॅण्डार घोळपी चलयो पळोवन छत्तीस पावसाळे पळयल्ले म्हजे मतींत परत एकदां लग्नाचो विचार घोळपाक लागलो. पोटाक भूक लागतकच म्हज्या मनांत लग्नाचे विचार येतात. म्हजे आंगलटीक पळेल्यार दिसतालें




**समर्थ बोरकार**

*लेखकान आतां मेरेन 35 नाटकां बरयल्यांत आनी त्या नाटकांचे हजारांनी प्रयोग जाल्यात. कोंकणी साहित्य दालनांत तांणी विपूल दर्जेदार लिखाण केलां.*


जणू हांव इतिहास जमा जावपाचे वाटेर आसां. पो
भायर गेल्लें. केसांनी तर केन्नाच सांगात सोडिल्लो. अ
हाडांय कांयकूंय करतालीं.

ड्रायव्हर बशींत चडलो आनी तेणें स्पिकर बंद
ड्रायव्हर शिटा फाटल्या शिटार दोन चलयो बशिल्ल्यो
तांचे फाटल्यान हांव. फुडल्या शिटाच्या फाटल्या
तकली उडोवन हांव चोरयां तांच्यो गजाली आयकुपाक
कारण मुळांतच हांव रस्ताद!

– पळयलें मगो हेऽ तेका? पयलीं कशें सादें
आतां पळय कशें भोंवता; निब्बी जावन!

– बापायच्यो स्टायली मारता... त्या ड्रेसाची रे
पांच हजार आनी तें बॅग चार हजारांचें. कांता शॉपींत मे

– कांता शॉपी, कांता मिनीस्टरालें न्ही?

– होऽऽय. बीच सायड तेजें थ्री स्टार हॉटेलूय
हांवें मुलाखत दिल्ली. जावंक ना म्हाजें.

– तेजो चेडोच पळेता सगळें. क्रांतीसूर्या... तेकाच

मेळपाचें.

– हें खंय आसता काय कामाक?

– देवाक खबर! दोळ्यांक गॉगल चडयलां, खंय तरी जागरणाच्या कामाक आसतलें, नायट शिफ्टीनी!

आनी दोगांय खिदी खिदी करून तेत्तिशी दाखोवन हांसपाक लागलीं. पोटांत कावळ भुकेन मरपाक लागिल्ले. भूक लागतकच परत मनांत एक उच्च प्रतिचो लग्नाचो विचार जागो जालो. तकली वयर काडली आनी तै दिकेन पळयलें, ज्या जाग्यार तें ब्रॅण्डेड चली उबें आसलें. जंय तें चली उबें आसलें तेज्या फाटल्यान उशी रसाचो गाडो आसलो. थंय ती माक्नाक हुमकळटली घांट आनी दुसरे वटेन ते चलयेक पळोवन म्हज्याय काळजांतली घांट लागली खणखणपाक. आई शप्पत, एका पांयार त्या चेडवाकडें लग्न जावंक हांव तयार आसलों. तेज्या भुतकाळाची म्हाका पर्वा नासली, कारण आमचो दोगांयचोय भविश्यकाळ म्हाका खुणयतालो. आयजवेर पंच्चावन चेडवांक उतर घातिल्लें, सगळ्यांनीच ना म्हणिल्लें. हेंय हय म्हणटलें अशांतली गजाल नासली... पूण मागीर याद जाली, क्रिश्णान सांगलां कर्म कर, फळाची आशा बाळगू नाका. कर्म सोडात, हे चलये पासत हांव कसलेंय कांड करपाक तयार आसलों. दिसलें, आमकां दोगांकूय कोणेंय एके कुडींत बंद करून घालचीं. हम तुम एक कमरे में बंद हो...

त्या उशी गाड्यार काम करपी म्हाका पळेत आसलो. थंय सरल्यानच म्हाका विचारपाक लागलो, 'जाय रे?' ते चलये फाटल्यान आशिल्ल्या उशी कांड्या भितर म्हाका हांवच दिसपाक लागलों. माक्न तेंका पिळून काडपाचे तयारेंत आसलें. म्हजे खातीर सद्याक हांव उशी कांडो आनी तें चली माक्न आसलें. ड्रायव्हरान गाडी गियरांत घाली. बस ते गर्देत आपली वाट काडपाक लागली आनी जितली मेरेन मान बावगता तो मेरेन हांव ते चलयेचें दर्शन घेयत रावलों.

000

रात भर न्हिद पडली ना. लग्नाक खर्च कितलो येतलो, रीण खंयच्यान काडटलों...सगळें थारायिल्लें. फक्त लग्नाक एक व्हंकल तितली जाय आसली. पूण आयज होय विशय निकालाक लागिल्लो. अब तक शप्पन, देवा तूंच पाव...

000

दुसरे दिसा, त्याच वेळार म्हापश्यां बस स्टॅण्डार गेलों. तडक वचून उशी गाड्याक प्रदक्षिणा घालपाक लागलों. उशिवालो म्हाजो अदमास घेयत आसलो. पंदरां मिण्टां जालीं, अर्द वर जालें, कालची ती बसूय आपल्या मार्गाक लागली. आयज तीं दोगांय त्याच शिटार बसोन तेत्तिसी दाखोवन म्हाका हांसतालीं.

''जाय रे?'' – उशिवाल्यान परत विचारलें.

''डायबिटीस आसा..'' हांव उत्तरलों. तशी हांव किंवा गोंयकारांक सहजासहजी गिरायक थारलिना. तो हांसलो.

''उशी रस न्हय, ते कालचे चलयेचो नंबर जाय रे ...काय म्हूण हांव विचारतालों.''

नंबर [illegible] म्हूण [illegible] रुपयाक [illegible] डिपी आसलो, [illegible] कगलीच पाआणी [illegible] गाथीच्या काळ्या [illegible]

पणजे मोबायलाच्या दुकानार [illegible] तो नंबर दिलो आनी ते [illegible] म्हूण तेका पन्नास [illegible] निवडणूक आयोगाचे [illegible] घरचीं सोदून काडलीं. [illegible] जाणां सापडली. वॉटसअॅप डिपीच्या आधारान तेजो प्रोफायल सोदून काडलो. कामार [illegible] चार दीस पावंचो ना. फेसबुका वेल्यान तेजे आतां मेरेनच अपलोड केल्ले सगळ [illegible] सुमार फोटू. चली मॉडर्न [illegible] पूण शिक्षणाकडे मेळ जुळनासलो [illegible] स्टार हॉटेलांत तें कामाक आसलें.

000

दुसरे दिसा तेजें घर सोदून काडलें. [illegible] अर्थात बेकार. हांगा थंय हेडपी, लोकांक [illegible] फाटल्यान आनीक तिगी चलयो आयकून [illegible] कारण मावाक पळेल्यार तो केन्नाय वयर वचपाची तिकेट काडपाक लायनींत उबो सो जाणवतालो... तिगांयचें कन्यादान घडये म्हाज्याच हड्ड्यार! घडये हांव त्या घरा मुखार चड वेळ रावलों, घरांतल्यान तेजो प.पू. बापूय म्हजे सरीं [illegible] विचारपाक लागलो, ''कोणाक रश्मीक सोदता?''

हांवें विचारलें, ''तुमकां कशें कळ्ळें?''

म्हणपाक लागलो,'' बाकिच्या तिगांयनी न्हवरे केल्यात.'' टिपीकल मिडल क्लास बापूय मुखार सांगपाक लागलो . ''रश्मी म्हाजें बरें, अध्यांत ना मध्यांत.'' हांव मुरगट्टां तें पळोवन तो म्हणपाक लागलो, ''हांव तेका इतले बेगीन उजोळपाचों ना... ह्या वर्सा चवथीक यो. पांच दीस.''

ह्या बेबदडीचें हांवें चड मनार घेवंक ना. घराचें कंस्ट्रक्शन नवें दिसतालें. पोरण्या घराच्यो खुणो आजून अस्तित्वांत आसल्यो पूण येणावळीचो ताळमेळ जुळनासलो.

सांजेर घरा परतलों. इलेक्शन लागीं पाविल्लें. आम



च्या वाड्यार कॉर्नर सभेचें आयोजन केल्लें. खुर्च्यो, मेज, जेवण सगळें आसलें. लग्नाचो मनांत खर विचार येवचे पयलीं हांव जेवन मेकळो जालों. थंयच्यान कूस मारपाक एका कार्यकर्त्यान दिस्त रंगे हात धरलो. व्हरोन पर्तून खुर्चेर बसयलो. कांय खिणांनी एक व्हडली धवीच गाडी थंय आयली आनी गाडयेंतल्यान एक तरणाटो देंवलो. हो खंय मिनिश्टर कांतालो पूत, क्रांतीसूर्या! कांता आतां जाण्टो जाल्ल्यान सगळें आनी सगळ्यांचें खंय आतां होच पळयता. क्रांतीसूर्यान व्हडलें भाशण दिलें. आमचो गाव स्मार्ट सिटी करपाचें ताणें उतर दिलें. महिलांचें सबलीकरण, महिलांची उन्नाती, महिलांची प्रगती, महिला मेळावे, महिला महोत्सव पुराय सभा तेणें महिलामय करून सोडली. क्रांतीसूर्या विशीं म्हजो आदर वाडलो.

हांव न चुकतां शेनवारा मारुतीच्या देवळांत वचपी. पूण आतां तो प्रसन्न जांवचो न्हय म्हुण ह्या दिसांनी वचूंक ना. आनीक आनी ब्रह्मचारी रावपाचो म्हाजो विचार नासलो. देवळा कडल्यान चलत बस स्टॅण्डार आयलों. आयज गांधीजीचो पुतळो म्हाका मुर्मुख्यांनी हांसता सो दिसलो. मातशें लग्नाचें जांवदी, पत्रिकेचेर घालपी, 'शांति का कोई रास्ता नहीं है, केवल शांति है ।'

रश्मीचो वॉट्सअॅप ओपन केलो. 'हाय' टायप केलें. परत डिलीट केलें. पंदरा खेप हें चल्लें आनी मॅसेज एकदाची धाडली. इतल्यांत नोटिफीकेशन आयलें. हात लागलो कडकडपाक. इतले फास्ट रिप्लाय... ना... लोनाची मॅसेज... इयमआय भरूंक ना!

हांवें धाडिल्ली वॉट्सअॅप मॅसेज रश्मीन वाचली. पूण रिप्लाय दिवंक ना. आनीक उमेद आयली. दिसपटी ताका गुड मॉर्निंग, गुड आफ्टरनून, देवाच्यो मॅसेजी सोडपाक लागलों. पयलीं भिरांत दिसताली पुलिसेंत बी कागाळ करीत म्हुण. मागीर वरा–वरान तेका मॅसेज धाडपाक लागलों. फेसबुकार तेजे सगळे पोस्ट लायक आनी कॉमेंट करतालों. एक दिसा तेजो बर्थडे म्हुण फेसबुका वेल्यान समजलें. केक आनी तुरो घेवन तडक तेज्या घरा गेलों. घरांत आनीक खर्च केल्ल्याचें जाणवतालें. पूण खर्चाचो मेळ जुळनासलो. तेज्या बापायन म्हाका भितर व्हेलो, रश्मीक भायर आपयलें. रश्मी जणूं म्हाका बालवाडींतल्यान वळखता, इतली आपुलकी दाखयतालें. हांवें दिवच्या पयलीं तेणें हातांतल्यान तुरो घेतलो. केकाचें बॉक्स माकडान ओडलें आनी म्हटलें, ''ह्या वर्सा चवथीक यो. पांच दीस गणपती.'' हांवेंय म्हटलें, हांव सात दीस दवरतां. रश्मी खूक करून हांसलें. तेजो फोन वाजलो. मुरगटत तें भितर गेलें. हांवूय भायर सरलों. कित्याक भायर सरलों तेंच समजलें ना. केकाचे चारशीं आनी तुरो

तिनश्यांक पडिल्लो. भायर सरच्या पयलीं तेज्या बापायन म्हाजेकडे दोन पन्नास मागले. हांवें काडून दिले. मागीर समाजसेवक म्हणपाक लागलो, 'शंभर फाल्यां दितां.'

ह्या दिसाच्यान मागीर हांव तेका ल्हव ल्हव लवाच्यो मॅसेजी धाडपाक लागलों. कामाक चुडटी लायिल्ली. आनी एक दीस तेजी मॅसेज आयली, 'स्विट ड्रिम्स'. प्रामाणिकपणान सांगतां, रातभर न्हिदच पडली ना.

फुडें तीन म्हयने एकाएकी तेज्यो मॅसेजी बंद जाल्यो. हांव धाडीत आसलों. वाटेर केन्नांय बापूय मेळल्यार चवथीची आमंत्रणां सोडीत आसलो. मेळिल्ले फावट न चुकतां मात 'फाल्या शंबर दितां' सांगून दोन पन्नास व्हरतालो. ह्या संवसारांत फकत बेबदोच सत्य उलयता. आनी एक दीस तरी हो सत्यनाशी बापूय सत्य उलयतलो हे आशेन दर सांजेर हांव तेका घेवन बसपाक लागलों. पयले पंदरा दीस फकत मेल्ले घरकान्नीच्यो यादी काडून रडटालो. हें दुख्ख विसरपाक म्हाजे कडल्यान एक बाटली घेवन घरा वयतालो. एक एकदा इतलो जाम जातालो कि हांव तेका फाटीर मारुन घरा पावयतालों. वाड्या वयले आमकां 'विक्रम बेताळ येता रे' म्हणटाले. केन्ना केन्ना तेंगेरूच न्हिदतालों. घर जांवय जाल्ल्याची फिलींग्स येताली. रश्मी मात केन्नाच सांजेर दिसलें ना. बाकीच्यो भयणी फोनार आसताल्यो. तेंका फोनार फोन. दर एकल्याकडे दोन फोन. एक फोन कानार आनी दुसरो मॅसेजी धाडपाक. हेंका आयफोन कसो परवडटा ह्या गणिताचो मेळ जुळनासलो

000

एक दीस हांव म्हापश्यां एटीयमांत पयशें नात म्हुण पर्रा एटीयमांत गेलों. भायर सर जाल्यार चार जाणांनी म्हाका मारुती व्हॅनींत धुकल्लो. दोळ्यांक म्हाज्या पट्टी बांदली आनी बोब मारची न्हय म्हुण तोंडार हात दवरलो. चार जाण आसले. खाडये. बुरशे कशे. म्हाका तेंच्यानी किडनॅप करपाची जाणीव तो मेरेन जाली. जणूं एका हिंदी फिल्मांतलें कथानक. देवाची कृपा. किडनॅप करपी सगळे कोंकणी उलयताले. अभिमान दिसलो आमचेय लोक ह्या धंद्यांत देवल्यात तें पळोवन.

गाडी रावली. म्हाका देंवयलो. एके बिल्डिगेंत म्हाका वयर व्हेलो आनी व्हरून एका फ्लॅटांत सोडलो. शेर्त हे किडनी चोर आसतले! कारण दोन किडनी सोडून म्हाजेकडे आनीक जगाक दिवपा सारकें कांयच नासलें. एकटो किडनॅपर सगळी म्हायती दुसऱ्या मनशाक फोनार पावयतालो. कांय खिणान ऑर्डरवालो तंदूर, बिर्याणी आनी बियर घेवन आयलो. हें सगळें वासान समजतालें कारण दोळ्यांचेर अजून पट्टी आसली. एकट्यान म्हाज्या दोळ्यांवेली पट्टी काडली आनी म्हणपाक लागलो, ''आरे खारे.'' बाकीचेय वांगडा झोडपाक बसले. कितें चल्लां तेंच [illegible] चोयवणी हांवें [illegible] [illegible] आयिल्लो [illegible]

तेवन [illegible] बंद [illegible] कुन्नु-मनाली [illegible] धुकयान म्हाका [illegible] दोन [illegible] अर्थात क्रांतीसूर्य आनी वांगडा रश्मी! रश्मी म्हाका [illegible] म्हयन्यानी [illegible] निर्जिव जाणवतालें.

''म्हाज्या बापायक वळखता? खबर आसा हांव कोणाल्लो?'' – क्रांतीसूर्य.

'' किल्याक, तुका खबर ना तुजो बापूय कोण ना?'' – हांवें मनांतल्या मनांत म्हटलें.

''हें आवडटा मरे तुका? [illegible] लग्न जा तेजे कडेन ... आरे हांव सांगतां.''

इतली हिंदी फिल्मां पळयल्लीं [illegible] अणभवूंक नासली. कितें चल्लां [illegible] तर फुगार जावन घुस्मट्टालें.

''आरे, तूं जायना जाल्यार दुसऱ्याक करतां उबी. हरशींय हेका हांवेंच उबें केला ना जाल्यार [illegible] वखदाच्यो काशी भरपाक आस्पाच [illegible] त्या पगाराची आयज तें सॅण्डलां घालता. हेज्या बापायक घर बांदून दिलां मरे हांवें. सगळ्या भयणींक [illegible] तर दिल्यात. इतलेंच न्हय ... फुडें हेज्या भयणींकूय लग्न [illegible] दिवपाचें हांव उतर दितां. जाय जाल्यार स्टॅम्प [illegible] दितां.''

''जें भुरगें म्हाज्या पोटांत वाडटा तेका तेजो हक्काचो बापूय जाय!''– रश्मी.

''आरे बापरे, न्हवरो मुस्गट्टा ...जाता कांय ना रे लग्न रस्तादा?'' रश्मीची नदर चुकोवन ताणें म्हाका आपल्या [illegible] दर्शन केलें. रस्ताद आयज खऱ्या अर्थान रस्ताद जाल्लो.

एसी रूमांत म्हाजो ताळो सुकलो. आंगटो दाखोवन हांवें थम्स अप केलें. कारण उतरां फुल्नाशिल्लीं.

'कोणायच्या गळ्यांत माळ घालपाक हांव रस्ताद पडूंक ना. तुवें म्हाका उतर दिल्लें. तुका उतराक जागचेंच पडटलें. हांव सगळ्या जगार आड्डून सांगपी ... म्हाजे गरिबेचो फायदो घेवं नाका.'' रश्मी हाता भायर वचपाक लागिल्लें. म्हाका आतां हांवूच रस्ताद दिसपाक लागिल्लों.

''आगो तुज्या जाग्यार आसलों जाल्यार हांवूय बेजारपाचों. पळय ... हेजे कडेन लग्न जा. हांव सदांच तुज्या वांगडा आस्तलो

जाय तेन्ना फोन मार. आयज म्हाजो बापूय मंत्री. फाल्यां म्हाका तिकेट मेळटली, हांव आमदार मंत्री जातलों. असल्यो भानगडी गळ्यांत घालून बसल्यार बाप्पाय ना आनी पुडवेंय ना. लग्नाचो सगळो खर्च हांव करतां. ना जाल्यार हातूंतल्या एका खाड्याक तयार करचो पडटलो. पूण हे खाड्ये हरामी... हो रस्ताद तुका सुखान दवरतलो.' म्हाज्या रस्तादपणाची क्रांतीसूर्य तोखणाय करतालो.

क्रांतीसूर्य मुखार आपल्या कार्यकर्त्यांक उद्देशून म्हणपाक लागलो, ''हेंका दोगांकूय ह्याच फ्लॅटान बंद करून घाल. वांगडा उरतलीं. बरें किते-वायट किते चर्चा करतलीं. दोगांय भितर वळख, माया, आपुलकी निर्माण जातली. वळखीचें रुपांतर मोगांत जातलें. फ्रिजान खावपाक आसा. दारां जनेलां बंद करात. दोगांयचे मोबयल काडून घेयात. ऑल दि बेस्ट...'' आनी आपल्या कार्यकर्त्यांक घेवन क्रांतीसूर्य गेलो.

हम तुम एक कमरे मे बंद हो और चाबी खो जाए, तकलेंत घोळपाक लागलें. पूण आयज पोटांतली भूक मेल्ली. अर्द एक वर जालें कोण कोणा कडेन उलयलीं ना. म्हाकाय उतर घालपाक भिरांत दिसताली कारण तें रागान खदखदतालें.

शांतता भंग करीत ताणें विचारलें, ''लग्न जातलो रे म्हाजे कडेन?''

हांव तेज्या मनाचो थाव सोदपाच्या यत्नाक लागलों. हांव वग्गी रावलों. परत तें गरोवपाक लागलें, ''जाता रे लग्न? आरे जा मरे... सगळें रेडिमेड मेळटा पळय. कांयच कास्तिक करपाची गरज ना.'' आनी तें पिश्यावरी लागलेंच हांसपाक. त्या तेज्या हासण्यान हांव गळितगात्र जालों.

''हांव तेका सोडचें ना. फाल्तू मनीस हो. बापायच्या खुस्तार उडटा. हेजी हांव दिस्त उडयतां. हेजें खंय खंय ड्रग्सार्चे नेटवर्क आसा तें हांव सोशल मिडीयेचेर घालतां. कोण हेका शामिल आसा तेंचें सगळ्यांचें भायर काडटां. धवे कपडे न्हेसून काळीं कर्तुबां करपी हो मनीस काबार जावपाक जाय. हेका हांव काबार करतलें.''

उलयतां उलयतां तें घुंवळ येवन पडलें. हांव तेका हात घालपाक वयर नदर गेली. सिसिटीव्ही कॅमेरा चालू आसलो आनी कडेक मायक्रोफोन सगळें उगड उगड आयकतालो.

फ्लॅटांत घड्याळ नासली. भायर उपाट काळोख जाणवतालो. जनेलां दारां धडोवन पळेलीं, कांयच उपेग जालो ना. म्हज्याय दोळ्यांचेर झापड येवपाक लागिल्ली. हांव सोफ्यारूच लवंडलों. कांय खिणान फ्लॅटाचें दार उगडलें. दोन खाड्ये येयले आनी रश्मीक तेच परिस्थितींत उबारून घेवन गेले.

हांव रस्ताद आशाळभूता वरी सिसिटीव्ही कॅमेराक पळेत उरलों. जणूं थंय त्या खिणाक बिग बॉस चलतालें.

000

दुसरे दिसाची फांतोड उजवाडली. व्हेंटीलेशनाच्या जनेलांतल्यान ते दिसाचो पेपर येयलो. कडेक तुवालो आसलो. न्हालों धुलों फ्रेश जालों. आंगावेले कपडे धुंवन फॅनाच्या वाऱ्याक सुकत घाले. फ्रिजांत खावड भरिल्ली. थोडें भोव खालें कारण पुरुमेंतूय तितलोच गरजेचो आसलो. केन्ना भायर पडटलों कांयच कल्पना नासली.

त्या दीस भर कोण आयलो ना. फ्लॅटांत आशिल्ले फाटल्या म्हयन्याभराचेय पेपर वाचून काडले. सांजेर बेठेंच दिसतालें, आयजूय तंदूर बिर्याणी बा खावपाक घालीत. परत रातचें फ्रिजांतलें इल्लें इल्लें खालें. हॉलांत सोफ्यारूच आड पडलों. न्हिद लागचे पयलीं सिसिटीव्ही कॅमेराक पळोवन साश्टांग नमस्कार घालो, पांया पडटां, एकदाचो म्हाका सोडात. जिवीतभर ब्रह्मचारीच रावतां.

000

फांतोडेर जाग आयली. कालचे उमळून घातिल्ले कपडे सुकिल्ले. परत न्हालों धुलों आनी कालचे कपडे चडोवन बसलों. भूक लागिल्ली. भितर फ्रिजा कडे गेलों, जिन्नस घेवन भायर हॉलांत येता म्हटल्यार पेपरवालो, फ्लॅटाच्या व्हेंटीलेशनाच्या जनेलांतल्यान त्या दिसाचो पेपर उडोवन गेल्लो. वांगडा एक चिटूय आसली, 'फाटल्या दोन म्हयन्याचें बील फारीक करुंक नाशिल्ल्यान फाल्याच्यान पेपर बंद.'

जय गणेशा! ... भायर सरपाक म्हज्या हातांत एकच पर्याय आसलो, तोय हांवें वगडायिल्लो. फकत पेपरवालोच म्हाका ह्या नरकांतल्यान भायर काडपाचो. दिसा उजवडी दोळ्यां मुखार काळोख दिसपाक लागलो. म्हाज्या लायफाचेंच हिंदी फिल्म जाल्लें.

पेपर उबारलो. सोफ्यार बसकण मारली आनी वाचपाक लागलों.

'म्हापशेच्यान बेपत्ता जाल्ले अठरा वर्सां पिरायेचे चलयेची कूड हरमल बीचाचेर अर्दनग्न अवस्थेंत मेळ्ळी. बुडपाक लागून चलयेक मरण आयिल्ल्याचें पोस्ट मॉर्टेम अहवालांतल्यान स्पश्ट जालां. फुडली चवकशी जाय मेरेन लैंगीक अत्याचाराची शक्यताय न्हयकारल्या.'

बातमींतलो फोटू रश्मीचोच आसलो.

(ही कथा पुराय काल्पनीक आसा. हे कथेचो रूपकार, ध्वनीमुद्रण आदी सगळे तरेचे हक्क लेखक सम्राट बोरकार हांचे कडेन आशिल्ल्यान त्या खातीर तांची लिखीत मान्यताय घेवप गरजेचें.)

फो.. *9923794127*

▶ कथिका

# ये इलु इलु क्या हैं?



हायर सेकंडरी स्कूलाचें शिकप सोंपलें आनी युनिफॉर्म बंधनांतल्यांन मुक्त जाल्ली आमची गँग कॉलेजींत पावली. फ्रेंड्सांची फाटाफूट जाली आनी पयलींची टोळी ल्हान जाली. तांतूंतच आपापले आवडी प्रमाण विंगड विंगड विशय घेतिल्ल्यान ल्हान टोळीय बी न्युक्लिअर जाली. फकत तिगांचीच उरली. गांवगिऱ्या वाठारांतल्या हायर सेकंडरींतल्यान एकदम शारांतले कॉलेजींत पावतगीर आमी तिगांय सांमकींच गडबडलीं. थंय चले–चलयो ग्रुप किंवा एक चलो एक चली अशीं भोंवपी भुरगीं पळयलीं आनी आमी गावगिऱ्यां वाठारांतलीं तिगांय एकदम अजापीतच जालीं. आमीच न्हय तर आमचे टोळयेंतल्या बाकीच्यांचीय हीच गत जाल्या हें घरा वतना बशींत कळ्ळें.

थोडे दिसांनी त्या वातावरणा कडेन जुळोवन घेतगीर म्हजी गत कानांत वारें भरिल्ल्या पाडका भशेन जाली. धोक्याच्या ओल्तार आशिल्लें वय, नवे नवे विचार करपी मन, दोळ्यां मुखावेल्यो आनी कानार पडपी नव्यो नव्यो घडणुको, विचारशक्ती वाडोवपाक लागल्यो. नव्या वातावरणांत फीलगुडय वाडलें. गांवचो आंगांत आशिल्लो गांवढळपणाय कमी जालो. थंयची चली–चले समानताय मनांत भरली. आनी आमचो तिगांचोच ग्रुप शारांतल्या भुरग्यां मदीं [illegible] कळ्ळेंच ना. ग्रुप व्हडलो जालो.. चले आनी चलयांचो [illegible] ग्रुप. समान विचारांचे आसुं किंवा विंगड, [illegible] असो फरक करी नासतना सगलीं एकठांय जालीं. विंगड सर्ती... विंगड कार्यावळी तरी एकठांय शिकप विंगड व्हळ तरी [illegible] वावरप अशे तरेन वेगळे दिसपी ग्रुप एकमेकां मदीं भरसल्ले.

नर–नारी कितलीय समानताय म्हणात..पूण सैम आपल्यो करामती चालूच दवरता. हेच सैमीक करामतीन ग्रुपांत [illegible] जोडयोय जमल्यो. ह्यो जोड्यो पळोवन म्हाकाय एक जोडीदार कोण तरी तो स्पेशल आसचो अशें दिसलें हें नवल न्हय. आमच्या ग्रुपांतले सगळे चले सगळ्या चलयां कडेन [illegible] वागताले आनी वागयतालेय. जस्ट फ्रेंड हे नदरेन पळयताले. पूण तो... हय तो एकटोच म्हजे बाबत हेरांचे नदरेंत जाणवपा सारखो कॅरींग वागतालो. ग्रुपांतले हेर चले म्हज [illegible] किंवा म्हाका मातशे तेकून रावत तर तो मर्दींच घुसून [illegible] हाडून तांका पयस दवरतालो. तो म्हजो राखणो जाता तरी म्हाका मुद्दाम जावन घश्टना...आंगार पडना हें मनाक भावतालें. खूब खूब बरें दिसतालें. केन्ना तो म्हज्या मनांत रुजलो तेंच कळ्ळें ना. कळत नकळत मन ताजे वटेन वढाय वढाय जावक लागलें. आग दोनों तरफसे...दोळे दोळ्यां कडेन उलयताले...मन मना कडेन लिंक जुळोवन आशिल्लें.पूण तोंडान एकामेका कडेन कायच



**आशा शानभाग**

*कथा आनी ललित साहित्यांत फिशाल. तांचो 'कोऽहंऽऽ' हो कथा संग्रह उजवाडाक आयला. कोंकणींतलें 'बोल्ड' बरोवपी म्हूण खाशेली वळख.*

उक्तायलें नाशिल्लें. मनां कळिल्लीं...मनां वेवस्थीत जुळील्लींय... दोळ्यांतल्या भावांनीच मनांतल्यो भावनाय कळिल्ल्यो.

पयलें वर्स सोंपलें. हांव सेकंड इयर तर तो पीजी. आतां गाठभेट ग्रुपांत जाय नाशिल्ली. तो केन्नाय स्पेशल मेळपाक येतालो. कॅन्टीनांत अर्दवर बसून खबरो मारून तो परतून वतालो.आनी तेन्ना आमचें गुपीत जाहीर जालें. आनी ग्रुपान चाळोवन खालें म्हाका आनी दोगांय कडच्यान कॅन्टीनांत पार्टी घेतली. तेन्ना मोबाईल फोन बी नाशिल्ले. सरकारी लँडलायन आशिल्ली फक्त...तिवूय सगळ्यांगेर न्हय. गांवांत दोग तीग जाणांगेरच. देखून आमच्या दोगांय मदीं तसो चड कॉन्टॅक्ट असो नाशिल्लोच. केन्नाय तो फ्री आसतना मेळपाक येतालो तितलोच. आतां आमचे मदीं आशिल्ल्या नात्याक नांव दिवपाचें थारायलें आमीं. दोगांयच्या घरा कडेन अनऑफिशियली हांचे तांचे कडच्यान पावोवपाची वेवस्था केल्ली आमी. तांचेच कडच्यान दोनूय घरांत विरोध ना, फकत ती सगळी आमचे कडच्यानच हें आयकवपाक उत्सुक आसात अशेंय कळिल्लें. आमी एकाच दिसाक...एकाच वेळार आपापल्या घरांत सांगपाचेंय थारायलें. आनी कर्मभोग... विचित्रच जालें. इतलें विचित्र की हांव पिशार पडनां जाल्यार पुरो जालें.

आमची दोगांयची जानपेहचान वाडटाली तेन्नच्यानच हांव पळयतालें की ताजे वांगडा ताजो एक जानी दोस्त आसता. म्हाका मेळपाक येता तेन्ना मात त्या दोस्ताक टाळूनच येतालो म्हणां हो. म्हाका बिलकूल आवडनाशिल्लो तो दोस्त ताजो. खाड मिशी इतली सुळसुळीत की येतात काय ना हो दुबाव. माथ्यार केसांचो घोटेर, चेऱ्याचेर कसल्यो कसल्यो क्रिमी चोपडावप.. भुंवयो कोरिल्यो. श्शी....! सारको तमाशांतलो नाच्या. म्हाका म्हजो तो आनी ह्या अर्धनारीनटेश्वराची आमिजाद बिलकूल पसंद नाशिल्ली. शरिरान दादलो पूण करतूब पुराय बायलेचे. बायल मनशां परस चडच बायलकुरो आशिल्लो तो! आमचेंच नातें विचित्र वळणार आशिल्ल्यान तांचे आमिजादी मदीं पडप योग्य काय अयोग्य तेंच कळनाशिल्लें.

हें अर्धनारी नटेश्वरी सँपल एक दीस हांव एकटेच लायब्ररीत वतालें तेन्ना अचकीत म्हजे सामकार आयलें.

'एऽऽऽ'

शी! आवाज आयकुंनच आंगार हजारभर गांयडोळ वळवळिल्ल्याचो भास जालो.

'' ए हांवें तुकाच उलो मारिल्लो डियर!''

हांवें फाटीफुडें पळयतगीर हो काय हें...उलयल्लो. ऑक्क ! डियर म्हणटा आनीक! रोखठोक वाटेक लावया म्हणून हांवें विचारलें, ''हां किदें? ए..तूं आनी तो...म्हजो आमीग हांतूं मदीं किदें नातें आसा?''

''शटअप एन्ड गेट लॉस्ट!''

''तुका सांगचेंच पडटलें.''

''तुका किद्याक? तूं कोण म्हाका विचारपी?''

''हांव कोण? म्हजें आनी ताजें नातें मागीर सांगतां तुका. पयलीं तूं सांग.''

तो नाकांतल्यान येवपी आवाज आनी ह्या दोन उतरां खातीर मिटर देड मिटर हालिल्ले ताजे हात आनी बोटां...मोडून पडटा काय दिसपी मान...श्शी...! ओकारे येता काय जातालें.

''ना सांगना...दाखयतां तुका!''

''किदें करतलो तूं? म्हज्या घरा कळयता? कळय चल. म्हाकाय बरें!''

''ए फोकणां करनाक म्हजे कडेन...हांव जीव दितलों हां हांगाच! तुजे सामकार तकली वण्टीर आपटून फोडून घेतलों.!''

''कर किदें करपाचें आसा तें!'' अशें म्हणत हांव परतून वचपाक गेलें. थाड थाड आवाज आयलो म्हणून फाटल्यान पळयल्यार हें अवचिन्न वण्टीर तकली आपटयता. ह्या त्रिशंकून अपलो खडडो फोडून बी घेतल्यार निमित्याक कारण हांव आनी जायत ह्या भंयान हांवें ताका फाटीं ओडलो. असल्या स्पेशल मनशाच्या हत्येच्या पातकाचें वजें आनी म्हज्या हड्ड्यार नाका म्हणून हांवेंच समजिकायेन माघार घेतली.

''ए बाबा, शांत जा मातसो. घे उदक पी.''

बाटली तोंडाक लावन गटगटीत उदक पिलो.

''एक सांग, हांव आनी तो हातूंत नातें आसा काय ना हाजी तुका इतली कित्याक उत्सुकता? तुवें जाप दिली की हांव सांगतां तुका सत्य गजाल. चल तूं सांग पयलीं.''

''ए तूं पयस वच ताजे-पसून!''



'' कित्याक रे बाबा ? तो वायट मनीस? काय वेसनी? बरो न्हय? किदें तो?''

'' पिशें गो तूं? काय बऱ्या भुरग्याक नाका त्यो उपमा दिता तें?''

''तो जर बरो भुरगो तर म्हाका ताजे पसून पयस कित्याक वच म्हणटा तूं ?''

''म्हजे खातीर सांगतां तुका हांव.. खरेंच पयस वच तूं ताजे पसून..!''

''व्हॉट???? तुजे खातीर? तुजो किदें संबंध हांगा? हांव आनी तो हातूं मदीं तुजो किदें संबंध?''

ह्या आवट्या अर्धनारीनटेश्वरा कडेन उलोवन हांव आवटें जायना जाल्यार पुरो देवा! पीन अडकल्लो रेकॉर्डी मशेन ट्यांव ट्यांव वाजयत आसा फकत.

'' ए,जाणां मुगो...म्हजो क्रश तो. म्हजो इलु इलु तो..!''

''ऑक्क.. आरे पूण ताका खबर आसा तुजी भावना? आनी मान्य आसा ताका ही रिलेशनशिप?''

'' तें म्हाका खबर नां. तूं ताजे सांगातांत येयत सांवन तो तुजेंच गायन करता. तो म्हजे पसून पयसावतलो ह्या भंयान हांव तुका रिक्वेस्ट करतां. तो म्हजो सोडून कोणाचोय जाल्लो सहन जावचे ना म्हाका! पांयां पडटां तुज्या, प्लीज पयस वच ताजे पसून.''

'' आरे पूण [illegible] आसा तुजो तो क्रश म्हणून?''

''ना गो तूं [illegible] विशींची भावना भायर सरली.''

पाड घाल पडून. हांमप काय रुप? ह्या अर्धनारी नटेश्वराक समजावप काय [illegible]? [illegible] जाले ह्या गायडोकान 'इलु इलु' [illegible] क्लासीक कसोबसो ताका [illegible] तेन्ना ह्या त्रिभंगाक [illegible] पाटापाण्याची [illegible] आयचे घटकेक [illegible] 'इलु इलु' हीं उतरां [illegible] लग्ना उपरांत ते हो वेळ [illegible] हांव गुणगुणटा, 'इलु इलु', आनी [illegible] खतखतीत गरम जाल्लो तो झेला परस थंड जाता.

[illegible] माद्दोळशें- काणकोण - गोंय.
फोन : 9404145337

# आयुश्य परतून एक फावट मेळिल्लें जाल्यार!

अपने ही बस में नहीं मैं
दिल है कहीं तो हूं कहीं मैं
डर है सफर में कहीं खो न जाऊं मैं,
रस्ता नया आ..हा हां,हां,हां
आज फिर जीने की तमन्ना है
आज फिर मरने का इरादा है ।



**अरूण काकोडकार**

*'मुठभर मळब' ह्या लेखसंग्रहांतल्यान कोंकणी वाचकां मदीं आपली सुवात निर्माण करपी लेखक कथा आनी ललित लेखनांत फिशाल.*

'गाईड ' सिनेमांतलें देव आनंद आनी वहिदा रेहमान हांचेर चित्रीत केल्लें हें पद पळोवपाक बरें दिसता आनी आयकुपाक तर एकदम गोड. खूब फावटीं पदाचो अर्थ सोदतना म्हाका प्रस्न पडटा, जगपाची इत्सा आसा आनी मरणय जायशें दिसता. अशें कशें? जियेवपाची उमेद आशिल्ल्याक मरणाचो भंय दिसता आनी मरपाची इत्सा आशिल्लो मनीस जगपाचो विचार मनांतल्यान साप्प काडून उडयता. शेक्सपियराक लेगीत एका वेळार प्रस्न पडिल्लो, 'टु बी ऑर नॉट टु बी!' हांगा तर सिनेमांतली नायिका म्हणटा, 'आयज म्हाका जगपाक जाय आनी आयज म्हाका मरपाकय जाय.'



जीण आनी मरण एकाच नाण्याच्यो दोन बाजू. क्रिकेटाच्या खेळाचे सुरवातेक कुरू बावलें एकेच वटेन पडटा. मागीर दोन वेगळ्यो गजाली एका बराबर कश्यो जावं येतात? घडये ह्या गिताच्या गितकाराक आनीक कितें तरी सांगपाचें आसा. कवीक द्रश्टो (visionary) म्हणटात. ताका दूरदृश्टी आसता. ताज्या मनांत कितें चलता, ताजे अणभव, भावना, संवेदना तो कवितेंतल्यान व्यक्त करता. आमी वाङमय वाचतात. साहित्यिकाचे जिणेंतल्यो खऱ्यो खुऱ्यो घटना, तांच्यो भावना, इत्सा, धडपड वाचतना एक वेगळोच अणभव आमकां मेळटा.

पुस्तकांतल्या वास्तवीक आनी काल्पनीक गजालींचो अविश्कार आमकां फावो जाता. तांतूंतल्यान कवी,लेखकाची खूबशी वळख जाता. आमी तांकां पळयल्ले नासतात तरी लेगीत तांची प्रतीमा आमच्या दोळ्यां मुखार उबी रावता.

मनीस जीण आनी मरण दोनूय गोश्टी एकाच वेळार मागता, ताजें कारण ताका जगपाची इत्सा आसता. मरचे पयलीं आपली एखादरी कलाकृती जावं कसलीय इत्सा साकार जाल्ली पळोवपाची ताजी वान्सा उरता.

पुणून तेच वेळार कसलेय पिडेन, व्याधीन तो जर्जर, दुर्बळ जाला तेन्ना ते पिडेंतल्यान बेगीन सुटका जावची अशें ताका दिसता देखून तो मरण मागता.

कवी शैलेंद्र ह्या मधुर गिताचो गीतकार. शंकर सिंह शैलेंद्र हें ताजें पुराय नांव. पंजाबांतल्या गांवगिऱ्या वाठारांतल्यान नोकरे खातीर मुंबय आयिल्लो. माटुंगा रेल्वे वर्कशॉपांत काम करतालो. कवितेर [illegible] छंद. कामगाराचे जिणेचीं सुख-दुख्खां वर्णन करपाच्यो ताज्यो कविता कामगारां मदीं लोकप्रिय जावंक लागल्यो. 1947 वर्सा भारताक स्वातंत्र्य मेळ्ळें. ब्रिटिशांचे गुलामगिरींतल्यान देश स्वतंत्र जालो पुणून ही जल्लोश निवळ नाशिल्लो. देशाचे फाळणीचें दुख्ख ह्या जल्लोशांत भरसल्लें. हजारांनी [illegible] लोक मरताले. पंजाब जळटालो. ह्या घडणुकांचो शैलेंद्राच्या मनाचेर खूब व्हडलो परिणाम जालो. ताज्या कवितेंतल्यान हे परिस्थितीचे पडसाद लोकां मेरेन पावपाक लागले.

जलता है, जलता है पंजाब हमारा प्यारा

जलता है, जलता है भगतसिंग की आँखों का तारा

हें ताजें गीत असंख्य लोकांच्या काळजांत वचून बसलें आनी म्हणटां म्हणटां शैलेंद्र लोककवी जालो. अशेच एके फावटीं एका कवी संमेलनांत राज कपूर वांगडा ताजी भेट जाली. राज कपूराक शैलेंद्राच्यो कविता आवडल्यो आनी ताणें ताका आपल्या सिनेमाचीं गितां बरोवपाची ऑफर दिली. शैलेंद्रान राज कपूराच्या 'बरसात' सिनेमा खातीर गितां रचलीं. 'बरसात' खूब गाजलो. तांतूंतलीं पदां खूब लोकप्रिय जालीं आनी शैलेंद्राक फुडें वचपाक स्वप्नाचो रस्तो सापडलो.

निकल पडे है खुली सडक पर अपना सीना तान .

हम सिंहासन पर जा बैठे जब जब करे इरादे ।

म्हणटां म्हणटां शैलेंद्र रसिकांच्या मनांच्या शिंवासनाचेर वचून बसलो. हिंदी सिनेसृश्टींत आघाडीचो कवी जालो. आवारा, श्री चार सौ बीस, सीमा, दो बिघा जमीन, जागते रहो, मधुमती, परख, अनाडी अश्या



दर्जेदार सिनेमा खातीर ताणें गितां बरयलीं आनी एक असामान्य कवी म्हणून नामना जोडली.

अशींच वर्सां गेलीं. बारा-तेरा वर्सां. शैलेंद्राच्या हातांत पयशे घोळपाक लागले आनी आपलो स्वताचो सिनेमा काडपाचे ताका वेध लागले. ताज्या इश्ट-सोयऱ्यांनी ताका फाटीं ओडपाचे यत्न केले. सिनेमा निर्माण करप हें कविता रचपा इतलें सोपें न्हंय! एकादरो फिशाल, सिनेमासृश्टींत मुरिल्लो निर्मातो लेगीत सिनेमाच्या धंद्यांत आपटी खाता. पुणून रोकडोच आनीक एक सिनेमा काडून लुकसाणी भरून काडटा.

शैलेंद्र हें सगळें आयकुपाचे मनस्थितींत नाशिल्लो. फणीश्वरनाथ रेणू ह्या ज्येश्ठ लेखकाच्या 'पांच लंबी कहानियाँ' कथा झेल्यांतली 'मारे गये गुलफाम' कथेचेर आदारीत 'तीसरी कसम' नांवाचो सिनेमा काडपाचो ताणें निर्णय घेतलो. मुखेल भुमिके खातीर राज कपूर आनी वहिदा रेहमान ह्या ज्येश्ठ कलाकारांक घेतलीं. 'मधुमती' सिनेमाचो दिग्दर्शक बासू भट्टाचार्याचेर दिग्दर्शनाची जबाबदारी सोंपयली.

राज कपूराचेपठडींतले संगीतकार शंकर जयकिशन हांकां आसपावन घेतले. सुरवातेक आपणें जमयिल्ल्या पयशां भितर ब्लॅक अँड व्हाईट सिनेमा काडपाचो ताजो बेत आशिल्लो. पुणून एक एक गजाल, ग्लॅमर वाडत गेलो. राज कपूर आनी वहिदा रेहमान हांच्या सिनेमांच्या व्यस्त शुटिंगाक लागून शैलेंद्राक शुटिंगा खातीर तारखो मेळना जाल्यो. दीस-म्हयने फुडें फुडें वचत रावले. आनी सिनेमा पांच-स वर्सां रखडलो.

शैलेंद्राची सगळी पुंजी सोंपत गेली. निमाणे ताका रिणां काडचीं पडलीं. रिणांचें व्याज वाडत गेलें. वसुली खातीर फायनान्सर ताजे फाटीक लागले. तांतूंतच ताका लिव्हराचें दुखणें जडलें. जितो आसतना तीसरी कसम रिलीज जाल्लो पळोवपाची शैलेंद्राची इत्सा सफळ जाली ना. राज कपूर ताका देवा समान. ताणेंच ताका वयर हाडलो. वर्स 1966 चवदा डिसेंबर, राज कपूराचो वाडदीस. हॉस्पिटलांत बाज़ेर वेदनांनी तळमळटना शैलेंद्रान फोनाचेर राज कपूराक वाडदिसाचीं परबीं दिलीं आनी तेच दिसा ताणें निमणो स्वास घेतलो.

शैलेंद्राच्या मरणा उपरांत चार म्हयन्यांनी तीसरी कसम मुंबयच्या अप्सरा थिएटरांत रिलीज जालो. प्रेक्षकांनी भरभरून प्रतिसाद दिलो. भारतांत हेर शारांनी सिनेमा प्रदर्शित जालो. राष्ट्रीय चित्रपट महोत्सवाक सर्वश्रेश्ठ सिनेमा म्हणून तीसरी कसम सिनेमाक ते वर्साचें राष्ट्रपती भांगरा पदक फावो जालें. पुणून हें सगळें पळोवपाक शैलेंद्र ह्या जगांत नाशिल्लो.

आयुश्याची परिपूर्ती जावपाक एक आयुश्य पावना अशें म्हणटात. आयुश्यांत आपल्याक जाय जाय तशें घडून येना. मनांत थारायल्लें आसता तें साध्य जायना.

परतून एक फावट जगपाची संद मेळ्ळी जाल्यार?

हाचे परस खूब बरें आयुश्य जगपाची उमेद बाळगुपी ह्या संवसारांत आसात.

आयुश्यांत सगळें साध्य जावनय बी मनशां धादोशी आसतात अशेंय न्हय. भारताची गानकोकिळा स्वरसम्राज्ञी लता मंगेशकराक मुलाखतकारान विचारलें,

' परतून जल्म मेळ्ळो जाल्यार तुमकां लता मंगेशकर जावपाक आवडटलें ? '

तेन्ना तिणें सांगलें, ' म्हजो पुनर्जल्माचेर विस्वास ना आनी पुनर्जल्म मेळ्ळो जाल्यार म्हाका लता मंगेशकर म्हणून जल्माक येवपाचें ना.'

मुलाखतकारान तिका 'अशें कित्याक?' म्हण विचारलें तेन्ना तिणें हांसत सांगलें, ' लता मंगेशकर जावन आसपाच्यो ज्यो अडचणी आसात त्यो म्हाकाच खबर आसात.'

लता मंगेशकरांच्या मंजूळ मधूर आवाजान संवसारांत तिका वेगळी वळख फावो जाली. तिज्या आवाजा मुखार दरेक गायक, दरेक रसीक नतमस्तक जालो.. लता मंगेशकर जावप सोंपें नासलें. खूब कठीण असो आयुश्याचो प्रवास. आयुश्याची सुरवात आनी अर्दें आयुश्य तिजें खूब कठीण गेलें. भांवडांक सांबाळटना खूब गजालींचो त्याग करचो पडलो. इतली प्रसिद्दी, इतलें वैभव, लोकां कडल्यान मेळिल्लो मोग लाभूनय परतून लता मंगेशकर जावपाक कित्याक नाका ? कांय गजाली अंतर्मनांत दवरच्यो पडटात, त्यो मेकळे मनान सांगपाक येनात. आयुश्यांत खूब कितें जोडलें,



फावो केलें. प्रसिद्धीची सगळ्यांत व्हडली उंचाय गांठली. साक्षात सरस्पतीच्या रुपान लता अवतरली तरीय संवसारीक अस्तुरेच्यो भावना खंय तरी अडून उरल्यो. संवसार मांडप, तांतूंत रमप, संवसारांत जाता ती ओडाताण, ते कश्ट जोडीदारा वांगडा शेअर करप. आपलीं भुरगीं, आपलो घरकार हांचे वांगडा केन्ना हांसप, मजा-मस्करी करप, केन्ना वाद-झगडीं करप, एकामेकांक समजावप, तांणी आपलीं दुकां पुसप अश्यो कांय गजाली संवसारांत घडटात, हातूंत धादोसकाय आसता.

लतादिदीन गायिल्लीं तब्बल पन्नास हजारां परस चड पदां कितलेशाच भाशांनी अज्रंवर जाल्यांत. दोना परस चड पिळग्यो तिजीं पदां आयकत व्हड जाल्यात. सर्ग सूख पांयां कडेन लोळटना लेगीत केन्नाय तरी सामान्य लोकांवरी आपलेंय जग आसचें ही उमेद बाळगप, हेंवूय तितलेंच अप्रूप !

दुसरो जल्म, पुनर्जल्म ह्यो सगळ्यो भन्नाट कल्पना. फुडल्या जल्माची वाट पळोवप कित्याक? मन आशावादी आसल्यार जाल्यार ह्याच जल्मांत नवे उमेदीन उबी रावप एक व्हडली सिद्धि ! सुधीर मोघे हांचें 'पुढचं पाऊल' सिनेमांतलें आशा भोसलेंच्या आवाजांतलें गीत खूब कितें सांगता

एकाच या जन्मीं जणू
फिरुनी नवी जन्मेन मी

जें घडून गेलां तांजी खंत करप ना. जें जें भूतकाळांत गडप जाल्यात तें केन्नाच सोडलें. आतां जें खीण जल्म घेतले तांकां हांसून येवकार दिवया

हरवून मी, हरपेन मी
तरी ही मला लाभेन मी

नायिकेक आपल्या आशावादी मनस्थितींत सगळें कितें शक्य दिसूंक लागता आनी ती सुखा सपनां रचता ती म्हणटा, हांव शेणटलीं, सांडटलीं तरीय त्या धुस्मट-मारांतल्यान परत एक फावट उबी रावन म्हजे म्हाकाच नव्या अवतारांत मेळयतलीं . हो तिजो आत्मविश्वास

लहरेन मी , बहरेन मी
शिशीरातूनी उगवेन मी..

नायिका जेन्ना आशेचो सूर लायता तन्ना गीतकार सगळ्या सैंम नेमाच्या पेल्यान वचून भाश्य करता. शिंयाळ्यांत झाडांक नवीं पानां फुटनात. नवी पालवी फुट्टा ती वसंत रुतूंत. तरी लेगीत मोघेची नायिका म्हणटा, शिशीर रुतूंतच नवी पालवी घेवन हांव उदतलीं, चंवरतलीं, फुलतलीं.

घर आनी नोकरी सांबाळून स्वताक सिध्द करतना अस्तुरेची खूब फावटीं दमछाक जाता. मानसीक आनी शरिरीक ताण तणावाक फुडो करपाची कसरत वेगळी.

तरीय नोकरेवेल्यान घरा येवन .हांसऱ्या मुखान घरांतलीं कामां तीच करता. भुरग्यांचो अभ्यास घेता घेतां घरांत रांदपाची, वाडपाची जबाबदारी ती घेता. हें सगळें ती करता कित्या खातीर? करिअर, अर्थीक थिरताय काय खोस-समाधान? तारे वयली कसरत करूनय आपल्याक आनी आपल्या घरच्यां खातीर सुखी संवसाराचें सपन साकार करपाचें ध्येय अस्तुरे लागीं आसता. हेंवूय तितलेंच खरें..

---

*कांजाळे, मो.: 9822588852*

▶ कथा

# चोरी कित्याक केली?

बाई वर्गांत भितर सरली ती एक बरी खबर घेवन! 'भुरग्यांनो! आमचे शाळेंत एक चित्रकला सर्त दवरल्या. सोमार मेरेन आपणें काडिल्लें चित्र सर्ती खातीर दिवपाचें. हे सर्तीत पयलो येवपी भुरग्याक एक हजार रुपयांचें पयलें इनाम दवरलां. त्या भायर ताका राष्ट्रिय चित्रकला सर्ती खातीर दिल्ली वचूंक मेळटलें.'

सगळीं भुरगीं बाईलें सांगणे मन लावन आयकतालीं. त्या भुरग्यां भितर राजूय आसलो. राजू एक बरो चित्रां काडपी म्हण शाळेंत फामाद आसलो. शाळेंतलीं चित्रकलेंतलीं पयलीं इनामां राजूकच




**सखाराम शेणवी बोरकार**

*काव्य, ललित, विनोदी साहित्य, अणकारांत योगदान. लोकवेदाचे खाशेले अभ्यासक...*


मेळटालीं. पूण राजूच्या बापायक मात ताजी चित्रकलेची आवड मानवनासली. केन्नाय राजू घरा कडेन चित्रां काडटा तें पळयल्यार ताका भिरभिरी मारताली. 'तूं शाळेंत वता तो शिकपाक काय ह्यो भिकारभासो करपाक?' अशें तो राजूक पळोवन आइडटालो. एक दीस तर ताणें राजू चित्रां काडटा तें पळोवन राजूलें चित्रकलेंचें सामानच भायर मारिल्लें.

शाळेंत वतात तें फकत शिकपाक अशें ताजें मत आसलें. पूण राजूली आवय मात ताजी तोखणाय करताली. लिपचोरयां केन्नाय चित्र काडल्यार राजू धांवत येवन आवयक दाखयतालो आनी आवय ताजी तोंड भरून तुस्त करताली.

हे सर्तीत ताका वांटो घेवपाक जाय आसलो. जर एक हजार रूपयांचें पयलें इनाम मेळल्यार ताका पेपर हाडपाक, रंग हाडपाक बापाय कडेन पयशे मागपाची गरज नासली.

ते रातीं ताका न्हिद पडली नां. फांतोडेर ताका न्हिद पडली आनी न्हिदेंत ताका एक सपनय पडलें. सर्तींत ताका पयलें इनाम मेळिल्लें. आवयरस्स! मुखेलमंत्र्यांच्या हातांतल्यान इनाम घेतना गोंयच्या सगळ्या वर्तमानपत्रांचेर ताजें नांव! शाळेंत तर फकत ताजेंच नांव गाजतालें. इतलो तेंप चित्रकलेचेर नाक मुड्डुपी ताजो बापूय आयज राजूची खूब तोखणाय करतालो. राजूल्या आवयच्या दोळ्यांत खोशयेचीं दुकां व्हांवतालीं.

''राजू उठ! कितलो वेळ न्हिदला? शाळेंत वचपाचें नां?'' आवयच्या आवाजान राजू जागो जालो.

''आई! फांतोडेवेळीं सपनां खरीं जातात गे?'' राजून आवयक विचारलें.

''अशें म्हणटात तर खरें' पूण तूं कित्याक विचारता?''आवयन विचारलें.

''ना बेठेंच!'' म्हणून राजू शाळेंत वचूंक भायर सरलो. त्या दिसा राजूलें, वर्गांत मातूय चित्त लागलें नां. आपूण सर्ती खातीर खंयचें चित्र काडटलों हाजोच तो विचार करतालो. केन्ना काय ताका शाळा सुटून घरा वतां आनी चित्र काडटां अशें जाल्लें.

राजू घरा आयलो. जेवन जातगीर तो चित्र काडपाक बसलो. सांजेचो बापूय घरा येवचे पयलीं ताका चित्र पुराय करपाक जाय आसलें. राजून आपलें चित्रकलेंचें सामान भायर काडलें. पळयल्यार कितें? तागेले रंगपेटयेंतले सगळे रंग सोंपिल्ले. आतां चित्राक रंग कसो दिवपाचो? बापायक तर सांगपाची माणसुकी नासली. राजू धांवत आवयसरीं गेलो.

''आई! म्हगेले रंगपेटयेंतले सगळे रंग सोंपल्यात. आतां हांव चित्र कशें रंगोवं?''

राजून दोळ्यांत दुकां हाडून आवयक म्हळें.

''कितले पडटात ताका?'' आवयन विचारलें.

''पन्नास रूपया!'' राजून म्हळें.

''पळयतां म्हजे कडेन आसल्यार!'' आवय डबे उस्तूंक लागली. पूण कितें! सगळेच धा रुपया लेगीत नासले.

''हांका सांगून पळयतां!'' आईन राजूक म्हळें.

बापूय रंगपेटी हाडपाक पयशे दितलो हाजी राजूक खात्री नासली. राजू बेगी-बेगीन तांच्या घरा लागसार आशिल्ल्या देवळांत गेलो. देवळांत नवरत्रां चलतालीं. देवतेक बरी सजयिल्ली. सांजे किर्तन जातगीर देवतेचें मकर आसलें. राजून देवतेक सांगणें केलें,' देवते! बापायक रंगपेटी हाडपाक पयशे दिवपाची बुद्ध दी!'

रातीच्या जेवणा वेळार आवयन राजूल्या बापाय कडेन रंगपेटी हाडपा खातीर पयशांचो प्रस्न काडलो. रंगपेटये खातीर पयशे म्हणटगीर राजूचो बापूय [illegible] उसळ्ळो

''हो विदयाटो शाळेंत वेता तो शिकपाक काय [illegible] ना!'' राजूचो बापूय तिडकलो.

[illegible] आनी [illegible] फाल्यां शनवार! [illegible] रंगपेटी कोण दितलो? हांव चित्र कशें [illegible]? राजू [illegible] पडलो.

दुसरे दिसा राजू शाळेंत [illegible] राजूल्या बाकार मनोज [illegible] मोटारीन तो शाळेंत येतालो. [illegible] रंगपेटी हाडिल्ली. पूण चित्र [illegible] नासलो. ताजे कडेन मागल्यार? [illegible] मनांत विचार [illegible] पूण मनोज सामको कुसडो. तो [illegible] नासली. हागेली रंगपेटी काडल्यार? [illegible] सोमारा दिसा आशिल्ली तशी रंगपेटी तागेल्या दप्तरांत दवरपाची. पूण चोरी करपाची? [illegible] सांगिल्लें, चोरी केन्नाच करची न्हय म्हण.

राजू येवजीत उरलो. पूण आनीक कांयच उपाय नासलो. मदले सुटयेच्या वेळार [illegible] मनोजाच्या दप्तरांतली रंगपटी काडून [illegible] मनोज मात्सो घाळ भुरगो! ताका [illegible] हाची मातूय सुलूस लागली ना.

राजू घरा आयलो आनी आयल्या-आयल्या चित्र काडूंक बसलो.

''रंगपेटी खंयची रे?'' आवयन राजूक विचारलें.

''इश्टान दिल्या.'' राजून वेळ मारून व्हेली. आवयकय तें खरें दिसलें.

सोमारा दीस राजू बेगीनच शाळेंत गेलो. राजूलें चित्र खऱ्यांनीच सुंदर जाल्लें. एका गरीब भुरग्याचें चित्र! [illegible] कपडे घाल्ले, दोळ्यांतल्यान दुकां गळपी. चित्र [illegible] कोणाच्याय दोळ्यांत दुकां येवंक फावो. राजून पयलीं [illegible] दाखयनासतना चित्र व्हरून बाई कडेन दिलें. मदले सुटये [illegible] रंगपेटी आशिल्ली तशी मनोजाले दप्तरांत दवरली.

दोन दिसांनी चित्रकला सर्तीचो निकाल जाहीर जालो. राजूक पयलें इनाम मेळिल्लें. वट्ट एक हजार रुपयांचें! त्या भायर दिल्लीक चित्रकला सर्तींत वांटो घेवपाची संद! राजू खोशयेन भरलो. पूण ताका एक खंत लागिल्ली. ताणें चोरी




केल्ली!

घरा येवन राजून आपल्याक पयलें इनाम मेळिल्ल्याची खबर आवयक सांगली. आवय खूब खोशी जाली. रातची राजूल्या बापायक तिणें ती खबर सांगली. राजूक एक हजार रुपयांचें बक्षीस मेळ्ळां म्हण ताकाय खोस जाली. पयलेच फ़ावट ताणें फाट थापटून राजूली तोखणाय केली.

त्या दिसा शाळेंत चित्रकला सर्तीचीं इनामा वांटपाची कार्यावळ दवरिल्ली. दबाज्याचे मुखेल सोयरे म्हण मुखेलमंत्र्यांक आपोवणें केल्लें. राजूल्या आवय– बापायकय खासा आपोवणें आसलें.

कार्यावळ सुरू जाली आनी बाईन सर्तीची थोड्या भितर म्हायती करून दिली. पयल्या इनामाचो मानेली म्हण राजूचें नांव घेत तिणें जाहीर केलें,'सर्तीचें पयलें इनामाचो मानेली जावन आसा णववेचो कुमार राजू मंगेश शिरोडकार.' त्या बराबर हॉलांत ताळयांचो कडकडाट जालो. ताळयांच्या कडकडाटांत राजू मुखेलमंत्र्यासरीं इनाम घेवपाक गेलो. मुखेलमंत्र्यान राजूची खूब तोखणाय केली.

''सर! म्हाका कितें सांगपाचें आसा.''

राजू प्रिंसिपलाच्या म्हऱ्यांत वचून म्हणूंक लागलो.

'हाका आनी कितें सांगपाचें आसा? घडये ताका सगळ्यांचे उपकार मानपाचे आसतले!' प्रिंसिपलान येवजिलें.

''उलय तूं!'' प्रिंसिपलान राजूक उलोवपाची परवानगी दिली.

राजू मायका कडेन वचून उबो रावलो.

''भौ. मुखेलमंत्री, प्रिंसिपल सायब, म्हजो शिक्षकवर्ग, म्हजी बाबा आनी आई आनी म्हगेल्या इश्टांनों! हांव तुमच्या मुखार उबो रावलां म्हज्या मनावेलें चेंपण पयसावपाक. म्हाका पयलें इनाम मेळ्ळां म्हण तुमी म्हजी खूब तोखणाय केल्या. पूण हें खरें न्हय. हे सर्तीचें खरें पयलें इनाम फावो जाता म्हजो वर्गमित्र मनोजाक! तागेले रंगपेटयेन हांवें हें चित्र रंगयलां. हय हांवें चोरी केली!. ताका खबर नासतना तागेली रंगपेटी व्हरुन हांवें हें चित्र रंगयलें. म्हजो बापूय गरीब! ताजे कडेन रंगपेटी विकती घेवन म्हाका दिवपाक पयशे नासले. त्या खातीर हांवें ही चोरी केली. हांव मनोजा कडेन मागतां की ताणें म्हाका माफ़ करचो आनी हें पयलें इनाम स्विकारचें.''


अशें म्हणून राजून प्रिंसिपलाचे पांय धरले.

आनी त्या वेळार मुखेलमंत्र्यां सयत जमिल्ल्या सगळ्यांच्या दोळ्यांतल्यान दुकां व्हांवतालीं.

---

मोबा. 9923306751.


# दयाळ मोचेकार



आमचे देशांत अशे कितलेशेच मनीस आसात जे कसलोच सुवार्थ बाळगी नासतना लोकांची सेवा करतात. उजव्या हातान दितात पूण दाव्या हाताक सुलूस लागूंक दिनात. दुसरे वटेन अशेय लोक आसात जे चिमटी भर दितले पूण गांवभर पेरगांव घालीत भोंवतले. जण एकल्याचो सभाव तो आनी सभावाक खंय वखद नासता अशे खूबशे लोक मानतात. कांय जाण देवाक मेळूंक तिर्थार वतात. काशी, पंढरपूर, शिर्डी वतात. देव तर सगळे कडेन आसा आनी तो आपले करणेंत दिसून येता अशेंय मानपी ह्या संवसारांत कमी नात. लियो टॉल्स्टॉय हांची एक कथा आसा, 'द कोब्लर'. हांव विद्यार्थी आसतना सावन ही कथा म्हाका खूब आवडटा. हांव ती इस्कोलांत भुरग्यांक शिकयतना लेगीत सांगतां. तांकांय बी ती आवडटा.

एका शारांत मार्टीन नांवाचो एक मोचेकार रावतालो. मार्गाचे देगेक ताजो मोचे शिवपाचो इल्लोसो मांड अशिल्लो. ताका थंय रावल्यार जायतीं वर्सां जाल्लीं कारणान गांवचे लोक ताजे वळखिचे आशिल्ले. तो बरो वागणुकेचो, मन उलोवपी, सरळ वेव्हार करपी मनीस आशिल्लो. उतराक जागो दिवपी असो. गिरायकाक सदांच सारकें उत्तर दिवपी. मोचे तयार करपाक बरे जातिचें चामडें तो वापरतालो. पयशें चड घेनाशिल्लो. वेळार मोचे तयार करुंक जायना जाल्यार तशें तो गिरायकांक खरें सांगूनच काम आंगार घेतालो. बरो कारागीर म्हूण ताणें नामना जोडिल्ली.

ताजीं पयलीं कांय भुरगीं मेल्लीं. निमणो तीन वर्सां पिरायेचो चलो-भुरगो फाटल्यान दवरुन ताजी बायल हो संवसार सोडून गेली तेन्ना ताणें आपलो पूत कापितोश्क हाका आपले भयणीगेर दवरपाचें येवजिल्लें! पूण ताका आपल्या सान भुरग्याचेर माया लागली आनी ताणें तो विचार सोडून दिलो. आपुणूच भुरग्याचें सगळें कितें करतलों अशें ताणें चिंतिल्लें. पूण भुरग्याचें सूख ताजे नशिबांत नाशिल्लें जावंक जाय. व्हडा कश्टान ताणें आपल्या पुताक ल्हानाचो व्हड केल्लो खरो पूण वीस वर्सां पिरायेचेर ताजो चलो भायर पडलो. त्या दुख्खान मार्टीन



**एच. मनोज**

*पेशान शिक्षक. आदर्श समाज निर्मणेचो वसो घेवन वृत्तपत्रीय लेखन करतात. तांचो काव्य संग्रह आनी दोन लेखसंग्रह उजवाडाक आयल्यात.*

सामको हाल्लो. ताजो देवा वयलो विस्वास उडलो. तो देवाक दुशण दिवंक लागलो. देव निर्दयी असो तो मानपाक लागिल्लो. म्हाका व्हरचो सोडून ताणें म्हज्या तरणाट्या पुताक व्हेलो अशें चिंतून ताणें इगर्जेंत प्रार्थनेक वचपाचेंय सोडून दिल्लें.

एक दीस मार्टिनाचो एक इश्ट ताका मेळपाक आयलो जो यात्रेक वचून आयिल्लो. ताका पळोवन मार्टिनाचे दोळे भरुन आयले. ताणें म्हणलें 'इश्टा पळय कितें जालें तें! म्हजें घट्टाण जालें. म्हजो धड धाकट पूत देवान व्हेलो. ही म्हजी जीण ती कसली आतां? हांव आतां एकूच मागणें मागतां म्हाका जाता तितले बेगीन ह्या संवसारांतलो व्हर मृत्युलोकांत, म्हाका आतां जियेपाचें मन ना, कोणाचे आशेन हांव आतां जीण सारूं?'

ताजीं निर्शणेचीं उतरां आयकून ताज्या इश्टान म्हणलें, 'असो निरास जावं नाका. देवाची इत्सा आमी नकळो. तो जें करता, सारकें करता. तुज्या पुताचें मरण आनी तुजें जिवीत उरप हें त्या परमेश्वराच्या हातांत आसा. आनीक कोणूच कांयच करपाक शकना.' ताणें मुखार सांगलें 'तुजे दुख्खाचें कारण म्हणल्यार तूं तुज्या सुखांत सूख मानता, दुसऱ्याच्या सुखांत तूं आपलें सूख मानी ना देखून तुजी जीण दुखी जाल्या निरास जाल्या.'

मार्टिनान प्रस्न केलो 'तर आता हांव कितें करुं ?'

इश्टा, 'मनांत कसलीच अपेक्षा दवरी नासतना देवाची सेवा कर. तुजं काळीज आनी मन निबर जातलें. कसलेंय काम देवाक ओपून करीत जाल्यार तुका खोशी मेळटली. तुजें मन शांत जातलें.'

. मार्टिनान म्हणलें 'चित्त थाऱ्यार दवरुंक कसलोय तरी उपाय सांगशीत ?'

'इश्टा पवित्र ग्रंथ वाच आनी हेर देवाचीं पुस्तकां वाच. देवाचें नांव घेत राव. असलीं पुस्तकां तुका धर्म, अर्थ, काम आनी मोक्ष हीं जिणेचीं फळां दिवंक पावतलीं. हे ग्रंथ वाचून मन शांत जातलें. एक बरो मार्ग तुका मेळटलो.'

इश्टाची सांगणी आयकून ताणे धार्मीक पुस्तकां वाचपाक सुरवात केली. थोड्याच दिसां भितर तो पुस्ताकांनी इतलो रमत गेलो, रातीचीं बारां वरां मेरेन तो हीं पुस्तकां वाचतालो आनी तांतूंत केल्ल्या उपदेशाचेर तो विचार करतालो. कांय दीस पयलीं मेरेन तो न्हिदचे वेळार आपल्या मेल्ल्या पुताक याद करुन रडटालो, आतां तो पुताचें दुख्ख विसरलो. देवाचें वाचन केल्ल्यान तो जिणेचें सूख भोगपाक लागलो. हांगा थंय बसून चकाटां मारुन वेळ वगडायतालो तें लेगीत बंद जाल्लें.

ताजो भावार्थ आनी वागणें पळोवन एके राती देव ताज्या सपनांत आयलो आनी म्हणपाक लागलो, 'हांव तुका फाल्यां मेळूंक येतलों, तुका दर्शन दितलों?'

तो उठलो. म्हऱ्यांत कोण नाशिल्लो. भायर येवन पळयलें जाल्यार थंय लेगीत कोणच नाशिल्लो. कोण काय? घडये सपन पडिल्लें दिसता! अशें चिंतून तो परत येवन न्हिदलो.

दुसरे दिसा सकाळी उठून, देवाची प्रार्थना करुन, जेवण रांदून, मांडार येवन काम करुंक बसलो. रातीं पडिल्लें सपन तो विसरुंक पावलो ना. राती बरोच बर्फ पडिल्ले कारणान थंडीय कडाक्याची पडिल्ली. मार्गार सगळ्याक बर्फच बर्फ जाल्लो. मार्टिन आपल्या कामांत गुल्ल जालो. इतल्यांत बर्फ कुशीक काडून मार्ग निवळ करपाक लालू थंय पावलो आनी शेवाळें घेवन बर्फ कुशीक सारुंक लागलो. मार्टिन समजलो, देव आयला दिसता! ताणें भायर पळयलें,पळय जाल्यार जाणटो लालू मार्ग निवळ करुंक आयिल्लो. ताका पळोवन मार्टिनान म्हणलें, 'आरे लालू तूं ?'

बाबडो लालू थंडेन कुडकुडटालो. आयज ताजे लागीं कांयच काम जालें ना. तो थपकल मारुन सकयल बसलो. मार्टिनान चिंतलें, हाका बाबड्याक थंडी लागता. ताका भितर आपोवन शेगडे देगेक धग घेवंक बसयल्यार बरो! अशें चिंतून ताणें ताका भितर घेतलो. तो बाबडो कुडकुडत भितर आयलो आनी धग घेवंक बसलो. मार्टिनान आपूण जावन मार्गा वयलो झेल कडेक काडून मार्ग नितळ केलो आनी पसऱ्या भितर येवन बसलो. लालून प्रस्न केलो 'तूं कोणाची वाट पळयता काय कितें?

तेन्ना मार्टिनान जाप दिली 'तुज्या पासून कितें लिपोवं ? राती हांवें सपन पळयलें, सपनांत देव सांगून गेला आयज तो म्हाका मेळूंक येवपाचो आसा! ताजीच वाट पळयतालों.हांवें धार्मीक पुस्तकांनी वाचलां ते प्रमाण देव कोणाकय मेळपाक शकता. म्हाकाय बी ! देखून सकाळच्यान तें सपनच दोळ्यां मुखार येत आसा. भायर पळयल्यार तूं.'

ते उतराक लालू म्हणपाक लागलो, 'तुका जेन्ना देवाचेर विस्वास आसा तेन्ना देव तुका मेळटलोच. म्हाका मातूय दुबाव ना. तुवें म्हाका भितर घेवन उज्याचो धग दिवंक नाशिल्लो जाल्यार हांव तर कडाक्याचे थंडेन कुडकुडून मरपाचोंच!'

''हो तुजोच पसरो असो समज. हांव तुका सदांच पावतलों.'' मार्टिनान जाप दिली.

लालू ताजें बरें मागून आपले वाटेन गेलो. ताजे फाटल्यान दोन शिपाय आनी एक शेतकामती येवन गेले. कांय वेळा उपरांत एक गरीब बायल थंय आयली. तिजे आंगावेले कपडे सामके पिंजिल्ले. हांडयेर धाकलो भुरगो आशिल्लो. आवय आनी पूत दोगांय थंडेन सामकीं कुडकुडटालीं. मार्टिन तांका हाताक धरून भितर घेवन गेलो.

'इतले थंडेन खंय वचूंक लागल्यां? येयात भितर?

शेगडेक तेंकून बस, ही घे खीर खा' म्हूण तिका आनी तिज्या भुरग्याक ताणें खीर खावयली. 'तूं कोण आनी खंय वता?' म्हूण विचारतकच तिणें जाप दिली, 'म्हजो घोव शिपाय, कामावेल्यान तांकां खंय तरी धाडून दिल्यात. ताजी कांयच खबर ना? हो भुरगो पोटांत आशिल्लो तेन्ना मेरेन हांव रांदपीण म्हूण वावर करतालीं. हो जल्माक आयलो तेन्ना दोगांयचें पोट भरपाक पडटलें म्हूण धनयान म्हाका कामा वयलें काडून वडयलें. फाटले तीन म्हयने सावन बेकार आसां. घरांत आशिल्लें नाशिल्लें विकून वडयलें. आतां सावकारणीगेर वतां आनी कितेंय काम मेळटा जाल्यार पळयतां!''

मार्टिनान विचारलें,'' तुजे कडेन गरम कपडे नात?''

तिणें 'ना' ही जाप दिली तेन्ना मार्टिनान तिका कांबळ दिली. तिणें 'देव बरें करुं' म्हणलें. ''ना जाल्यार म्हजो भुरगो थंडेन प्राण सोडटलो आशिल्लो!'' तेन्ना मार्टिनान म्हणलें, ''ही तर देवाची कृपा!'' आनी ताणें तिका राती पळयल्ल्या सपनाची गजाल सांगली. देव म्हाका मेळूंक येवपाचो आसा.'' तेन्ना ते बायलेन म्हणलें, ''हय, कितेंय शक्य आसा. सगळी देवाचीच माया!'' अशें म्हणून ती वचूंक भायर सरली.

तो परत एकदां आपले कामांत गुल्ल जालो. बऱ्या वेळान ताका भायल्यान कोणाचो तरी आवाज आयकूंक आयलो. भायर येवन पळयत तर एक फळां विकपी बायल आपलो पाटलो जमनीर दवरुन बसल्या मात, एक भुरगो तिज्या पांटल्यांतलें फळ चोरुन धांवंक लागलो. तसो तिणें ताका धरलो आनी ताजे केंसांक घट्ट धरुन ताका मारपाक लागली. भुरगो म्हणपाक लागलो, ''हांवें फळ चोरुंक ना.'' तरी पूण ती ताका मारपाक लागली. इतले म्हणसर मार्टीन तिज्या म्हऱ्यांत गेलो आनी चोराक सोडयलो. ताणें ते बायलेक म्हणलें, ''माफ कर ताका, भुरगो तो!''

त्या उतराक ती म्हणूंक लागली, ''भुरगो जाल्यार मस्तो तो, हांव ताका सोडचीं ना.'' मार्टिनान जाप दिली. ''हांव ताका सजमायतां. हाजे फुडें तो असो करचो ना. सोड ताका.'' तेन्ना तिजो राग न्हिवलो आनी तिणें भुरग्याक सोडलो. तो धावन वचपाचोच, मार्टिनान ताका आडायलो आनी ते बायलेची माफी मागूंक लायली. तिणें रागान विचारलें, ''तुवें फट कित्याक सांगलें? हांवें तुका फळ चोरतना पळयिल्लो?''

भुरग्याक आपली चूक होलमली. ताणें माफी मागली आनी हाजे फुडें केन्ना चोरी ना करपाचो सोपूत घेतलो. मार्टिनान ताका एक आपोल विकतो घेवन दिलो. तेन्ना मात ती बायल रागान म्हणपाक लागली, ''अशे तरेन तूं ताका पिड्डयार करतलो! ताका ख्यास्त दिवची सोडून तूं ताका फळ घेवन दिता हें समा न्हय?''

ते आयकून मार्टीन म्हणूक लागलो.'' [illegible] योग्नल्याक खूब दंड दिवप [illegible] पळयत जाल्यार [illegible] दिवपी गडली?'' [illegible] एक काणी सांगपाक सुरवात केली ती अशी, एक अधिकारी राजाक धा हजार रुपया [illegible] राजा म्हऱ्यान वचून आपलें [illegible], '[illegible] फारीक करुंक जायना [illegible]' म्हूण राजाचे पाय धरले. तेन्ना राजान [illegible] अधिकाऱ्याक लेगीत दोन [illegible] तांणी ताका समजावपाचो यत्न केलो [illegible] करुंक जायना म्हूण! पूण तो अधिकारी [illegible] निमर्णे ते कामगार [illegible] अधिकाऱ्याक ख्यास्त फर्मायली. आमी जर दुसऱ्याचेर दया करीनात जाल्यार देव आमचेर दया दाखयना.''

जाणटली म्हणूक लागली, ''तुमचें म्हणणें म्हाका कळटा, पूण भुरग्याक ख्यास्त दिली ना जाल्यार तो वायट जावन वतलो!''

ते उतराक मार्टीन म्हणपाक लागलो, ''काय बिगडना, तो सुदरतलो.'' जाणटेली पाटलो उखलूंक लागली तेन्ना तो भुरगो मुखार येवन म्हणपाक लागलो, ''हांव येता पाटलो माथ्यार आनी तुका घरा पावयतां.'' ताणें पाटलो माथ्यार घेतलो आनी दोगांय गजाली मारीत वाटेक लागलें. जाणटेलें आपोलाचे पयशे लेगीत घे नासतना गेली.

राती वेळार मार्टीन जेवन उठलो आनी पुस्तक वाचीत बसलो. ताका मात्सो दोळो लागिल्ल्या वरी दिसलें. कोण तरी ताका जापायतालो, 'मार्टीन ए मार्टीन.'

कोण काय म्हूण विचारना फुडें जाप आयली, 'हांव लालू' आनी हांसत नाच जालो. परत एकदां आवाज आयलो, सकाळची गरीब बायल भुरग्याक हांडेर घेवन म्हऱ्यांत आयली. हांसली आनी नाच जाली. हें कितें घडटा तें कळच्या आदींच जाणटी फळवाली बायल आनी तो भुरगो हांसत हांसत म्हऱ्यांतल्यान गेली. मार्टीन उठून बसलो. ताका समर्के होलमलें. हो परमेश्वरुच आसपाक जाय. कित्याक तर तो सगळ्या जिवांत आसा. ताणें म्हाका भेट दिली. हांवें पळयल्लें सपन खरें जालें. अडी अडचल्ल्याची मजत करपाक पयशेच जाय अशें नासता, फकत इत्साशक्त मनांत दवरीत जाल्यार लोकांची सेवा करूं येता!

---

*मुळ लेखक लियो तोल्सतोय*
*अणकार एच. मनोज*
*चिखले वास्को 9822441417*



डॉ. अय्यप्प
पणिक्कर
*केंद्रीय साहित्य अकादेमी पुरस्कारान सन्मानीत मल्याळम कवी.*
*अनुवाद : **दिलीप बोरकार***



## *पंचतंत्र परमतंत्र*

ह्या
तणा वयल्यान चलूं नाकात
हें फूल खुंटूं नाकात
ही बांसरी वाजोवं नाकात.

बल्कावांत थुंकू नाकात
कुडींत घुसूं नाकात
पुडवें वयर काडून चलूं नाकात.

चार लोकां सामकार
तोंड चलोवं नाकात
लज म्हळ्यार बरखो
तो काडूं नाकात.

शेंदरेर आड पडूं नाकात
वायट चिंतू नाकात
हरयाळी नाशिल्ल्या
तळयेंत न्हांव नाकात.

हातांनी घेवं नाकात
पांयानी चलूं नाकात
दोळ्यांनी पळोवं नाकात
काननी आयकूं नाकात.

काळ्या कुपांनो शिंवरूं नाकात
रान वणव्या पेटूं नाका
भांगर घालून मिरोवं नाका.

मान्यताये बगर प्रवेश करूं नाका
गरजे भायर माचये मजा इबाडूं नाक
केंस लांब वाडोवं नाका
मिश्यो ल्हान दवरूं नाका
तिठ्यार ताका पळोवन फुसफुसूं ना

आपले भितर चिंतून तकली दुखोवं नाकात
आवय–बापायक आल्लाय म्हणून न्हिदोवं नाकात.

जात विचारूं नाकात
जात सांगू नाकात
पूण जात विसरून
कांयच करूं नाकात.

फट उलोवं नाकात,जर धरले तर
स्मगलरा परस चड कांय करूं नाकात

बऱ्या घराब्यांत जल्म घेवन
चारचौगांत नांव कमय
कण्या बगर कितेंय विकतें घेयात
देशबांधवांचे हिरो जायात
पक्ष बदलून,जैत मेळोवन
विश्वास मोडून काश्टी बदलून
एम.एल.ए च्या पावलार पावल उडोवन
मागीर पदा वेल्यान देंवून माजी मंत्री जावन
शेंपडे सुवातेर वडा रूख लावन
पिके वारो सुट्टकीच
दाट सांवळेंत विसव घेतकच
पळय केन्नाय लजशी बी!
आनी उरता तें, तें सगळें धर्तर सोंसतली...

## *अहंगीत*

हांव म्हज्या घरांत ओग्गी बसलां
देखुनूच धर्तर आजुनूय घुंवता
हांव म्हज्या हातुणाचेर गोरेतां
देखुनूच सूर्यमंडळ परजळटा
हांव पान खावन पीक उडयतां
देखुनूच काळ चलता
म्हजे घरकान्नीक तेळीत हांव
सृश्ट,स्थिती,आनी लय धरता
'हांव' ना तर कांय क्रिया ना,फूल ना
म्होंव ना, पाखे नात
हे लोकांनो,
कितलेच मोर,कुपां,जार्दिनां
म्हजे दयेचेर चमकतात
म्हाका वंदन करात,म्हजी तुस्त गायात
म्हजे पांय धरात,नमस्कार करात
म्हजी किर्त गायतल्यां पासत
इफेर्न लेगीत सर्ग आसा.

## ► काव्यफुलोर

माधव बोरकार

### अर्थ

उदेल्लीं वाटांनी
पावलांचीं अक्षरां
पांगरून वारो
सप्नेल्लीं घरां

सप्नेल्ल्या झाडांक
वताची सासाय
घेतात म्हाका
वेंगेंत दिको धाय

बांदले दिठयेक
अद्रुस्टाचे झोपाळे
सांडले पाणयांत
मळबाचे अर्थ निळे
-2020

### एक सुकुमार चली

एक सुकुमार चली
वाजयता व्हियोल
थारता गज तार शइजार
यादींचें झाड तिच्या मनांतलें
तेन्ना येता चंवरून

वाट चुकिल्लो चंद्रिम
विडविडटा दोंगर गाळींनी
सुरांचे अनावर ओडीन
-14.11.22

*ताळगांव, मो. 9420222876*



आर.रामनाथ

### फकत तुजे खातीर

म्हाका म्हजें मळब
रितें करपाक जाय
म्हाका तुज्या दोळ्यांतल्यान
व्हांवपाक जाय
म्हाका ल्हव ल्हव
जावपाक जाय
उपरांत
म्हाका उबपाक जाय
वयर वयर
वचपाक जाय
म्हाका थंय मेरेन
पावपाक जाय
थंयच म्हाका म्हज्या दुकांची प्रतिश्ठापना
करपाक जाय
इतलें तरी म्हाका करपाकूच जाय
फकत तुजे खातीर....

*फोंडें, मो. 9850458763*

डॉ. नूतन देव

### पारजत


नवें कॅलेंडर चडटा वणटीर
पोरणें वता कोयरांत
आमी मात आमचेच तंद्रेंत
पन्नाशी साठी मनयत आसात

बंद मुठींतल्यान रेवेंचे कण जशे
सर सर करून निसरतात
निसटून वता आमचें जिणें तशें
एक एक खीण वचत रावता

बदलता जस जशें वय
बदलूंक जाय तशी संवय
भोंवतणच्या पसाऱ्यांक आतां
घालूंक जाय आमी वंय

आंगणांत उबो पारजत
शिंपडायलो ताणें सुंदर सडो
सांगून गेलो,तूंय भावा
जा आतां रितो,जा आतां रितो

*फोंडें, मो. 98501 33160*



चंद्रिका पाडगांवकार

## आतां तरी वयतना

आतां तरी वयतना दोळ्यांत दुकां हाडूं नाका
वोगीच फुगार जावन तूं कारणाविणें रडूं नाका।

वर्मा कर्मा वयर काडीत समाजान घेतला कांडून
संघर्शाचो दर्या हो,वोगीच गूण गाव नाका।

कितलेच फावट वळवळ्ळां,हांतुणाचेर तळमळ्ळां
थाऱ्याक मातसो पडला जीव,वोगीच बोवाळ करूं नाका

फुलां ओंपलीं कांटे सोंसले,जोगलांनी मन हांसलें
पात्रां सगळीं निभोवन जालीं,वोगीच काळीज दुखोवं नाका

रित्या हातान येवप जालें,रित्याच हातान परततां
जोडलें जितलें,मोडलें तितलेंय,वोगीच रिणांत दवरूं नाका

झिजून झुजून मेळ्ळ्या मुक्ती,कूड जाल्या मेकळी निकती
आनंदाच्या सुवाळ्याक आतां,अपशकून करूं नाका

---

*परवरी मो. 9823769115*

डॉ. उल्हास गो.प्रभू नास्नोळकार

## याद

हांव ह्या संवसारांत जल्माक आयलों
शिक्षण घेवन तरातरांचें,शिक्षीत जालों
रिती रिवाजां प्रमाण संवसार केलो
भुरगेबाळांचेर बरो संस्कार केलो
तांची तोखणाय आयकून खोशी जालों

हांव ह्या संवसारांत जल्माक आयलों
खूब शिकून वैजकी दोतोर जालों
म्हजे परीन बरी सेवा करतालों
आतां एक दीस हें जग सोडून वतलों
सेवेची याद मात हांगाच सोडून वतलों

हांव ह्या संवसारांत जल्माक आयलों
शिक्षण घेवन दोन उतरां बरोवंक शिकलों
भोंवतणी पळयतना कविताय रचूंक लागलों
ह्या संवसारांतल्यान एक दीस ना जातलों
लिखाण मात म्हजें हांव हांगाच दवरतलों

याद ही तशी खीणभरूच आसता
आपले पेले सगळेच विसरून वता
जो तो आपल्याच संवसारांत मग्न आसता
काळाचे व्हांवतेंत यादींचेर माती साचता
उरता म्हणटात तें एक दीस शून्य थारता

---

*करंजाळे, मो. 9823066540*



सोनिया (सुनिता) सुभाष शाह

## फुलांचें आयुश्य

सगळींच सपनां
वाऱ्यार सोडून
दिवपा सारकीं
नासतात न्हय?
कांय सपनां जल्मभर
काळजा कडेन घट्ट वेंगोवन
तांचे गोड यादीन
भिजतनाय
जिवाक खोस
भोगता न्हय ?
जेन्ना म्हजे दोळे
तुज्या बदामी दोळ्यांक बागयता
तेन्ना म्हाका दिसता
सरभोंवतणचीं दाट घरां
मनशांची कुजबूज
सवण्यांची चींव चींव
आमच्या मोगा आड येता
तुज्या सांगातान जियेतना
परमळीत फुलांचें आयुश्य जगतां
ताजी खोस
म्हज्या पोल्यार
उपाट भरून रकता...

मेरशे, मो. 94206 90052

प्रनब कुमार बर्मन

## फुडली पिळगी

हांव वळखतां
एका मंत्र्याचे धुवेक
जी रावता हॉस्टेलांत

ना थंय आक्या गार्ड
शुद्ध करूंक पिवपा उदक
ताजो बापूय ताका धाडटा कार्टन्स
ताजे पासत मिनेरल उदकाचे


हांव ताका जेन्ना निरखितां
तेन्ना तें प्रशिक्षण घेता अशें दिसता

आमचे फुडले पिळगेचें रगत
आनी जल्महक्क शोशण करपाचें.!

## रुखां

रुखां म्हजे पुर्वज
जीं म्हज्या आज्यान  रोयिल्लीं
खूब काळा आदीं
तो आतां रूख कसो चलता
तो रुखावरीं उलयता

तो रुखावरीं म्हजेर सावळी धरता
रुखां म्हजीं दिकादर्शक



## यादी

हांव खुशाल आसलों म्हज्या भुरगेपणार

म्हज्या घराचें पाखें
आसलें म्हजे पासत दोंगरमाथं

म्हज्या माथ्यावयलें मळब
आसलो एक वाडटो रुख

ल्हानशी तळी लागशिल्ली
म्हजे पासत आसलो दर्या

तरणेपणारय हांव आसलों खुशाल


म्हज्या पाखट्यांनी हांव पेवंक शकतालों
म्हजे सपनांतले न्हंयेंत

आनी सुर्यास्ती क्षितीज
हांव तेळूंक शकतालों
अजापभरीत खोशये नदरेन

म्हजी कूड पुराय वाडली जेन्ना
निनावी  घुसळण
दाग उडयत गेली म्हजे उर्बेचेर!

मूळ असामीःप्रनब कुमार बर्मन
इंग्लीश अणकारःडॉ.रंजना भट्टाचार्य
कोंकणी अणकारः दिलीप बोरकार

# पुण्यभूंय गोंय




भुरग्यांक रंगीत पुस्तकां वाचपाक आवडटात. म्हाकाय भुरगेपणांत रंगीत चित्रां आशिल्लीं पुस्तकां वाचपाक आवडटालीं. पूण आमची धांव चांदोबा आनी फुलबाग इतल्याच पुस्तकां मेरेन पावली. त्या मानान आतांचीं भुरगीं नशीबवान. सुंदर सुंदर रंगीत चित्रां आशिल्लीं, व्हडल्या अक्षरांनी बरयिल्लीं पुस्तकां भुरग्यांच्या हातांत पडटात. आनी आतां कोंकणींतूय भुरग्यां खातीर अशीं हीं सोळा पानांचीं रंगीत पुस्तकां प्रकाशीत जावपाक लागल्यांत ही खूब खोशयेची गजाल.

कोंकणी भाशा मंडळान भुरग्यां खातीर अशीं खूब पुस्तकां तयार केल्यांत. आनी आतां राजहंस प्रकाशनान ह्या कामाक माथें मारलां.

हालींच राजहंस प्रकाशनाचीं भुरग्यां खातीर रंगरंगयाळीं चित्रां आशिल्लीं पुस्तकां प्रकाशीत जालीं. म्हजेंय पुस्तक तातूंत आशिल्लें. ते खातीर हांवूय त्या सुंदरशा प्रकाशन सुवाळ्याचें भाग आशिल्लें.

भितर सरतनाच राजहंस प्रकाशनाचे धनी प्रभाकर भिडे आनी तांच्या घरच्यांनी घसघशीत येवकार दिलो.

च्या बी घेवन सुवाळ्याक सुरवात जाली. भिडेबाब उलयले. हो बालसाहित्याचो प्रकल्प सुरू करचे फाटलो हेतू तांणी सांगलो. तांणी एक प्रस्न केलो, 'तुमी लेखक कित्याक जालीं? भुरगेपणांतल्यान तुमी वाचन केलें, बरीं बरीं पुस्तकां वाचलीं म्हणूनूच न्ही? मुळावें शिक्षण

घेतनाच भुरग्यांच्या हातांत मांयभाशेंतलीं पुस्तकां येवपाक जाय.'

हय,सामकें खरें! हो एकूच हेतू मनांत दवरून तांणी हो बालसाहित्याचो प्रकल्प चालीक लायला. राजहंस प्रकाशन दर म्हयन्याक भुरग्यांच्या काणयांचीं पांच पांच पुस्तकां प्रकाशीत करतली. रंगरंगयाळीं आकर्शक चित्रां आशिल्लीं. केजी ते पांचवी यत्तेच्या पिरायेच्या भुरग्यां खातीर, ह्या पिरायेच्या भुरग्यांची मानसिकताय लक्षांत घेवन पांच गटांनी हीं पुस्तकां येतलीं..... आनी हीं शंबर पुस्तकां राजहंस प्रकाशन केजीच्या भुरग्यांक फुकट दितलें.

हय,फुकट! सारकें वाचलां तुमी! अंदू वर्सा गोंयभरच्या शाळांतल्यान तांणी हीं भुरगीं निवडल्यांत. तीं भुरगीं सातवी यत्तेक पावऽ म्हणसर तांका दर म्हयन्याक एक कोंकणी पुस्तक मेळटलें. म्हळ्यार दुसऱ्या वर्सा केजीच्या नव्या शंबर भुरग्यांक नवीं पुस्तकां पावतलीं. (गट1). ते भायर फाटल्या वर्साचीं शंबर भुरगीं जीं अंदू पयले यत्तेक पावल्यांत त्या शंबर






भुरग्यांक गट 2 विभागांतलीं पुस्तकां वतलीं म्हळ्यार दुसऱ्या वर्साक दोनशें भुरग्यांक, तिसऱ्या वर्सा तिनशें भुरग्यांक, चवथ्या वर्सा चारशें भुरग्यांक ....ह्या भुरग्यां मदलीं कांय भुरगीं वाचतां वाचतां बरोवपाकूय लागतलीं..आनी हें सपन न्हय.... अशें घडटलेंच!












आतां आमकां पुस्तकां पळोवपाची उमळशीक लागिल्ली. हॉलाच्या मदीं एक लांब मेज आशिल्लें. आनी ताजेर कपडो धांपिल्लो आशिल्लो. भितर कितें तरी आसा हें कळटालें. दोन दोन पोडियम...मदीं चौकोनी मेज आनी ताजेर विलोदी कपड्याच्यो साळकाच्यो पाकळ्यो कश्यो एकार एक धांपिल्ल्यो आशिल्ल्यो.

सुवाळो सुरू जालो. सुवाळ्या खातीर आपयल्ल्या मानेस्तांचीं आनी लेखकांचीं नांवां घेवन एक एकट्याक फूल दिवन मानान कदेलाचेर व्हरून बसयलें.

आनी आतां प्रकाशन सुवाळो. पुस्तकां पळोवपाची उत्सुकताय सगळ्यांच्या मुखामळार दिसताली. लेखकाचें आनी चित्रकाराचें नांव घेतलें. एक कमळाची पाखळी उखल्ली. भितर पुस्तक. लेखकान पुस्तक उखल्लें. चित्रकारान दुसरी पाकळी उखल्ली. भितर त्याच पुस्तकाची आनीक एक प्रत. दोगांयनीय पुस्तकां हातांत धरून सगळ्यांक दाखयलीं. वा! असोच एक एक लेखक, चित्रकार येतालो, आपापल्या पुस्तकाचें प्रकाशन करून वतालो. म्हजोय नंबर आयलो आं! पुस्तकाचें नांव ‘फुलां’...पुस्तक



हातांत मात घेतलां, आवयस्स! कितलें सुंदर पुस्तक! रंगरंगयाळीं चित्रां, गुळगुळीत कागद... चित्रकार न्हिया दुआर्त. पोरसांतलीं फुलां,रानफुलां,सड्या वयलीं फुलां, भांगराचीं फुलां, व्हंकलेचीं फुलां...फुलांच्या सोबीत चित्रांनी पुस्तक नटिल्लें. पंदरा पुस्तकांचें प्रकाशन जालें.

मागीर मदल्या मेजा वयलो कपडो काडलो. दोशीं वटेन पांच पांच अशीं पंदराय पुस्तकां ...पुस्तकां हातांत घेवन पळोवपाक...

पुस्तकां हातांत घेतना तर तान भूक न्हिवताली. हती, चानी, चांदीमामा, उडटी तबकडी, देवमासो, क्रिकेट, मुयांचो संवसार, जल्लो, पतंग, मेथी...अप्रतीम चित्रां आशिल्लीं अप्रतीम पुस्तकां...! पुस्तकां पळयतनाच हातांत घेन दिसतालीं... आमची ही गत जाल्यार भुरग्यांचें कितें? तीं पुस्तकां दिसल्यारूच उडयो घालतलीं!

मागीर दर एका लेखकान आपलें मनोगत उक्तायलें. सुटसुटीत आनी वेवस्तीत मांडणी केल्लो सुवाळो. बेस्टोच वेळ होगडावप ना.... मागीर जालें चर्चासत्र...उपरांत सुरबूस जेवणाचो भूस.

असलीं रंगीत पुस्तकां छापप आनी आपल्या खर्चान तीं भुरग्यां मेरेन पावोवप म्हळ्यार फुडाराचे कोंकणी लेखक घडोवपाचे दिकेन घाल्लें एक पावल!

असलो प्रकल्प हातांत घेवप हीच खरी म्हळ्यार धाडसाची गजाल. ते खातीर राजहंस प्रकाशनाचे धनी प्रभाकरबाब भिडे हांची तोखणाय करता तितली थोडीच...!


लोकांनी खूब प्रमाणांत असलीं पुस्तकां विकतीं घेवन भुरग्यां मेरेन पावोवपाक जाय. आस्त बाळगुंया, लोक पावयतलेच!

# एक यादगार भोंवडी..



कोवीडा पयलीं आमी देशांतर्गत जायत्यो भोंवड्यो केल्यात. आमचो थारिल्लो ग्रुप आसलो. दर वर्सा भुरग्यांक घेवन आमी जायत्यो ट्रिपी मारल्यात. भुरगीं ल्हान आसतना देशांतलीं प्रेक्षणीय थळां भोंवडावन हाडचीं असो आमी संकल्प केल्लो. कारण भुरगीं रोखडींच व्हड जातात आनी आप आपले वाटेक लागतात. आनी तशें जालेंय बी.

अशेच तरेन 'केल्याने देशाटन' आनी तांतूंत आमच्या लग्नाची पंचविशी मनोवपा निमतान, आशिया खंडातले दोन लोकप्रीय अशे मलेशिया आनी सिंगापूर देशांची भोंवडी



**काश्मीरी पावस्कार**

*शिक्षकी पेशांतली लेखिका,ललित लेखनांत फिशाल. तांचें 'कपयाळें' हें ललित लेखांचें पुस्तक उजवाडाक आयलां.*

करून येवपाचो हालींच योग आयलो. प्रवास म्हणलो काय प्रवासाक लागपी खर्च, ते खातीर काडपाची सुटी, कपडे लत्ते आदी गजाली आयल्योच. ताचे आदले वर्साक श्रीलंकेक वचून आयिल्ल्यान विदेश भोंवडेचो अणभव आमचे गांठीक आशिल्लो. थंय पयले दिसा आमकां वेलकम करीत, 'वेलकम टू श्रीलंका. नायस टू सी यू व्युथ युवर मोम' म्हणीत रिसेप्शनीस्टान घरकाराक दिल्लो येवकार हांव कशें विसरत? देखून हे खेपेक धुवेन ब्युटी पार्लरांत व्हरून म्हाका सामको यंग लूक दिल्लो. दुसरें म्हणल्यार प्रवासाक वतना कितें व्हरप, कितें व्हरप ना बी गजालींची जाणविकाय आदले भोंवडेन आमकां करून दिल्ली. फरक इतलोच की श्रीलंकेची भोंवडी वैयक्तीक आनी आमची दोगांची, तर सिंगापूरची भोंवडी आमची तिगांची, तशेंच नामांकीत थॉमस कूक हे पर्यटन कंपनी मार्फत आशिल्ली. ताका लागून हेर राटावळींचें टेन्शन हे फावट नाशिल्लें.

हे ट्रिपी वेळार आमच्या सांगातान आमची धूव तशेंच हेर पस्तीस पर्यटकांचो आसपाव आशिल्लो. स जेश्ठ नागरीक, तर बाकीचे आमचे वरी पन्नाशी हुपिल्लीं जोडपीं आनी कांय भुरगीं. बरी कंपनी तशेंच अणभवी, जबाबदार लोकांचो एस्कॉर्ट दिवन काडिल्ली ही भोंवडी आमचे साम की यादस्तेंत उरली. पयल्या दिसा विमानांत रातभर प्रवास केल्ल्यान, तशेंच वेगवेगळ्या वाठारांतले प्रवाशी आशिल्ल्यान कोणांक कोणाची वळख नाशिल्ली. पूण मलेशिया विमानतळाचेर देंवल्या उपरांत आमची वाट पळयत, हातांत बोर्ड घेवन 'मलेशिया सिंगापूर थॉमस कूक पेसेंजर' म्हूण उलो घालीत एके सोबीत आंकवार तरणाटी चलयेन ( टूर मॅनेजरान), आमकां सगल्यांक एकठांय पुंजायलीं. हांसत्या मुखान दिल्ल्या येवकारान आमचो प्रवासाचो शीण पयस जाता थंय आसा, हैदराबादचे एके फामिलेंतलीं दोगां जाणटीं फाटीं उरलीं. चुकून पुतान आनी सुनेन तांचे व्हिजा आपले बॅगेंत दवरिल्ल्यान इल्लो घोळ जालो. कळाव जाल्ल्यान आमकां सगल्यांक बरोच वेळ तिश्टत रावचें पडलें. दोग तीग जाण

तर सामके बेजारले , तशें मॅनेजरान समजावणी दीत म्हळें, 'उपकार करून तुमी हांगाच फ्रेश जावन घेयात. कांय वेळान बस येतली. मागीर हॉटेलांत वचून बरो विसव घेयात. तिज्या म्हौंवाळ उतरांनी सगळीं धादोसलीं आनी मुखा वयल भोंवडेची वाट पळयत बसलीं.

कांय वेळान प्रस्न सुटावो जालो तसो एके प्रशस्त एसी बशींतल्यान आमी हॉटेलार पावलीं. अमक्या वेळार सगळ्यांनीं परतून बशी कडेन जमपाचें अशी सुचोवणी करून मॅनेजर गेली. हांगाच्यान पयल्या दिसाची बेस बरी सुरवात जाली. ह्यान पयलीं ' क्रिश टू' पिक्चरांत सिगांपूर दर्शन जाल्लें पूण प्रत्यक्ष पळोवन जें नेत्रसूख मेळटा तें वेगळेंच! तश्यो व्हडल्यो बिल्डिंगो आमी पळयल्यात. पूण हांगाची वास्तुशिल्प कला दोळे दिपकावपी. देखीक मलेशियाचो पेट्रोनास टावर, किंग्स पॅलस, बटू केव्स्, मिनारा क्वालालंपूर आनी उपरांत सिगांपूरचें मरिना बे सेन्ड्स, सिंगापूर फ्लायर, नायट सफारी, युनिवर्सल स्टुडियोज, सेंटोसा आयलँड, तशेंच गार्डन बाय द बे भोंवन मन सामकें धादोस जालें. एक मात श्रीलंका सैम सोबीतकायेन नेटिल्लो देस, तर सिगांपूर कृत्रीम सौंदर्यान भरिल्लो देस. मलेशिया भोंवन सिंगापूर वतना मदीं बस नो मेन्स् लँडार थांबोवन आमचे कडल्यो प्लास्टीक बाटल्यो आनी हेर गजाली काडपाक लायल्यो. कोयरा बाबतींत तो देश कितलो कडक हें मागीर थंय वतकच आमकां कळ्ळें.

वता थंय सगळ्यांनी पोटभर फोटो मारले. आमचे [illegible] [illegible]


कांय थळा, बस पार्क करून [illegible] पडटालीं. [illegible] गावचे पडले ना. वाट [illegible] कां गायड करीत गवताली. [illegible] आसल्यो एक जोडपें आनी [illegible] पांव आनी दोन पुर्गीं पावालीं [illegible] दांडगी. आमची ताचे कडेन गोमटीच [illegible] आमी एकतर नुस्त्यां पोर्गी आनी दुसरी [illegible] एक सारकी भास. जाणटेले लागच्यान दोन तीन खाशेल बंगाली पदार्थ मोडके तोडके हिंदींत [illegible] सुनन त म्हाका इंग्लीशींत [illegible] उंचेल्या पदार काम करतालो आनी [illegible] सांबाळटालो. ते भायर आसाम, हैदराबाद, केरळ, तामीळ नाडू आनी गोंयांक लागीं म्हणल्यार [illegible] आशिल्ली. हे भोंवडे निमतान जायत्या प्रादेशीक [illegible] पडल्यो. दर एके भाशची गोडसाण अनुभवूक मेळ्ळी. [illegible]



महान कित्याक तें असल्या प्रवासांत बरे तरेन कळटा.

सद्दी आठांक भायर सरुन रातीर णवांक आमी परततालीं. आनी मागीर कौटुंबीक गजालींक भार येतालो. आमी गोंयकार हें कळटकच 'हम एक बार गोवा आयेंगे' म्हूण पयलींच फुडली ट्रीप सुगूर करून दवरली. दोन फामिली पयलीं गोंयां पाविल्लीं. तींय तोंडभर गोंयची आनी गोंयकारांची तुस्त करतालीं. आयकून नीज गोंयकार आशिल्ल्याचो अभिमान भोगलो.

चडशां हॉटेलांनी भारतीय जेवण हें कांय जाणां खातीर सहलीचें मुखेल आकर्शण आशिल्लें. बुफेक दवरिल्ल्या सगल्या आयटमांचेर यतेश्ट ताव मारताले. पूण आमी थंयचे पारंपरीक जिनस चाखून पळोवचें अशें पयलींच थारायल्लें. कांय सहली फकत खावपा पिवपा खातीर फामाद आसतात. देखीक लग्झरी क्रुझेस. खावप चड जाल्ल्यान आठ दिसांनी दोन तीन किलो वजन वाडोवन, अपचनाचे धेंकर दियत परत येवप. ते भायर तीर्थ क्षेत्रांनी एक तर गर्दी, अस्वच्छ उदक, दुशीत अन्न हाका लागून खावपाचेर हावळ येता. तर केन्ना उकते दवरिल्ले पदार्थ , पयलीं करून दवरिल्ल्यो मिठायो, पक्वान्नां – हातूंत देवाचो प्रसादूय येता. देखून सिंगापूराक आमी सूप, पिवपाचे कॅन, इंस्टंट न्युडल्स, ब्रेड, बटर, जेम बी पर्याय सोदलो. देखून भलायकी बरी उरली. एक दीस वांगड्यां बराबर वचऽ नासतना टॅक्सी हायर करून लिस्टा भायले कांय स्पॉट पळोवपाचें थारायलें. त्या दिसांनी रमझानचो सीझन आशिल्ल्यान पुराय रस्तो भर घेऽ म्हूण जिनस आसताले. एक दोन घेवया म्हूण गेलीं खरी पूण ते पदार्थ चाखपाची उमेद जाली ना. तरी एक व्हडलो ग्लास शरबत आनी सुंगटां सेप पियेलें. रंग बेरंगी ते प्रकार दोळ्यांक पिशें लायताले इतलें मात खरें!





सोयऱ्यांक सिरॅमीक कप बश्यो , कांय शोभेच्यो वस्तू आनी यादस्तीक म्हूण फ्रीज मॅगनेट्स घेतलीं. एक दीस बंगाली जाणटेल्याचे छातयेंत दुखपाक लागलें. पूण ताचेर तात्काळ उपचार जाल्ल्यान व्हडलें अरिश्ट आयलें ना. आमीय ताका आमचे परी आदार दिलो. हय पर्यटन म्हळें काय फिटनेस हो लागताच. सहलीचो आनंद लुटपाक, दर दिसा नवे अणभव घेवंक, तशेंच प्रवासाच्यो म्होंवाळ यादी सासणाच्यो जपून दवरपाक फिटनेस जायच. म्हजी एक इश्टिण म्हाकां सदांच सांगता. हातपांय चलतात तोवर भोंवून घेवपाचें. ती दर वर्सा एक तरी टूर करताच. आमीय तसो करचो ही तिजी इत्सा. पन्नाशी हुंपली. साठी जावचे पयलीं आनी फिटनेस आसा मेरेन हांवें आनी घोवान भोंवडेकार जावन जाता तितक्यो भोंवड्यो मारपाचो निश्चेव केला.आशिया जालो, मुखार अरब आनी युरोप केन्ना जाता पळोवया... इत्सा थंय मार्ग.... मनांत दुबय घुंवता. बापोल भावूय दुबयंत आसा. यो म्हूण एक सारको फाटीक लागला. कांय माजी विद्यार्थीय आपोवणें दीत आसात.तांतूंत सावियो (पाखो) दर वर्सा गोंया येतकच 'मीस, केन्ना दुबय येता? म्हूण फाटीक लागता. वयल्यान मस्करी करीत म्हणटा, बेगीन आधार कार्ड कर आनी यो. आनी आनी वेळ कित्याक काडुया तर ? चलात तर आमी मुखा वयल्या टुराच्या मार्गाक लागुंया. बॅगां भरून, तिकेटी बूक करूंया. दुबय, बुर्ज खलिफा हमें बुला रहा है।.....


*शिवोले, मो. : 9421192858*

# अब्बब्बा! तेत्तीस कोटी देव...!



सानपणांत कृष्णान यशोदेक कसो त्रास दिला हाजेर साबार काणयो आमी ल्हान आसतना आयकल्यात. तो एक मस्तीखोर भुरगो आसलो. त्रास दिवपांत केदनाय मुखार. एक फावटी कृष्णू मातयेंत खेळत आशिल्लो आनी तोंडांतूय माती घालन घेयत आसपी बाळकृष्णाक पळोवन, ताक घुसळत बशिल्ले यशोदेन, दोन–तीन फावटी शिटकायलें आनी ताकीदय केल्लें की माती तोंडांत घालनाक्का म्हूण. पूण तो खंय आयकता? तो आपल्यांतूच गुल्ल आसलो. रागान यशोदेन ताका ताण्णून हाडलें आनी रगड्या दांड्याक राजवान बांदून दवरलें. आनी म्हणलें, 'तोंड उगड रे !'

अब्बब्बा! कृष्णान तोंड उग्गडल्यार सगळें ब्रम्हांड दिसलें यशोदेक, सात महासागर, णव ग्रहां,जायते पर्वत, नद्यों, सुर्यू, चंद्र, अनगिनत नखेत्रां, रानां – वनां इत्यादी. दैवी प्रखर उजवाड पळोवन यशोदा दोळ्यांक काळोख येवन सकयल पडली. बाळ कृष्णानच उदक तोंडार मारन जागयलें तिका. हो कृष्णालो पयलो विश्वरूप दर्शन आस्सु फाव. थंय यशोदेन तेत्तीस कोटी देवय पळयले आसूंये!



**सुषमा अरुर**

*लेखिका अणकाराच्या मळार वावुरता,ललित,भोंवडे वर्णन बरोवपांत रुची.*

कृष्णान ताजें विश्वरूप दर्शन जेन्ना जेन्ना दाखयलां तेन्ना तेत्तीस कोटी देव दिस्स फाव अशी म्हजी समजूत!

महाभारताच्या झुजा पयलं पांडवं आनी कौरवांले मजगतींत संधान करपाक गेल्लेला कृष्णान दुसरे फावटी विश्वरूप दर्शन दुर्योधनाले राज्यसभेंत दिलें

पांडवान द्यूत खेळांत हरना फुडें दुर्योधनालें शर्त लागून तांणी अज्ञातवास पार करन आपणान गमयिल्लें राज्य आनी अधिकार परती घेवपाक हस्तिनापूर आयले. पूण दुर्योधन एक इंच सुद्दां जागो दिवचो ना अशें तांणे जाप दिल्ली. शांतिदूत म्हूण संधान करपाक थंय आयिल्लो कृष्णाकूय बंदी करपाक दुर्योधनान फाटीं–फुडें पळयलें ना. तेन्ना एके रायबाराक मेळप शिश्टाचारा संबंदी जाणीव करून दीत आसपी कृष्णाक धरपाक आयिल्ले सैनीक, तशेच दरबारांत बशिल्ले सगळ्यांक विश्वरूप दर्शन कृष्ण परमात्मान दिलें अशें महाभारतांत उल्लेख आसा.

1945 च्या जुलाय 16 त जे. रोबर्ट ओपनहाइमर ह्या भौतीक शास्त्रज्ञान बाँम्ब स्फोट केले उप्रांत हे अद्भुत घडणुकीची तुलना कृष्णालें विश्वरूप दर्शनाक केलें आसा. संस्कृत भास शिकिल्लो ह्या विज्ञानीले तोंडां



थावन त्या खिणाक भगवद गीतेंतल्या 11 आनी 12 वे अध्यायांतले श्लोकां भायर आयलें!

ह्यो भगवद गीतेंतल्यो खाशेले श्लोकां भौतीक शास्त्रज्ञान फातोड्यांर पांच वरांचे आसपास मेक्सिकोंत बाँब स्फोट करना फुडें म्हळिल्ले आसा! विज्ञानी आसून बी आध्यात्मीक विचारांचे दृश्टिकोण ताका आसलें. महाभारताचे झुझा वेळार निष्क्रिय जाल्लेलो अर्जुनाक ताजे कर्तव्या कडेन लक्ष केंद्रीत करपाक कृष्णान ताका विश्वरूप दाखवून युद्ध करपाक उत्तेजीत केल्लेलो तो प्रसंग ओपनहाईमरान त्या वेळाक याद केलें.

वेद आनी पुराण, त्रयस त्रिमशती कोटी देवाले उल्लेख करतात. हांगा कोटी म्हळ्यार एक नमुनो अथवा एक समूह अशी अर्थवणी जात्ता. कोटी म्हळ्यार, सर्वोच्च वा श्रेष्ठ अशें बी समजूत आसपी. तशें ऋषी याज्ञवल्क्यान सांगिल्ले प्रमाण फकत 33 देव आसत आनी तांचें नांवा बी स्पष्ट केलें आसा, उप्रांत तो तीनच देवांलें नांव बी घेत्ता. अशें वेदांता प्रमाणे तीन देव– त्रिदेव आनी अगणित देवांक बी हिंदु लोकां मानतात म्हळिलें व्हय.

कारण, हिंदु लोकां हेर सृश्टी ईश्वरीय आसा अशें मानतात. संवसारांतलें प्रत्येक निर्मणी, वृक्ष, वनस्पत, मोनजात, सवणें, सुकणें, पर्वत, न्हंयो, फातरां, इत्यादि सगळ्यांत देव आसा ही कल्पना मानपी आनी लोकांले मनांत तो भाव घट आसा. तितलेंच न्हंय मनीस आपले दिसपट्टें वेव्हार, उद्देगा लेगीत तयार केल्लेले उपकरणांक बी पूजता. म्हणून विजयदशमी दीस वेपारी ताजी तागडी, शेतकरी नांगर, हजाम ताजो वाखर, आत्ताचे सोफ्टवेर इंजीनीयर ताजो कोंप्यूटर, घरकान्न आपले वासरींतले सामानाची पूजा करपी!

गाय ही पवित्र म्हणून घेत्ता, हाजे मुखेल कारण म्हळ्यार, तिजांत तेत्तीस कोटी देव आसप म्हूण!

अद्वैत तत्वगिन्यानाचो प्रवर्तक शंकराचार्यान म्हळ्ळें, अहं ब्रह्मास्मी म्हळ्यार, देव म्हजांत आसा, तशी तो हेर प्राणींत बी आसा. प्रत्येकळ्यांत ईश्वरीय अंश आसा. त्या अर्थान कोणालोय मन आनी शारिरीक त्रास वा दुकां दिंवचोना, कारण देवाक त्रास दिल्लेवरी जात्ता. हें गिन्यान पयले पसून लोकांचे मनांत रूजलें आशिल्लें जाल्यार, कदाचीत, हो संवसार जगपाक एक बरी सुवात जायत आशिल्ली ! व्हय कि न्हय?

---

*दोनापावल, 9740399995*

# लेखिका आनी कोंकणी विशयाचीं शिक्षिका
# जोफा गोन्साल्वीस

जोफा गोन्साल्वीस हांचो जल्म गांव पैंगीण, काणकोण. तांचें पदवी मेरेनचं शिकप काणकोणांत जालें. काणकोणच्या श्री. मल्लिकार्जून महाविद्यालयांत कोंकणी आनी समाजशास्त्र हे विशय घेवन पदवीचें शिक्षण पुराय केलें. गोंय विद्यापीठांत कोंकणी विशय घेवन एम. ए. चें शिक्षण घेतलें. निर्मला शिक्षण संस्थेंत कोंकणी आनी इंग्लीश विशय घेवन बी.एड. ची पदवी घेतली. सद्याक माशें,काणकोणच्या सत्यवती सोयरू आंगले उच्च माध्यमीक विद्यालयांत कोंकणी शिकयता.

महाविद्यालयांत शिकतना कथा लेखनाक सुरवात केली. पयली कथा युवा कोंकणी साहित्य संमेलनांतले सर्ती खातीर बरयली. कथे खातीर युवा कोंकणी साहित्य संमेलनातले सर्तींत तशेंच हेर राज्य पांवड्यावेल्या सर्तींत इनामां मेळ्ळ्यांत.

'निर्णय' हो कथा संग्रह उजवाडाक आयला. ह्या कथा संग्रहाक केंद्रीय साहित्य अकादेमीचो युवा साहित्य पुरस्कार फावो जाला.

दिसाळ्यांत आनी नेमाळ्यांनी कथा उजवाडाक आयल्यात.1999 वर्सांत, बारावेचे परिक्षेंत कला फांट्यांत काणकोण म्हालांत पयलें आयिल्लो खातीर काणकोण लायन्स् क्लबाचो भोवमान .

मार्स 2019 आनी मार्स 2022 शिक्षणीक वर्सा, उच्च माध्यमीक गोवा बोर्डाचे परिक्षेत, कोंकणी विशयांत गोंयांत पयलें येवपी विद्यार्थ्यांची शिक्षिका म्हण 'राजहंस संकल्पना ' संस्थेन भोवमान केलो .



**श्रद्धा गरड**

*लेखिका केंद्रीय साहित्य अकादेमीच्या युवा साहित्य पुरस्कारान सन्मानीत कवयित्री. बालसाहित्य आनी ललित लेखनय करतात.*



**श्रध्दा –** जोफाबाय, कोंकणीच्या मळार तुमी जें यश जोडलां आनी साहित्यांतूय आपलें खाशेलें योगदान दितात ते पासत तुमचें अभिनंदन! तुमकां कोंकणी भास कित्याक आवडपाक लागली हें आमच्या वाचकांक जाणा जावन घेवप आवडटलें!

**जोफा –** भाशेची आवड भुरगेपणा सावन आशिल्ली. हायस्कूलांत शिकतना हेर विशयां परस भाशेचे विशय चड आवडटाले. म्हजें मुळावें शिकप मराठी माध्यमांतल्यान जालें. हायस्कूलांत तिसरी भास म्हण मराठी घेतिल्ली. अकरावेक पावतकच दुसरी भास म्हण कोंकणी घेतली. आनी थंय सावन म्हज्या करियराक नवी सुरवात मेळ्ळी. कोंकणी भाशेचो मोग आनी साहित्याची आवड विद्यार्थ्यां मदीं रूजोवपी अनंत

अग्नी सरां सारके शिक्षक मेळ्ळे. अग्नी सरांच्या मार्गदर्शनान चडावत कोंकणी पुस्तकां हांवें अकरावेक आसतना वाचलीं. भाशे विशीं आशिल्ली आवड अदीक वाडली. कोंकणीचो मोग मनांत रूजलो.

**श्रध्दा –** कोंकणी भाशेची शिक्षिका जावन आपूण तेच भाशेंतल्यान फुडाराक विद्यादान करतलीं अशें तुमी केन्ना चिंतिल्लें?



**जोफा –** शिक्षिका जावपाचें ध्येय पयलीं सावन मनांत आशिल्लें. म्हजे जिणेंत म्हाका मेळिल्ल्या शिक्षकांच्या प्रभावांतल्यानच हांव घडिल्लें. शिक्षिका जावप हें म्हजें एकमेव ध्येय आशिल्लें. ताजे शिवाय वेगळें कितें चिंतिल्लें म्हाका केन्ना याद जायना. कोंकणी शिक्षण एक मिशन म्हण स्विकारिल्लें आनी ते खातीर वावुरपी म्हज्या कोंकणी शिक्षकांक लागून हांव कोंकणी शिक्षिका जावंक पावलें. आनी सुरवातेच्या काळांत म्हाका मेळिल्ल्या म्हज्या कोंकणी विद्यार्थ्यांनी म्हजी उमेद वाडयली.

**श्रध्दा –** शिक्षण शिकपाक तुमकां खूबश्या आव्हानांक फुडो करचो पडला. तुम चो प्रवास वाचून विद्यार्थ्यांक जगपाक बळ मेळचें ह्या उद्देशान विचारतां,तुमच्या आव्हांनात्मक प्रवासाविशीं आमकां सांगश्यात?

**जोफा –** हय. म्हाका खंयचीय गजाल सोंपेपणी मेळूंक ना. जिणेंत संघर्श खूब करचो पडला. त्या तेंपार आतां सारक्यो दारांत बशी मेळनाशिल्ल्यो. प्राथमीक शाळेंत वतना आमी दिसाक सुमार धा किलो मिटर चलतालीं. वाटूय रानांतली अशीर पांयवाट. घरची परिस्थितीय गरीब आशिल्ली. पूण जें आसा तांतूंत सम धान मानपाक परिस्थितीन शिकयल्लें. हेर कसलीय साधन सुविधा नाशिल्ल्यान चडसो वेळ अभ्यासांत आनी पुस्तकां वांगडा वतालो. म्हजो रानगांव, हांवें अणभविल्ली परिस्थिती हातूंतल्यानच जिणेंतल्या कितल्याय व्हड संकश्टांक समर्थपणान फुडो करपाक शिकलें. परिस्थितीनूच म्हाका आत्मविश्वासान आनी स्वाभिमानान जगपाक शिकयलें.

**श्रध्दा –** तुमचे विद्यार्थी आनी इश्टूय तुमचे कडेन आदर्श शिक्षिका म्हूण पळयतात. एके व्यक्तीन सोबीत शिक्षण शिकप आनी बरे विचार मनांत दवरप कित्याक म्हत्वाचें?

**जोफा –** शिक्षण मनशाक बरें तें शिकयता. मनीसपणान वागपाक आनी जगपाक शिकयता. बरें आनी वायट, योग्य आनी अयोग्य हातूंतलो फरक शिक्षण मनशाक शिकयता. बरे विचार मनांत दवरपी



मनशाची वागणूक बरीच आसतली. बरे आनी योग्य विचार मनांत बाळगुवपी शिक्षीत नागरीक समाजाच्या बऱ्या खातीर निश्चितूच वावुरता.

**श्रध्दा –** तुमच्या कथांनी तुमी सकारात्मक नदर दवरतात अशें म्हाका दिसता,जिवितांत सकारात्मक रावप म्हणजे कशें कितें?

**जोफा –** सदांचीच जीण पूण दर दिसा नवे पद्दतीन जगप भोव म्हत्वाचें आसता. दर एकल्याचे जिणेंत चड-उतार, सूख-दूख आसताच. जीण खोशयेची, आनंदाची जावपा खातीर जिणेंत सकारात्क रावप भोव गरजेचें. सकारात्मक विचार आमकां सदांच नवें आनी वेगळें करपाक प्रवृत्त करतात. जिणें कडेन पळोवपाचो सकारात्मक दृश्टीकोन जीण यशस्वी करता.

**श्रध्दा –** तुमचे कडेन लेखनाची प्रतिभा आसा म्हणपाचें तुमकां केन्ना जाणवलें?

**जोफा –** म्हज्या लेखनाक कारण थारलें तें युवा कोंकणी साहित्य संमेलन. महाविद्यालयांत शिकतना युवा कोंकणी साहित्य संमेलनाचे सर्ती खातीर कथा बरयली. पयलेच कथेक तिसऱ्या युवा कोंकणी साहित्य संमेलनांत पयलें इनाम फावो जालें आनी उमेद वाडली. म्हजे भितर आशिल्लो लेखनाचे गूण पारखून म्हजे महाविद्यालयीन शिक्षक पुर्णानंद च्यारी सर आनी नित्यानंद नायक सर हांणी म्हाका बरोवपाक प्रोत्साहन आनी योग्य मार्गदर्शन दिलें.

**श्रध्दा –** तुमी पयलो साहित्य प्रकार खंयचो रचलो? तो रचपाक तुमकां उर्बा कशी मेळ्ळी?

**जोफा –** म्हज्या लेखनाची सुरवात कथेंतल्यानूच जाली. कविता वा हेर प्रकारा परस म्हाका कथाच बरी जमता. शिकतना सर्ती खातीर म्हण कांय कविता आनी नाटकुलीं बरयलीं. इनामांय मेळ्ळीं. पूण म्हाका कथाच बरी जमता हें समजलें. कथा बरोवपाक उर्बा साहित्य संमेलनांतल्यानच मेळ्ळी.

**श्रध्दा –** विद्यार्थ्यांनी कोंकणी सर्तींत, संमेलनांत, परिशदेंत सहभाग घेवप कित्याक म्हत्वाचें?

**जोफा –** कोंकणी विद्यार्थी हो कोंकणीचो फुडार आसा. कोंकणीचो भाशीक वावर कोंकणी विद्यार्थी

फुडें व्हरतले. कोंकणी संमेलनांनी, परिशदेंत वांटो घेतकच कोंकणीच्या वावराची विद्यार्थ्यांक जाणीव जातली. कोंकणी लेखक, अभ्यासक, शिक्षक हांचे कडेन वळख जातली.

**श्रध्दा –** नवोदीत बरोवप्यांक तुमी मार्गदर्शनाचीं दोन उतरां सांगश्यात जाल्यार कशीं सांगश्यात ?

**जोफा –** नवोदीत बरोवप्यांनी आपल्या वावरांत सातत्य सांबाळचें. बरें बरोवचें. संख्या आनी गूण दोनूय गजालींची संतुळा सांबाळची. खूब आनी बरें वाचचें. वाचन, चिंतन, लेखन चालूच दवरचें.

**श्रध्दा –** माध्यमीक, उच्च माध्यमीक पांवड्यार शिक्षक/ शिक्षिका जावपाक बी.एड शिक्षण सक्तीचें आसा. बी. एड कोर्स करपाचो हेतू कितें आसा?

**जोफा –** शिक्षकां खातीर बी. एड हो म्हत्वाचो अभ्यासक्रम. समाजांत शिक्षकाचो वावर आनी कार्य भोव म्हत्वाचें. सर्वांगीण उदरगत करून विद्यार्थ्यांची जीण घडोवपाचो वावर शिक्षक करता. खरेपणीं आदर्श समाज निर्माण करपा खातीर शिक्षकान वावुरपाक जाय. बी. एड म्हणल्यार शिक्षक प्रशिक्षण अभ्यासक्रम. शिक्षकांक योग्य प्रशिक्षण मेळप खूब गरजेचें आसता. वर्गांत अभ्यासक्रम पुराय करप आनी परिक्षा घेवप इतलेंच शिक्षकाचें काम न्हय. वर्गांतल्या दर एका भुरग्याचे वेगळे विचार, वेगळीं सपनां आनी विंगड हावेस आसतात. दर एका विद्यार्थ्याच्या हावेसाक दिका दिवपाचो शिक्षकाचो वावर आसता. बी.एड अभ्यासक्रम अंतर्गत शिक्षक साबार कौशल्यां आत्मसात करता. ताचो फायदो ताचे फुडले शिक्षकी जिणेंत जाता. दर एक विद्यार्थी आपली जबाबदारी मानून वावुरपी आनी तेच वांगडा शिक्षण मळार सतत नवेंपण हाडपी शिक्षक तयार जावचे.

**श्रध्दा –** बी. एड शिकपी विद्यार्थ्यांक इंटर्नशीप आसता. वेवस्थीत बरी इंटर्नशीप करपाक विद्यार्थ्यांक तुमचें मार्गदर्शन दिवशात?

**जोफा –** इंटर्नशीप म्हणल्यार प्रशिक्षणार्थी आपल्या कामाचो प्रत्यक्ष अणभव घेता. इंटर्नशीप काळांत शिक्षक प्रशिक्षणार्थी शाळेचें कामकाज आनी शालेय जीण अणभवता. एकंदरीत शिक्षण पद्दतीचो केंद्र बिंदू म्हणल्यार 'विद्यार्थी'. प्रशिक्षकान जाता तितलो विद्यार्थ्याक समजून घेवपाचो यत्न करचो. शाळेचो वट्ट वावर बारीकसाणेन समजून घेतनाच दर एका विद्यार्थ्याक अभ्यासचो. आनी तातूंतल्यान शिक्षक म्हणून आपले जापसालदारकेची जाणीव स्वता करून घेवची.

**श्रध्दा –** विद्यालयांत विद्यार्थ्यांक परिक्षा कित्याक



आसतात? परिक्षेचो उद्देश कितें?

**जोफा** – परिक्षा हो शिक्षण पद्दतीचोच एक भाग. विद्यार्थी वर्गांत आनी वर्गा भायर जें कितें शिकतात ताजें मुल्यमापन जावप गरजेचें आसता. विद्यार्थ्यांक कितलें समजलां हें जाणून घेवन ताज्या आदारान फुडली येवजण आखप हो परिक्षेचो उद्देश्य आसता. चडावत विद्यार्थ्यांक परिक्षा आवडनात हें जरी ख्ररें आसलें तरीय परिक्षेची उमेद आनी आवड बऱ्याच विद्यार्थां मदीं आसता हेंवूय तितलेंच खरें आसा. परिक्षा म्हणल्यार सर्ती न्हय हाजी जाणीव शिक्षकांक आनी पालकांक आसप भोव गरजेचें.

**श्रध्दा** – विद्यालयांत परिक्षा केन्ना आसतली हें पयलीं खबर आसता. पूण जिवीत जगतना परिक्षा केन्ना आनी कशी आसतली हें खबर नासता. अश्या वेळार स्वताक कशें तयार करप?

**जोफा** – विद्यालयांतल्या परिक्षां परस जिणेची परिक्षा खूब म्हत्वाची. शाळेंतल्या परिक्षेचें वेळापत्रक खूब पयलीं विद्यार्थ्याक मेळटा. पूण जिणेंत परिक्षा केन्ना येत हाजो नेम ना. खरेपणीं शिक्षणान विद्यार्थ्यांक जिणेची परिक्षा फुडो करपाक तयार करपाक जाय. जिणेंतलीं आव्हांनां आनी प्रस्न जीण सुवादीक करता. जिणेचे परिक्षेक फुडो करून स्वताच्या प्रस्नाची जाप स्वता सोदप हातूंत खरो आनंद आसता. जिणेंतलो संघर्श आनी अणभव मनशाक केदेय व्हड परिक्षेक फुडो करपाक तयार करता.

**श्रध्दा** – विद्यार्थ्यांक तुमचो संदेश कितें आसतलो.. तुमच्या अणभवांतल्यान तुमी तांका कितें सांगूंक सोदतात ?

**जोफा** – विद्यार्थ्यांनी स्वताक मेळपी दर एके संदीचो फायदो घेवचो. आपले जापसालदारकेची जाणीव दवरची. सदांच जागृत रावचें. कश्ट करून जोडिल्ल्या यशांत समाधान आसतलें. समाजांत मनीसपणान वागचें.

---

*फातोर्डा – मो. 8087708050*

# खोडी काडप्यांनी तुस्तय करची!



तुमी बरयत रावात. खोडी काडतल्यांक खोडी काडीत रावूं दी. रांदपाक शिकप्याचें पयलेंच खाण अटूक जावचेंच ना. चार पुस्तकां शिकतगीर आनी आरक्षीत पदाचेर काम मेळतगीर सर्गात पाविल्ले वरीं तांकां दिसता. दुसऱ्याच्यो टिवल्यो बावल्यो करुंक तांकां आवडटा.

खोडी काडचे परस तोखणाय बरी दिसता. पूण ती खोटी आसची न्हय. तोखणाय करपाक सुद्दा संस्कार लागतात. ते थोड्यां कडेन नात. ती करुंक कळना जाल्यार ओगी रावचें. खोड सुद्दा काडतना दुसऱ्याक तोपता अशी काडची न्हय.

आमी कोंकणी महाविद्यालयांत वा खंयचेय प्रायमरी शाळेंत सुद्दां कोंकणी शिकनासतना बरयतात हाजी आमकां आमचीच तोखणाय करीन दिसता. पूण आमी मांयभास कोंकणीं आवयच्या पोटांतल्यान, पुर्वजांतल्या तोंडांतल्यान आयकून बरयतात हांजेर आमकां गर्व आसा.

घालून पाडून बरयलें जाल्यार सगळ्यांक लागता. म्हूण तें पयलेंच बरप किदें दर्जेदार आसपाक शकना. कवितेन उतरां कडेन पळोवंक जायना, अर्था कडेन पळेयात. बरयतल्याक किदें म्हणूंक जाय तें पळयात.



**कल्याण सावंत**

*कविता,कथा आनी ललित ह्या मळार उमेदवारी करता. तांचो 'काव्यश्री' हो काव्य संग्रह उजवाडाक आयला.*

हळू हळू सुदारणा जातली. सगाँतल्यान कोण केन्नाच शिकून आयिल्ल्याचें वाचनांत येवंक ना. आवयच्या पोटांतल्यान बी कोण शिकून आयलो हें कलियुगांत तरी आयकूंक ना. वाचूंक ना आनी पळोवंकय ना.

नव्या बरोवप्यांक उर्बा दिवंक दिलीप बोरकारां सारखे कोंकणींतले अणभवी जाणकार आसात. लोकांक जें कळूंक जाय तें लिखाण वाचतकीर कळ्ळ्यार पुरो. आमी किदें कोंकणी परिक्षेक बसनात आनी तशी तजवीज आसल्यार परिक्षा दिवंक तयार आसात.

बरयत रावात. लोकां पर्यंत पावयात. कोणाक वाचपाक जाय तांकां वाचूंदी.खोडी काडटल्यांक तेंच काम करुं दी.

कोण म्हणटले, 'शी! तुमची ती कविताच न्हय.शी! ताका यमकच ना. ते कवितेक अर्थच ना!' अशें म्हूण निरस करतले.

थोडे म्हणटले हो एकच विशय आसा बरोवंक? तर थोडे म्हणटले कविता वेगळ्याच मुद्यार बरोवंक जाय.

खोडी काडटलो तुमका सकयल दाखोवंक .तशें करता जाल्यार आडनदर करात. पूण कोण तरी तुमकां सुदारपाक तुमच्यो चुको दाखोवन दिता जाल्यार तांचे उपकार मागून सुदारणा करतात जाल्यार जरुर सुदारणा करात आनी पारंगत जायात.

*फोंडें- मो. 9765128185*

# परमेश्वरी

परमेश्वरी! म्हळ्यार कोण? हो तुमकां प्रस्न पडलो न्हय ? तर परमेश्वरी म्हळ्यार कोण देवी वा अस्तुरी न्हय, तो एक संगितांतलो राग. ताजे बद्दल तुमी आयकलां काय ना म्हाका खबर ना, पूण ह्या रागा बद्दल म्हाका पयलेच खेपे मजेशीर रितीन कळ्ळें.

यू ट्यूबाचेर कोणें तरी विदुषी कौशिकी चक्रवर्ती हिणें गायिल्लें भजन 'जय जय जननी देवी' हो व्हिडियो घाल्लो. हांवें तो आयकलो आनी हांव मंत्रमुग्ध जालें. तें भजन अतिशय सुंदर आसलें. शब्द रचनाय अप्रतीम आनी कौशिकीचो सुमधुर आवाज. तें भजन आयकत रावनशें दिसतालें. पूण तें खंयच्या रागाचेर आधारीत आसा हाजो सोद म्हजें मन घेतालें.

म्हजें मन ताजे विशीं पुरायपणान जाणून घेवंक अस्वस्थ जालें आनी हांव त्या भजनांतल्या रागाचो सोद घेवंक लागलें. त्या भजनांत म्हाका वळखीच्या रागांचो भास जातालो देखीक भैरवी, बागेश्री, अहिर भैरव इ. इतल्यांत दुसऱ्या एकल्यान घाल्लो विदुषी कौशिकीचोच त्याच भजनांचो आनीक एक व्हिडियो सापडलो आनी तांतूंत तें भजन परमेश्वरी रागाचेर आधारीत आसा अशी नोंद केल्ली. तेन्नाच हें भजन म्हाका पं.अजय चक्रवर्ती आनी पं.सुरेश वाडकर हांच्या आवाजांत आयकूंक मळ्ळें. होय व्हिडियो भी तिरायतान घाल्लो. थंय सुद्दां तें राग परमेश्वरीचेर आधारीत आसा अशी नोंद आसली. म्हाका थोड्या वेळा पुरतें



मळब मेळिल्लो वरी जालें.

हया नांवाचो राग म्हज्या संगीत शिक्षणाच्या वाटचालींत केन्नाच कानार पडूंक नासलो. त्या रागा बद्दल म्हाका कांयच खबर नासलें. कारण भूप, दुर्गा, सारंग, यमन, हमीर, भैरव , भैरवी, अहिरभैरव दरबारी कानडा, मल्हार हे चालंत राग हांव शिकिल्लें.

परमेश्वरी रागा बद्दल खोलायेन जाणून घेवपाची म्हजी उत्सुकताय वाडली. तशें हांवें हें भजन परमेश्वरी रागाचेर आदारीत आसा अशें धरून सोदकार्य चालू केलें. पयलीं विचारलें गूगल गुरूक. ताणें म्हज्या मुखार जापेचें पान उकतें केलें. तें पान वाचतना कळ्ळें, परमेश्वरी हो महान सितार वादक पं.रवि शंकरजी हांचो आविष्कार जावन आसा, जो तांणी 1968 वर्सा केलो. तो आविष्कार करपाक तांकां कशी प्रेरणा मेळ्ळी ताजी एक वेगळी काणी आसा, पूण हांगां ताजे विशीं विस्तारन



**सिंधू अनंत शेणवी असोळडेकार**

*कविता,ललित आनी अणकाराच्या मळार योगदान. संगिताची आवड.*

सांगपाची गरज ना.

आतां रागाची मुळावी म्हायती मेळ्ळी ती अशी–

हो राग हेर रागांवरी तितलो प्रचलीत ना.

स्वर – पंचम (प) वर्ज्य, ऋषभ (रे) गंधार (ग) आनी निषाद (नि) कोमल. बाकी स्वर शुध्द.

जाती – षाडव – षाडव

थाट – हो राग खंयच्याच थाटांत बसना.

वादी – मध्यम ( म ) संवादी षडज ( सा )

आरोह – सा रे ग म ध नि सा

अवरोह – सा नि ध म ग रे सा

मुखे आंग – सा रे ग म ध म; ग म ध म ग रे; ग रे, नि, ध ; ध, नि रे सा;

विश्रांती स्थान – रे; म; ध; – ध; म; रे;

गावपाची वेळ – सकाळीं, दिसाचो दुसरो प्रहर, 9 –12

( टीपः– षाडव म्हळ्यार – 6 सूर अशिल्लो राग.

थाट म्हळ्यार – रागाचो जनक (आवय बापूय ) अशे 10 थाट आसात आनी प्रत्येक थाटाचो एक वा अनेक राग आसतात. देखीक 'कल्याण' थाटाच्या अंतर्गत राग 'यमन' येता.

वादी म्हळ्यार मुख्य स्वर आनी संवादी म्हळ्यार सहायक स्वर.

(ज्या स्वरांच्या खाला ओळीची खूण आसा ते कोमल स्वर.)

गूगल सर्च वरवीं ही म्हायती म्हाका 'तनरंग' हे वेबसायटाचेर मेळिल्ली तरी म्हाका तार्जे खरेंपण पळोवंक जाय म्हणून हांवें परत यू ट्यूबाचेर सोद सुरू केलो. थंय म्हाका शास्त्रीय संगिताची एक प्रख्यात गायिका सावनी शेंडे हिजो राग परमेश्वरी बद्दल म्हायती दिवपी व्हिडियो मेळ्ळो. जी म्हायती म्हाका गूगलचेर मेळिल्ली ती हे म्हायती बरोबर जुळटाली.

गायिका सावनी शेंडेन त्या रागाचे आरोह – अवरोह गावन दाखयले आनी ताजें चलनय सांगलें. एक सुंदर स्वरचीत बंदिश तिणें गावन दाखयली. हाजे भायर पं. प्रभाकर कारेकार, विदुषी मालिनी राजूरकर, विदुषी प्रभा अत्रे आनी हेर कलाकारांनी गायिल्लो राग परमेश्वरी आयकूंक मळ्ळो आनी हांवें तो खूब वेळां आयकलो. ताजें चिंतन मनन केलें. हळू हळू ह्या रागा बद्दल कळपाक लागिल्लें. जरी हांव तो राग प्रत्यक्ष शिकलें ना तरी संगीत शिकिल्ल्यान हो सुंदर राग म्हाका सम जुपाक बरें पडलें.

हातूंतल्यान एक कळ्ळें तें म्हळ्यार, जे भजनांतले आनी राग परमेश्वरीचेर थोडे सूर जरी जुळटाले अशे दिसताले तरी तें भजन परमेश्वरी रागांत नाशिल्लें. हांव तें भजन जेन्ना जेन्ना आयकतालें तेन्ना तेन्ना म्हाका उलगडत वचपाक लागलें की ह्या भजनांत फकत 'ध' आनी 'नि' कोमल आनी बाकी सगळे सूर शुध्द लागतात. वयले म्हायती प्रमाणे परमेश्वरी रागांत रे, ग आनी नी कोमल हे स्वर आसात बाकीचे स्वर शुध्द आनी प वर्ज. मागीर व्हिडियोंत राग परमेश्वरी अशें कशें बरयलां? हो म्हज्या मुखार एक मोठ्ठो प्रस्न उबो रावलो. म्हजो सोद परत सुरू जालो आनी म्हज्या बऱ्या नशिबान म्हाका स्वता कौशिकीचो रुद्राणी हो आल्बमाचो व्हिडियो सापडलो. तांतूंत त्या भजनाचो



राग 'चारुकेशी' अशी नोंद आसली. चारुकेशी रागाचें नांव आयकल्लें पूण म्हज्या संगीत शिक्षणांत ताजो आसपाव नासलो. म्हणून हाजीय हांवें म्हायती सोदून काडली, त्या रागाचो सुददां हांवें खूब अभ्यास केलो. तो आयकलो. तेन्ना कळ्ळें की ह्या रागाचे सूर त्या भजनांतल्या सुरां कडेन पुराय रितीन जुळटात.

ह्या दोनय रागांचो फरक वळखुपांत जो गोंदळ जाल्लो ताजेर परत म्हजें विचारमंथन सुरू जालें आनी म्हाका अशी एक शक्यताय दिसली ती म्हळ्यार परमेश्वरींत 'प' वर्ज आनी चारुकेशींत जरी 'प' स्वर आसलो तरी ताजो वापर कमी जाता आनी दोनय रागाचे वादी संवादी एक आसात म्हणून जायत. दुसरी शक्यताय दिसली ती म्हळ्यार केन्ना केन्नाय सुगम संगितांत जरी एका अमूक रागांत तें गीत वा भजन आसलें तरी ताका आनीक सोबाय हाडपाक दुसऱ्या स्वराचो वापर करतात. ते नदरेन हांवें तें भजन खूब वेळां आयकलें पूण म्हाका अशें कांय सापडलें ना. तितल्यांत परत म्हजी ट्यूब लायट पेटली. आनीक एक शक्यताय दिसली ती म्हळ्यार राग चारुकेशीचीं विश्राम स्थानां आनी परमेश्वरींतले कोमल स्वर हातूंत कांय जाणांक ( जाणी व्हिडियोंत तें भजनाचो राग परमेश्वरी अशें बरयलें.) फरक कळूं नाशिल्ल्यान म्हणजे जंय विश्राम स्थानां आसात तीं तांकां कोमल स्वरांचो भास जालो आनी त्या भजनाचो राग परमेश्वरी असो भासलो जावये म्हण. पूण म्हाका ह्यो ज्यो शक्यतायो दिसतात त्यो सारक्यो आसात काय ना हें शेर्त करपाक जाय आसलें. कारण हांवें जरी 'संगीत कुशल' ही पदवी मेळयली तरी हांव व्हडलें संगीत तज्ञ न्हय. हांव संगिताची एक विद्यार्थीनी जावन हें सोदकार्य करतालें.

हांवें म्हजी कला अकादमींतली गुरु भगिनी सौ. शिल्पा दुबळे - परब गोंयची नावाजती शाश्त्रीय संगिताचे गायिके कडेन म्हजे वयले विचार मांडले आनी म्हाका मातशें मार्गदर्शन कर अशी विनंती केली. तांणी सांगलें, हांवें जो जो निश्कर्श काडला तो एकदम सारको आसा. म्हाका मळबाक हात तेंकिल्ले वरी



दिसलें. खूब खोस भोगली.

पूण एक मात खरें, चुकून काय जायना त्या भजनान म्हाका परमेश्वरी रागा लागीं पावयलें आनी राग चारुकेशीचो आस्वाद घेवपाक दिलो.

चारुकेशी होय एक अतिसुंदर राग हातूंत दुबाव ना कारण ताज्या त्या भजनान म्हाका मंत्रमुग्ध केल्लें.

हें सोदकार्य सुरू आसतनाच आनीक एक खोशेची गजाल घडली, ती म्हळ्यार स्वता पंडित रवि शंकर हांचो ह्या ( परमेश्वरी ) रागाचो सतार वादनाचो व्हिडियो मेळ्ळो जाका लागून हांव राग परमेश्वरीच्या आनीक चड लागीं पावलें. पंडितजींचें सतार वादन आयकतना म्हजें कवी मन जागें जालें आनी एक सुंदर चित्र म्हज्या दोळ्यां मुखार उबें रावलें. म्हाका दिसलें निळ्या मळबार सकाळच्या कंवळ्या सुर्या मुखार श्वेत वस्त्र

धारण केल्ली परमेश्वरी कमलासनाचेर बसून वीणा वादन करता आनी ते स्वर किरणाच्या रुपान धर्तरिर ओत्तात. त्या किरणांनी झाडाचीं पाना वज्रां जावन चकचकतात आनी परमेश्वरीचीं अनेक रुपां तांतूंत दिसतात.. सगळी सृश्ट परमेश्वरीचे सूर आळ्यतात.

खरेंच परमेश्वरी हो खूबच सुंदर राग. गायिका सावनी शेंडे म्हणटा ते प्रमाण खरेंच हो राग स्वताच्या मना भितर नदर मारपाक प्रवृत्त करता. मनाचे खोलायेचो सोद घेवंक लायता. तांतूंत 'प' स्वर लागना तरी तो आयकुपाक तितलोच बरो दिसता. ताजें चलन मंद धोलपी झोपाळ्यावरी भासता. परमेश्वरींत 'प' ना तरी तातूंतले कोमल स्वर ताजी सोबाय वाडयतात.

ह्या परमेश्वरी रागान इतली भुरळ घाली की म्हजो सगळ्यांत आवडीचो राग मल्हार म्हाका बाबडो सो जावन 'आपल्याक विसरलें?' अशें विचारता अशें म्हाका दिसूंक लागलें.

ह्या परमेश्वरी रागाचेर जेन्ना हांव चिंतन मनन करतालें तेन्ना अशें दिसतालें की साक्षात परमेश्वरीच म्हज्या मुखार उबी रावल्या आनी म्हाका सांगता, ह्या रागा बद्दल कोंकणींत बरय. ह्या रागाक लोकां मेरेन पावय.

खरें तर खंयचोय राग लोकां मेरेन पावयतलो जाल्यार गावन पावोवप योग्य थारतलें. जें हांव, जाचो कल फकत कविता बरोवपा कडेन चड आशिल्लो, अश्या हांवें अचकीत शिकिल्ले रागांचेर बरोवचें सोडून हे परमेश्वरीचेर हो धाकटुलो लेख बरयलो आनी म्हाकाच अजाप जाले. हें कशें

घडलें ! घडये राग परमेश्वरी आनी परमेश्वरीची हीच इत्सा आसली. तांणीच म्हाका बरोवपाची स्फुर्ती दिली.

---

*मडगांव गोंय, मोबा. 7066392569*




# वेलंकानीची भोंवडी

भोंवडी करपाक [illegible] आनी कॉलजीच्या विद्यार्थ्यांक तर सांगूकच नाका! परिक्षा सोंपल्या म्हणटकच भुगीं आपल्या [illegible] वांगडा आनी कुटुंबातल्या [illegible] वतात. भोंवडेक वचपाच्यो तिकेटी तर आदीं फुडेंच सुरू करून दवरतात. भोंवडेक वचपाक जाय म्हण आमी आमचो अभ्यास मन लावन करतात. एकदा परिक्षा सोंपल्या म्हणटकच आमी आमचे आवय बापायची फाट कशीच सोडिनात, कित्याक आमकां भोंवडेक वचपाचें आसता. भोंवडेक वचपा खातीर आमी आमचीं बॅगां आदीं फुडेंच भरून दवरतात. सगळ्यांच्या [illegible] फुलता आनी भोंवडी करपाक वतना कोणाक तरी घरांत दवरून आमी आमचें सामान घेवन वाटेक लागतात.

2019 वर्सा आगोस्ताच्या निमाण्या सप्तकांत हांव म्हज्या कुटुंबा वांगडा वेलंकानी म्हळ्यार मद्रासाक [illegible] भोंवडेक भायर सरलें. एक टॅक्सी करून सकाळच्या स वरांचेर वास्को रेल्वे स्टेशनार वचपाक आमी गेलीं. खूब खुशालकाय आनी उमळशीक लागिल्ली म्हाका. केदो व्हडलो संतोस! मनांत विचार फकत थंय पावपाचो. सुमार आठ वरांचेर आमी वास्को रेल्वे स्टेशनार पावलीं. थंय पावता जाल्यार कितें ? लोकांची उपाट गर्दी. सगळो लोक मद्रासाक वचपाक आयिल्लो. जो तो आपलीं बॅगां ओडीत चलतालो, जाल्यार कांय जाणांनी माथ्यार मारिल्लीं. तांतूत भितर कुली लोकांचें सामान हाडपा व्हरपाचें काम करताले. मद्रासाक वचपाची रेल्वेगाडी पयलींच येवन स्टेशनार राविल्ली. आमी आनीक वेळ केलो ना, आमची तिकेट बोल्सांतल्यान भायर काडली आनी आमी आमची सुवात पळोवन घेतली. सगळीं आमचीं बॅगां ट्रेनिच्या डब्यांत



**क्लॅरिसा रोड्रिग्स**

*संत सोहिरोबा सरकारी महाविद्यालय, विर्नोडा हांगा दुसरें वर्स कला शाखेंत शिकता. वाचनाची आनी भोंवडेची आवड*

घालून एकदाची ट्रेनींत बसकण मारली.

पूण म्हज्यान बसून रावं नज जालें. भुरगें मन म्हजें. हांव सकयल देंवलें आनी म्हज्या मोबायलांतल्यान वास्को स्टेशनाचे जायते फोटो मारले. निमणे सवाय णवांच्या सुमाराक ट्रेनीची शिटी वाजली आनी ट्रेन सुटली. आमची मद्रासाक वचपा भोंवडी गोंयच्यान सुरु जाली.

ट्रेन स्टेशनार सावन सुटना फुडें गाडयेंत भितर जायते वळखीचे तशेच अनवळखी लोक आशिल्ले तांचेर हांवें नदर भोंवडायली. हांवें जायत्या लोकां बराबर उलोवन इश्टागत केली. कित्याक सुमार तीस वरां आमकां ट्रेनींत सारपाकाय आशिल्लीं. दनपार जाता म्हणल्यार कितलेशेच च्या विकपी आनी हेर खाणां जेवणां विकपी लोक गाडयेंत भोंवताले. जायतो लोक आप आपणाक जाय त्यो वस्तू विकत्यो घेताले. आमी चडशें कांय घेतलें ना. कारण जें कितें वाटेक खावपाक पिवपाक जाय तें आमी घरा कडल्यानूच हाडिल्लें. भायलीं खाणां, पिवणां खावचीं पिवचीं न्हय, तीं भलायकेक वायट पडटात हें आम कां शाळेंत शिकतना शिक्षकान सांगिल्लें. दनपार जाता म्हळ्यार गाडयेंतूच आमी आमचें जेवण केलें आनी वेळ वगडाय नासतना न्हिदून घेतलें. थंय गाडयेंत झुमझुमीत बरें वारें मारतालें देखून त्या वाऱ्यान सामको दोळो लागलो.

ट्रेन तर सामकी स्पिडीन वताली. उठून पळयतां जाल्यार आमी कर्नाटकांत पाविल्लीं. म्हाका जाल्यार उबगण आयिल्ली कारण, एकाच जाग्यार बसूंक जमनासलें. कित्याक म्हाका भोंवपाची संवय! तरी पूण मोबायल पळोवपाक आनी मोबायलाचेर गेमी खेळपाक थोडो वेळ सारलो. पूण मोबायला परस ट्रेनींतल्यान भायलो वाटार पळोवप म्हाका चड बरो सो दिसपाक लागलो. धांवते गाडयेंतल्यान कितलेच गांव येतात आनी वतात ते नदरेक पडटाले. थंयचे लोक, तांचीं घरां,शेतां –भाटां पळोवन तांची संस्कृताय कळटाली. रातच्या वेळार आमी आमच्या डब्यांत बशिल्ले कडेन कुटुंबा वांगडा मागणें केलें आनी रातचें जेवण करून न्हिदपाक गेलीं.

दुसरे दिसा सुमार दनपारच्या बारा वरांचेर आमी मद्रास वेलंकनी पावलीं. गाडयेंतल्यान आमी आमचें सामान देंवयलें आनी टॅक्सी करून आमच्या राबित्या वटेन हॉटेलार गेलीं. पर्यटनाचो आनी फेस्ताचो काळ आशिल्ल्यान हॉटेलाच्यो कुडी मेळपाक खूब त्रास जातालो. पूण आमी आमच्यो कुडी पयलींच सुगूर करून दवरिल्ल्यो. आमी आमचें सामान एकदाचें आमचे कुडींत घातलें आनी वेळ वगडाय नासतना दर्या वेळेर गेलीं. चाली रिती प्रमाणे आमी आमचे पांय दर्यांत बुडोवन फुलांचीं दाली घेवन सुमार पंदरा मिनटां चलत सायबिणमांयेचें दर्शन घेवपाक गेलीं. इंगर्जेत लोकांची रांग लागिल्ली. लोक एकामेकाक धुकलताले. ते खेटींत सुमार एक वर थंय रावले उपरांत आमकां भितर सरपाक मेळ्ळें. आमी सायबीणमांयचें दर्शन घेतलें. फुलांचीं दाली भेटयलीं.





इगर्जेंत वचून थोडो वेळ बसलीं. मागणी केली आनी उपरांत हॉटेलांत वचून रुचीचें जेवण जेवन पोटाची भूक भागयली. दर्या वेळेर वचून न्हावप एक परंपरा आसता. हांव जाल्यार सदांच सकाळ सांजेचें दर्या वेळेर येतालें, कित्याक म्हाका उमेद येताली.

ह्या दिसा सांजेच्या सात वरांचेर फेस्ताचे माडयेचो व्हडलो सभारंभ जाता. तेर्स आनी मागणी करून सायबिणमांयचो बावटो वयर चडतात. आनी भक्ती गितांच्या गायनांत हो सुवाळो मनयतात. ह्या सुवाळ्याक हजारांनी लोक हाजीर आसतात. जायते भावार्थी लोक खेरीत भाशेन ही माडी पळोवपाक येतात आनी दोन तीन नोवेन करून परत वतात. ह्या नोवेनाच्या दिसांनी सगळ्या वेळार व्हड दुकान काडून तेर्सां मागणीं आनी भक्ती गितां गावन सायबीण मांय आनी हेर संता भक्ताच्यो मूर्ती घेवन दुकान काडटात. सुमार पंदरा ते वीस भासांनी लोक मागणी करतात आनी मिसां भेटयतात. दनपारच्या बारा वरांचेर नोवेनाच्या दिसांनी चुकूनासतना इगर्जेच्या सामकार सायबीण मांयचो बावटो चडयतात जाल्यार मिसा सबार दीस चलतात आसतात. नोवेनाचें पयलें मीस सकाळच्या पांच वरांचेर सुरु जाता आनी सांजेच्या सात वरांचेर मिसां सोंपतात. हजारांनी लोक नोवेनाच्या मिसांनी वांटो घेतात. आमकां गोंयकारां खातीर खरीत कोंकणी भाशेंतल्यान मिसाचें दान भेटयतात. तशेंच हेर सुवातांच्या लोकां खातीर तांच्या भासांनी मिसां जातात. ह्या दिसांनी भावार्थी लोकांक कुडी मेळपाक लेगीन कठीन जाता. ताका लागून जायते लोक इंगर्जेंच्या आजरार आपल्या कुटुंबा सांगातान न्हिदतात तें आमकां पळोवंक मेळटा.

परबेचो दीस सेतेंब्राचे आठ तारखेक जाता. परबेचें मीस व्हडा दबाज्यान भिस्पसायब भेटयता. ह्या मिसांत हजारांनी लोक वांटो घेतात. सगळ्या धर्मांचो लोक हे परबेंत वांटो घेतात. परबेचें मीस सोंपले उपरांत हांव म्हज्या कुटुंबा वांगडा फेरयेंत भोंवपाक गेलें वचत थयसर वेगवेगळीं दुकानां दिश्टी पडटालीं. खेळण्यांचीं, पिवणाचीं, खाणाचीं, कपड्यांचीं तशेंच हेर कितलींशीच स्टॉलां. लोक तर भोंवपाक खुबच गर्दी करतालो. आमकां जाय – जाय त्यो वस्तू आमी विकत्यो घेतल्यो आनी उपरांत त्या पवित्र जाग्याची पळोवणी करपाक त्या सुवातांक दर दिसा भेट दितालीं. आमी हांगासर वेगवेगळ्यो इगर्जी पळोवन आमच्या मोबायलार तांचे फोटो काडले. रातच्या वेळार तर सगळ्यो इगर्जो लायटीनी लकलकताल्यो, आमचें लक्ष ओडून घेताल्यो. लोक भावार्थान वेलंकनी सायबिणीक आंगवण्यो करताले आनी जायते जाण आपलें मागणें पुराय जालें म्हूण उपकार फारीक करूंकय तिजे पांयांशी येताले. पुराय भारत देशांतले लोक वेगवेगळे जातीचे, धर्माचे एकवठान हे सुवातेर रावतात तें पळोवन मन प्रसन्न जाले बगर रावलें ना. हांगा दर्यावेळेर तर लोकांची भरपूर गर्दी आसता. ह्या दिसांनी हांगचें वातावरण खूबच गर्मीचे आसता.



आंगांतल्यान घामाच्यो पावळ्यो गळटात. तरी पूण लोक सगळ्या धार्मिक विधींनी वांटो घेतात तें आमकां पळोवक मेळटा. फेरयेंत जायत्यो वस्तू घेतल्यो आनी इश्ट मित्रांक दिवपा खातीर ल्हान ल्हान वस्तू घेतल्यो. सायबिणीच्या पांया कडलें म्हण गांवच्या लोकांक, शेजाऱ्यांक चणे आनी चिरमुल्यो घेतल्यो. जायत्या नव्या सुवातांचेर भोंवन, जायत्या इगर्जांनी भेट दिली. वेलंकन्नी पयलींच फावट गेल्ल्या कारणान म्हजें आनी म्हज्या आवय बापायचें मन खूब खुशाल आसलें. ह्या जाग्याक पळोवन एक आगळीच खुशालकाय मेळटा.

अशे तरेन सुमार बारा तेरा दिसांची भोंवडी सोंपोवन हांव म्हज्या कुटुंबा वांगडा परत रेल्वे गाडयेंत बसून गोंया म्हज्या गांवघरा येवपाक परतलें. म्हज्या मनाक घरा वचपाक दिसनासलें, म्हाका थंयच रावची खोशी आसली. हांवें केल्ल हे भोंवडेच्यो यादी म्हज्या काळजांत ताज्यो आसात. आनी उगडास काडलो म्हणटकच केन्ना काय मद्रासाक वेलंकनी परतून वच्चों अशें काळजा मनांतल्यान दिसूंक लागता.

---

*हरमल, पेडणे,* **मो. *7720863294***

# ► उखाणीं

1. पोरसांत फुल्ल्या रतन आबोली
........हाका म्हणटात घरांत मोगान बावली.

2. कामाक्षेच्या देवळाक भांगराचो कळस
.........च्या आगणांत मोराची तुळस.

3. मायेचो गंध, पाचवेचार रान
.........च्या गांवांत मेळ्ळो म्हाका सवाशिणीचो मान.

4. उरता तो सदांच बिझी
सगळीं कामां करता इझी
म्हणून हांव........चें सामकें क्रेझी.

5. म्हादयच्या देंगणांनी व्हांवता शितळ पाणी
............ व्हतय म्हजी राणी.

6. लग्नाक मांडलां दातें
दांत्याक केले तिंबे
......... नांव घेतां हांव,
रावात तुमी सगळे उबे.

उखाणें हें ल्हानशें काव्य जें पुरातन काळा पासून चलत आयलां. पयलीं त्या उखाण्यानीं पारंपारीक गंध आसतालो पूण, आतांच्या आधुनीक काळांत चित्र बदल्लां अशें दिसता.




**वैष्णवी रायकार**

*कविता तशेच ललित साहित्यांत सातत्यान आपलें योगदान दीत आसा. साहित्यांत नवे नवे प्रयोग करता.*

*मडगांव-गोंय, 8698147583*

भुरग्यांचें आंगण

# बुदवंत बाबली

सदाशीव भाटकार आज सामको बेजार जाल्लो. तोच न्हय तर घरांतलीं सगळींच मनशां सामकीं निर्शेल्लीं. गितूबाय सकाळच्यान रडटालें तें कशेंच थारऽनाशिल्लें.

तांच्या सगळ्यांच्या आवडीच्या, अपुरबायेच्या बुकल्यान, सोनून आज सकाळीं सकाळीं जीव सोडिल्लो.

चार दिसां पयलीं अकस्मात तो ओंकपाक लागिल्लो. दोतोर, वखद-विरसद करूनय तो बरो जालोच ना.

सदाशीव भाटकार, ताजी घरकान्न मीरा आनी सानुलें गिता सगळ्यांचे तो अपुरबायेचो. शिवा भाटकार ताका केन्नाच धरनासलो. सगळ्यो खबरी कितें तें पयसुल्ल्यान. पूण आपली घरकान्न आनी गितूबाय ताजी अपुरबाय करतात ताजी ताका भोवच तोखणाय!

''मम्मा,आतां हांव दिवचें ना आं तुका! पुराय सकाळ हांव खेळयतलें सोनूंक. आज आयतार. सद्दां तुका खूब वेळ खेळपाक मेळटा!''

'' हे ऽऽ म्हाका कामा नासतात तर गो? फकत सांजे थोडोच वेळ घेवप जाता ताका!'' मम्मान सांगलें ताका.

''पप्पाक विचार पळोवया... पप्पानच सांगलां म्हाका तूं ताजे कडेन कशी उलयता ती!''

आवय धुवेचें उलोवप आयकून पप्पान मुमुरखेंच हांसचें मागीर.

''आनी मम्मा, तें पणसा झाडार चडून खांदयेर



उषा
ज.
कामत
*लेखिका बाल साहित्य आनी ललित हातूंत सातत्यान लेखन करतात.*



लोडेता तेन्ना कोण करता ताजी अपुरबाय? ताका सांसपीत कोण उबी रावता पणसा मुळां?''

गितूबाय मम्माकडें सदांच उलयतना आरतें परतें करतालें.

आनी आज सोनूची याद काडून काडून गितू हम सून हमसून रडटालें.

काल, आज तर ताजी तानभूकय शेणली. वचून वचून पणसा मुळां उबें रावन तें पणसाचे खांदयेक पोशेत दुकां झरी व्हांवयतालें. पणसाक सामक्यो सकयल्यान खांदयो आशिल्ल्यो आनी वयले मोठे रूंदशे खांदयेर सदांच तें सोनूं वरांचीं वरां लोडेल्लें आसतालें.

'बाय तें म्हजें....कित्याक गेलें गो आमकां सोडून?' गितू आपलेच भितर बडबडटालें.

आतां शिवा भाटकाराक आपले चलयेची चिंता जाली.

तो पोसपाक दुसरो बुकलो सोदपाक लागलो आनी एक इनामय जाहीर केलें ताणें.

'पोसपाक असो एक बुकलो जाय, जो पणसा झाडार चडून ताजे खांदयेर बसतलो.

जो असलो बुकलो हाडटलो ताका पांच हजार रुपया हांव दितलों' शिवा भाटकारान जाहीर केलें

सगळ्या गांवभर चर्चा सुरु. जो तो पयज[illegible]
बुकली घेवन घेवन [illegible]
झाडार चडलो ना.

शिवागेर आशिल्लो नाकर बाबली [illegible]
पळयतालो. ताजे भयणीगेर माजर आस्सा आ[illegible]
पोरां काडल्यांत [illegible]

ताणें भयणीक सगळें सांगलें, विश्वासां[illegible]
आनी एक येवजण आखली.

त्या दिसा फात्तोडेर बाबली भाटकारागेर [illegible]
येतना ताणें सुक्या बांगड्याची बारीक [illegible]
दोन सुके बांगडेय हाडिल्ले. [illegible]
पणसाक घासले. [illegible]
आनी बारीक पावडर ते खांदयेचेर उडयली

झाडांक उदक घालपाचें निमीत करून त[illegible]
घुटमळटालो.

इतल्यांत बाबलीची भयण बुकल्याक घेवन [illegible]
बाबलीन वचून भाटकाराक सांगलें.

शिवा भाटकार, ताजी घरकान्न आनी [illegible]
वारांदांत रावन पळोवंक लागलीं. धवो फुल्ल[illegible]
जिवानय बरो आशिल्लो.

ताका पणसा मुळांत सोडणा फुडें म्यांऽऽव[illegible]
करीत तो पणसाक वास घेत घेत वयर [illegible]
लागलो. तो ते खांदयेर बसून खांदी चाटपाक [illegible]

शिवा भाटकार आनी ताजी घरकान्न [illegible]
उरलीं

गितूबाय ताळयो मारीत धांवत [illegible]
मुळात पावलें. बाबली आनी ताजे भयणीन[illegible]
एकामेकांक वेंगायलें. शिवा भाटकार, धुवेच[illegible]
पळोवन सुखावलो आनी सगळें घर खोशये[illegible]
नाचूंक लागलें.

# नेपाळी बेब्याचीं धाडशी कर्तुबां

## पूर्व-पश्चीम राजमार्गाच्या सांगातान

काठमांडू देगणांतलो भक्तप्रसाद भ्यागुतो दोंगराच्या मुळसाक पावलो. दोंगरा वयले उभयचर वा सरपटपी जीव हांगा चुकून केन्ना येतात जायत. आपल्या पत्र्याच्या डब्याच्या हालत्या-धोलत्या व्हड्यांत ताणें थोडो वेळ सुसेग घेतलो. सकाळच्या वोतांत ताजे कुडीचे कातीक सगळे वटेंतल्यान धगसाण मेळ्ळी. ताणें आपलो एक पांय व्हड्या भायर काडलो आनी व्हडें व्हलयत रेबो आशिल्ले देगे मेरेन घेवन गेलो. एक धाकटो पक्षी फातरांनी चोंच घालून आपल्या नाश्त्या खातीर किडी सोदतालो. बेबो ताचे कुशीक वचून रावलो. पक्षान आपली मान वयर केली आनी भक्तप्रसादाक आपलो परिचय करून दिलो. 'हॅलो! हांव प्रचंड पक्षी. तूं ह्या पत्र्याच्या डब्यांत बसून कितें करता?'

तराई कडले पक्षीय तीच भाशा उलयतात जी दोंगराळ वाठारांतलो बेबो उलयता तें पळोवन भक्तप्रसाद अजापीत जाल्लो. ताणें म्हणलें, 'हां-हां, हॅलो, म्हाका सगळे भक्तो म्हणटात, जें भक्तप्रसादाचें ल्हान रूप. हांव काठमांडू सावन हांगा आयलां, कारण हांव मैदानी वाठार पळोवपाक सोदतां. म्हाका खूब भूक लागल्या.'

'हें खावन पळय' प्रचंडान सांगलें आनी आपले चोचींतल्यान उदकांतले कांय किडे काडून बेब्याक दिले.

'हूं, बरे आसात' भक्तप्रसादान म्हणलें. तो पक्षाक नाराज



**नयना आडारकार**
कणक मणि दीक्षित
*वेगवेगळ्या पुरस्कारांनी सन्मानीत ज्येश्ठ लेखिका, कथा, कविता, ललित, विनोदी, बाल साहित्य ह्या प्रकारांत फिशाल.*



करपाक सोदी नासलो. जित्यो किडी रुचीन कोडू आशि[ल्ल्यो] आनी त्यो ताज्या तोंडांत दसून रावल्यो. ताणें बेगी बेगीन किडींक गिळ्ळें आनी दुसऱ्यो गजाली करपाक लागलो. '[...] तराईची भोंवडी कशी करूं हें म्हाका मातशें सांगशीत?'

प्रचंडान सांगलें, 'तूं पूर्व-पश्चिम राजमार्गाचेर वच. [...] थंय पूल काडटकच तुज्यान शाराचे खंयचेय वटेन पूर्व व[ा] पश्चिमेक वचपाक जाता. तशें पळयल्यार, हांवूय केन्ना [...] पयस वचूंक ना.' पक्षान बेब्याक सांगलें, 'हे देगे वयल्यो [...] किडी सोंपल्यो देखून हांव आतां न्हंय पलतडीं वतलों.'

अशें म्हणून पक्षान आपली चोंच खाशेले पद्दतीन बा[...] बेब्याचो निरोप घेतलो. तो उदका वयल्यान वेगान उडपा[क] लागलो. ताचीं गोबऱ्या आनी धव्या रंगाचीं पाखां सुर्याच्या उजवाडान चकचकतालीं. बेबो पक्षान सांगिल्ल्या रस्त्या वयल्यान उडक्यो मारीत गेलो आनी ताणें बागमती न्हंयचे आर-पार बांदिल्ल्या पुलाक पळयलें.

मातसो वयर चडटकच तो अचकीत सपाट जमनीचेर [...] बांदिल्ल्या पक्क्या रस्त्याचेर पावलो. भक्तप्रसाद उडक्यो मारीत रस्त्याचे दुसरे वटेन वचपाचो आसलो, इतल्यांत [...] मुखार व्हडले तकलेचो बैल उबो रावलो. ताज्यो नाकपुड[्यो] फुलिल्ल्यो, दोळे भायर आयिल्ले, व्हडलीं शिंगां आशिल[्लीं] आनी जिबे वयल्यान लाळ गळटाली.

'तुलसीराम म्हजें नांव आनी गाडी ओडप म्हजें काम.' [...] आपल्या पकदस्त आवाजांत बैलान सांगलें. 'तूं जाणा, [...]

नासतना रस्तो हुंपल्यार कितें जाता तें? तुजी किसमर जावपाची! हे ट्रक आनी बशी तुजे खातीर ना रावपाच्यो. ना तुका हें सगळें समजावन सांगपाच्यो. सांग पळोवया, खंयच्यान आयला?'

'म्हजो जीव वांचयल्ले खातीर देव बरें करूं, दयेस्त बैला!' भक्तप्रसादान खोशयेन म्हणलें. त्याच वेळार दोन बशी आवाज करीत पुला वयल्यान गेल्यो. बशी पुर्वे वसल्यान आपल्या थारायल्ल्या जाग्या वटेन धांवताल्यो.

'खऱ्यांनीच, ह्यो बशी म्हजे खातीर थांबच्यो नासल्यो,' भक्तप्रसाद बैलाच्या मता कडेन सहमत जालो, जेन्ना ताणें बशींक क्षितिजा मेरेन वचून नाच्च जातना पळयलें.

भक्तप्रसादान बैलाक आपलो नेपाळ भोंवडेचो निर्णय सांगलो. आपली यात्रा तो तराई कडल्यान सुरू करपाक सोदता तेंवूय सांगलें. तुलसीराम बैलान ताका मजत केली आनी एका अणभवी गायडावरी आपल्या पकदस्त आवाजान सांगलें, 'बरें बाबा, नेपाळ- तराई ! खरेंच पळोवपा सारको जागो. तुजे सारको दोंगराळ वाठारांतलो प्राणी तो पळोवपाक सोदता हाची म्हाका खोस भोगता. आमची हांगची जमीन सपाट आसा. हांगा थंय लक्ष भरकटपाक शकता अशी हांगाची भुगोलीक रचणूक ना. त्या खातीर मैदानी वाठारांतले लोक खूब विचारवंत आसतात. हांव तुजी वळख हांगा सरलीं हुशार माजरां, गायो, सुणीं, कबुतरां आनी लोकां कडेन करून दितां. माजराचें म्यांव, बदकांचो नाच, हांगाच्या लोकांचीं गितां आनी संगीत, तराईंतलें हें सगळें चड म्होंवाळ आसता. बाबा रे! तराईंतलें रान जाल्यार आगळें-वेगळें. तुमच्या दोंगरा परस खंयचेच तरेन उणे ना.'

भक्तप्रसाद उमेदीन मदींच उलयलो, 'बैलबाबा, हांवें माजरां, गायो आनी लोकूय पळयल्यात, पूण रान केन्ना पळोवंक ना. तें कशें आसता?'

भक्तप्रसाद इचंगुच्या भाताच्या शेतांतलो प्राणी आसलो. ताका फकत नागार्जुन राना विशीं खबर आशिल्ली, जाका 'रानीवन' म्हणटाले. ताजे चारूय वटांनी उंच वण्टी बांदिल्ल्यो, जांकां शक्ति मान बेबो लेगीत हुंपूक शकनासलो. त्याच खातीर भक्त प्रसाद पयलीं केन्ना रानांत पावूंक नासलो.

जाण्टेल्या तुलसीरामान सांगलें,-रान म्हणल्यार एक थळ जंय झाडां, दाट झोपां, उंच तण आनी ताचे [illegible] चड रानवटी जनावरां आनी पक्षी आसतात. आतां सांग बेब्या, तुका [illegible] हांगा असलीं रानवटीं [illegible] संवसारांत आनीक खंयच पळोवपाक मेळचीं नात!'

तुलसीरामान भक्तप्रसादाक [illegible] मुकिल्ल्या तणाचे [illegible] बेबो पश्चिम वटेंतल्या पूर्व-पश्चिम [illegible] लागले. जितले मेरेन नदर [illegible]

'जाणां, आमकां आतां कोणंय पळयलें जाल्यार तो म्हणटलो बैलबेबो!' मातशें [illegible] म्हणलें. तुलसीराम फकांडां करतालो ही गजाल भक्तप्रसादाच्या मातशी उसरांच लक्षांत आयली. जें दिसता तें सदांच खरें आसना. हा खाश्ट [illegible] बैल खूब [illegible]



आशिल्लो.

एक रात आनी एक दीस ल्हवू ल्हवू चल्ले उपरांत ते दोगूय 'पथलैया' चाररस्त्यार पावले. बैलान सांगलें, 'हांगाच्यान म्हाका दक्षिणे वटेन वचपाक जाय. भरतपूर मेरेन सरळ रस्त्यान चलत वच आनी थंयच्यान दावे वटेन वळ.' तुलसीरामान मातसो विचार केलो आनी सांगलें, 'याद दवर, तीं रानवटी जनावरां, जीं आमचेवरी पोशिल्ल्या जनावरां परस सामकीं वेगळीं आसतात. सांबाळून राव.'

## चितवन वनस्थळ

दोन दीस आनी तीन राती मुखेल मार्गा वयल्यान उडक्यो मारीत- मारीत एक दीस सकाळ फुडें तो भरतपूर पावलो. ताणें एक विमान आपले तकले वयल्यान नेटान उडत वतना आनी रस्त्या देगे वयल्या विमानतळाचे धांवपट्टीर देंवतना पळयल्लें त्या खातीर ताका ही गजाल कळ्ळी. सांगिल्ले प्रमाण तो दक्षीण दिशेंत दावे वटेन वळ्ळो. कांय वरां उपरांत बेब्यान एका बोर्डार बरयल्लें पळयलें, 'रॉयल चितवन नॅशनल पार्क'. थंय कोंड्यान तयार केल्ल्या एका नाक्याचेर एक खाकी गणभेस घाल्लो मनीस राखण करतालो. तो रानांची राखण करपाक आनी जनावरांची चोरी करतल्या चोरां पसून तांकां वांचोवपाक आशिल्ल्या कर्मचाऱ्यां पयकी एकलो आशिल्लो.

ताणें बेब्याक दुबावान पळयलें. भक्तप्रसादान हिम्मत केली आनी तो कर्मचारी पळयता आसतना बेफिकीर जावन ताणें नाक्याचे पलतडीं उडकी मारली. ताणें अशें दाखयलें जसो काय तो तेच रानांतलो बेबो आनी पार्काच्या भायर वचून भोंवून बी परतो आयला. तो बरो वाटावलो.

'अरे, शेरबहादुर, मातसो हांगा यो.' कर्मचाऱ्यान आपल्या वांगड्याक आपयलो. 'ह्या बेब्याक मातसो पळय. तो हांगासल्लो कसो दिसना. पार्काचे नेम पुस्तिकेंत असो कसलोच उभयचर प्राणी ना.'

शेरबहादुर कुशीच्या एका तंबूंतल्यान भायर आयलो आनी ताणें बेब्याक बारीकसाणेन पळयलें, 'अशें आसा, बेबो खंयचे जातीचें तें सांगप खूब कठीण. बेब्यांच्यो खूब जाती आसतात.'

'इतलो वेळ तो भायर आशिल्लो, आतांच भितर येता.'

'गेंडे आनी दुकर लेगीत खाण सोदपाक पार्काच्या भायर



वचत आसतात. बेबेय अशेंच करता जातले. ताका वचूं दी.'

शेरबहादुरान आपलो सल्लो दिता म्हणसर भक्तप्रसाद रानांत भितर खूब पयस मेरेन पाविल्लो. तो एका सरळ झाडा फाटल्यान रावलो. झाड मळबाक तेंकतालें. ताणें हुस्क्या मेकळो स्वास घेतलो. 'वांचलों.'

भक्तप्रसादान वयर नदर मारली, पळयल्यार तो सांवरीचे दाट सावळेंत आशिल्लो. कुशीच्या झोपांतल्यान 'टर्र-टर्र' आवाज आयकूंक आयलो. हांगा एक उभयचर आशिल्लो, जाणें म्हणलें, 'हॅलो, दोंगरा वयल्या भावा, हांव तराईंतलो माणको. हांवें तुका त्या कर्मचाऱ्यां कडेन आसतना पळयल्लो. तू खऱ्यानीच एक बरो नट मरे!

तराईच्या माणक्यान आपलो हात भायर काडलो आनी म्हणलें, 'प्राणी-विज्ञानीक म्हाका 'बरो मेलानोस्टिक्टस' ह्या नांवान वळखतात. म्हाका काळ्या कण्याचो माणकोय म्हणटात.'

भक्तप्रसादानय हात हालोवन जाप दिली, 'हांव काठमांडूचो 'राना टिगरिना'. मुळसाचो माणको दिसपाक व्हडलो, घटमूट आनी गाढ रंगाचो आशिल्लो. ताजे फाटीचेर एक काळी रेशा आशिल्ली. त्याच खातीर ताका 'काळ्या कण्याचो' हें नांव पडिल्लें.

'चितवनांत रावप्यांनी आयज मेरेन कितल्याश्याच देशी-विदेशी पर्यटकांक पळयलां, पूण पयले फावट जनावर पर्यटक आयला,' तराईच्या माणक्यान म्हणलें. 'हो खोशेचो खीण आनी आमकां उत्सव मनोवपाक जाय.' ताणें सांगलें.

मराठीः डॉ. संगिता बर्वे

णी अणकार : दिलीप बोरकार



## बयेचो घोंटेर

बयेचो घोंटेर बाये
बयेचो घोंटेर
बांदूक वचशी जाल्यार
येतलो तुमकां बेजार

थकना बयाबाय
हजार फावटी मारून
काडयो किसरां हाडटा
चोंचींत आपले धरून

घोटरांत सानुलीं पिलां
तेळीत आसतात वाट
आई बाबा येतकच
पळयात तांचो थाट

हालतो धोलतो सोबीत घोंटेर
खांदयेचेरूच सोबता
जायत व्हय कोणा लागीं
बया जसो तो बांदता?

## सुरवंटबाब

एक दीस पोरसांत आमच्या आयलो सुरवंटबाब
इतले दीस हांव ताजो आयकून आसलें आब

म्हाका पळोवन तो मातसो मिशयांनी हांसलो
गेलो खंय? म्हणटां मात पानाचेरूच दिसलो

दुसरे दिसा वाली वयलीं पानां केलीं फस्त
आनी भकारो सुरवंटबाब न्हिदून रावलो सुस्त

दिसान दीस सुरवंटबाब दाखोवंक लागलो रंग
दिसूंक लागले बदलत वचपी ताजे जिणे ढंग

कित्याक बाये सुरवंटबाब जालो इतलो सुस्त?
आपणाल्याच कोशांत असो पडून रावला मस्त

म्हज्या प्रस्नाची म्हाकाच मेळ्ळी जाप एक दीस
सुरवंटबाब जावन पाखो   हुबलो जशें  पीस

---

*(सुरवंटाक कोंकणींत 'कुसां कीड 'म्हणटात तरी हांगा सुरवंटूच दवरल्लां.)*



भा फुलकार

## ाय आनी मम्मा

का गे मम्मा म्हाका
ळेंत सोडून वचूं नाका
ांत तुजे घट्ट धर
स म्हाका करूं नाका

कटुलें मगे हांव बाय
ळा म्हाका कित्या जाय?
रांत बसोवन खावय साय
ी शाळेंत पावन म्हणटा बाय बाय?

ासलें जरी तूं धाकलें बाय
ाकून व्हडलें जावंक जाय
हणून खूब खूब शिकूंक जाय
न्नाच जातलें तूं शाणें





दिलीप बोरकार


## मेल्लो जल्लो

व्हडलो सो एक जल्लो
मुयां तावडींत पडलो
तांणी ताका ओडून व्हरून
बारीक बारीक करून खाल्लो

प्रस्न आतां अशें पडलो
जल्लो खाल्लो तो खाल्लो
पूण खावपा पासत ताका
मुयांनी खंय म्हूण व्हेल्लो?

जितो आतां नासलो जल्लो
दितलो म्हूण आमकां सल्लो
मुयांचे तावडींत सापडूंक
कित्याक काय गेल्लो मेल्लो?

# पर्स-पाकीट-बॅग



पर्स दर एके बायलेच्या खांदार आनी हातांनी एक म्हत्वाचो जागो घेवन आसा. अश्यो ह्यो तरेकवार पर्सी पळयतकूच बायलेचो जीव वयर सकयल जावचो ना तो बरो! बायलांकूच कित्याक तर ल्हान सान भुरग्यां पोतांन ते व्हडा मेरेन आवडीची! दादल्यांक तर पर्स वा वॉलेट हें जायच. अपवाद इतकोच की बायल मनशेक जी पर्स लागता ती विवीध आकारांची, म्हळ्यार व्हड ल्हान बी अशीच आसता. ती पर्स तिका तिज्यो त्या त्या वस्तूंचो सांबाळ करुंक उपेगाची आसता.

तुमच्या मनांत घडये येवं येता,आयज सोनाली पर्सीचेर शें उलयता! ताका कारण अशें, म्हाका बायल मनीस जावन लेगीत ही पर्स घेवन भोंवक आवडना. तरी कांय वेळा म्हाका ती जाय पडटा आनी नाईलाजाक ती हांव घेतां. तुमी घडये म्हणत, कितें सांगता गो? हें सत्य आसा. हांव ज्या दिसा पर्स घेतां न्हय त्या दिसा म्हाका ती पर्स सांबाळप कशी हो मोटो प्रस्न पडटा. तरी ती कशी बशी जिवाक उबगल्ल्यावरी हांव ती सांबाळटां. हो म्हजो सवंयेचो गूण. कोणाक कांय म्हणचें न्हय. जण एकल्याची आवड ही आसताच न्हय? म्हजी पर्सी म्हळ्यार फोर्मल ड्रेस घालून भोंवतना पेंटीचीं बोल्सां. म्हाका ती सवंयूच जावन बसल्या म्हज्या सारकी तुमच्या बायलां मदलीं एक दान आसूंय बी वस्त 'सभावाक वखद ना.' हें सगळेच जाण जाणांत.

आतां ह्यो पर्सी बाजारांत तरेकवार, पद्दतीच्यो पळोवक मेळटात. म्हजें सोडा, पूण एक एका वळाचो अणभव घेतल्यार बायल मनशेंली ही पर्स बायलेक कितली म्हत्त्वाची आसा हें कळटा. हांव खुब्बूच कमी भोंवतां. आनी भोंवलेंच जाल्यार म्हज्या घोवाच्या वांगडा. तो बराबर आसलो काय पर्स घेवपाचो प्रस्न म्हजे बाबतींत मिटलो. हो आनंद वेगळोच. म्हाका कशें बिन्दास्त भोंवक मेळटा!

म्हजें आयकून तुमी विटल्यां आसत! तरी खरें सांगपाची गजाल म्हळ्यार बायल मनशेक ही पर्स म्हळ्यार एक मूक इश्टीण. ही इश्टीण तिज्या खांदार ना जाल्यार कितें तरी चुकिल्ल्या वरी दिसता. हांव केन्ना केन्ना घेतिल्ल्या अणभवार हें उलयतां. आमच्या बायलांचे पर्सींत पयशेच आसतात  हें चितप चुकीचें. .



**सोनाली सु. पेडणेकर**

*वेगवेगळ्या नेमाळ्यांनी सातत्यान कथा, कविता, आनी ललित लेखन करता.*

बायलांचे पर्सीत तरेकवार सामग्री म्हळ्यार कितें कितें मेळत हाजो नेमूच ना. मेकअपाचें सामान सोडाच, ती तकलेच्यो गुळयो, थंडेच्यो गुळयो बी दवरताच. तिका ल्हान भुरगो आसत जाल्यार तर ही पर्स तांचीं वखदां, तांची दुदा बाटली, तांका खावंक जाय तें सगळें घालप आयलेंच.

चली मनीस तर आपले पर्सीत क्रीम आनी मेकअप किटा बराबर लिपस्टिक आनी फणी दवरताच. म्हाका हें कांय नाका...पूण पयसलो प्रवास आसत जाल्यार मात ही पर्स म्हत्वाचो घटक हां हें म्हाका जाणवलां. कांय जण बायलांचे हे पर्सीचे संवयेंक कितेंय म्हणटात हेंवूय हांवें पळयलां. तें म्हत्त्व तांका कितें कळटलें न्हय! ही पर्स बायलांल्यो बारीक सारीक वस्तू सांबाळटा. भायर सरलें काय ही पर्स ना जाल्यार आम कां बायलांक त्यो वस्तू आनी पयशे खंय दवरचे हो प्रस्न पडटा. खास करुन साडी आनी सलवार कमीज घालतना येना तो बरो. म्हाका खुबदा म्हळां, 'तूं कितें दादलो गो?'

सारकें अशें एक एक वेळा दिसता. पर्स दादल्या कडेन आसूंक जाय अशें ना. ते आपलें साहित्य खंयच्याय बोल्सांत लकोवंक शकतात. आतां म्हजी संवय म्हाका उपकारता...कित्याक तर म्हज्या हातांत घेवन गेल्लो लेस केन्ना परत घरा येना...मागीर अशें जाल्या कारणान पर्स कशें सांबाळप ही धडपड म्हजी जाता.

आतां पयश्यांचे बाबतीत चिंतप जाल्यार ही पर्स चड खंय उपेग जाता? गूगल पे...हें साधन मोबाइल हातांत आसताच म्हणा..! पूण हो मोबाइल दवरुंक बी ही पर्स जायच काय ना? जाय तर!

म्हाका कमी जाय आसत! पूण दिसरात कामां निमित्त भायर सरतले बायलेक ही पर्स जायूच.

भांगर, कपडे, मेकअप ह्या वांगडाच पर्सय बी आम चो साथीदार म्हणप म्हाका तर मान्य आसा. आमचे खांदा वयले पर्सीक मान हो जायच जितलो दादल्यांच्या वॉलेटाक आसा.



कामांक वतले बायलेक तर जायूच. विशय सुचलो...मम्मा तुका आवडना, पूण आमकां आवडटा म्हण तुका पर्स हाडचीच पडटली. एक तुका आनी आमकांय बी! चलयांचो हुकूम. चल हाडली. कब्जो तांचोच. म्हाका हाडली तिवय तांचीच पर्स. मोग तांचो आनी तीं मोग म्हजो...आवडूं नावडूं ...पूण अच्छा लगता हैं ।...बायलांक भायर भोंवतना ती इश्टीण जायूच... कितें इश्टिणीनों खरें न्हय...? बिन्दास्त करची खरेदी आपल्याक परवडटा तशी. आमची पसंती...


---

*9923046779*

# घाय सासणाचो..!



11/04/2022 हो दीस हांव आनी म्हर्जी घरांतलीं केन्नाच विसारपाक नात. म्हाका घट्ट उगडास आसा 10/04/2022 हे दिसा आमच्या देवळाचो वर्धापन दीस आशिल्लो. पुराय दोन वर्सांनी हो वर्धापन दीस आमी सगळे गांवकार व्हडा संख्येन मनयतलीं अशें येवजीतालीं. हांव तर खूब उमेदीन आशिल्लें कारण खूब म्हयन्या उपरांत आतू, दादा आनी मामा येवपाचे आशिल्ले. हांव तर आदले रातीच्यान न्हिदुंकूच ना. दादा येतलो आनी आमी खूब्ब मज्जा करतलीं हें चिंतून म्हाका झेमूच पडनाशिल्ली. हांव तर दोळ्यांत दिवे घालून घराच्या दाराकडेन टका टका करीत पळयत बशिल्लें. केन्ना आतू, दादा आनी काका येतात काय अशें जाल्लें. सकाळचीं अकरा वरां जाल्लीं. आतू आनी दादा आजून पावूंक नासले. वर्धापन दीस शनवारा पडिल्ला आनी दुसरे दीस म्हजे व्हडले भयणीचो वाडदीस आशिल्लो. आमी चिंतिल्लें आदले दीस देवळाचो वर्धापन दीस आनी दुसरे दीस शाणूचो वाडदीस! शाणू म्हणल्यार म्हजी व्हडली भयण. आमी सगळीं ताका मायेन शाणू म्हणटात . सकाळच्या आठ वरांचेर हांव हुमऱ्यार बसून आतूची आनी दादाची वाट पळयत बशिल्लें. दनपारचीं बारा वरां जायत आयिल्लीं तरी हीं आजून पावूंक नाशिल्लीं. खूब म्हयन्यान आयज घरांत बरोच बोवाळ जातलो, आमी सगळीं परत एकठांय येतलीं हें चिंतून आमी खूब उमेदीन आशिल्लीं. म्हाका तर थारो जाय नासलो. केन्ना आतू आनी दादा येतले होच विचार परत-परत मनांत येतालो. खूब वेळ जालो एकाच जाग्यार बसून जीव सुस्तेल्लो म्हूण उठून घराचे भायले वटेन एक पासय मारून परततां थंय आसां, दादान म्हाका पळोवन उमेदीन 'बबलु' म्हळें. तें उतर आयकना फुडें कानाक आनी मनाक सुऽऽ जालें. हांवेन फाटीं

**अश्लेशा सावंत**

*संत सोहिरोबा सरकारी म्हाविद्यालय ,विर्नोडा हांगा दुसरें वर्स कला शाखेंत शिकता. वाचनाची आनी भोंवपाची आवड.*

वळून तांचे कडेन पळयलें आनी धांवत तांच्या म्हऱ्यांत गेलें. आतू खूब तेंपान आपल्या कुळारा आयलां ती खोस ताज्या तोंडार सामकी दिसताली. आतू आनी दादा घरांत आयलीं, बसलीं. मात्शांत घरांत सगळीं एकठांय जालीं. काका–काकी, चाचा–चाची, आई,दादा,दीदी,ताई,हांव,मम्मी–पापा बसून खबरी करतालीं. एकामेकांचीं खकाणां मारतालीं. जेवणाचो वेळ जालो. चाचीन आनी सगळ्या बायलांनी मेळून आमकां सगळ्यांक वाडलें. आमी सगळीं जेवलीं आनी उपरांत आईचे कुडींत बसून बुर्रांनी खेळटालीं. दादा तीन फावटी बुर्र म्हळ्यार गाढव जालो म्हूण सगळीं जाणां मेळून ताजीं फकाणां मारतालीं. उलयतां – उलयतां, खेळटां – खेळटां केन्ना आमोरी जाली कांयच कळ्ळें ना . घड्याळार नदर पडना फुडें कोण पयलीं न्हावपाक वतलो हाका लागून घरांत बोवाळ पडलो. कारण सगळ्यांक न्हावन धुंवन, न्हेसून देवळांत वचपाक जाय आशिल्लें. सगळीं जाणां एक– एक करून न्हावन तयार जावपाक लागलीं. हांव बी न्हालें आनी बरोऽ नवो कुर्ता घातलो. बरेऽ लांब झुमका घातले, केसांची एक विणी घालून बरें टट्ट्राफुली कशें तयार जावन बसलें. पळयत जाल्यार ह्या बायलांचें आजून जावंक ना.

आमी सगळीं भावंडां बसून हीं केन्ना तयार जावन भायर सरतलीं हेंच येवजीत तांची वाट पळयतालीं. इतल्यांत दादान म्हळें,''फाल्यां दर्या वेळेर या ?'' सगळीं उमेदी जालीं. आनी 'हय, हय ,या.' म्हणपाक लागलीं. हांवेंन म्हणलें, ''एक काम करूंया, शाणुची केक बी घेवन आमी थंयच ताजो वाडदीस साजरो करूंया.'' सगळीं उमेदी जालीं. इतल्यांत घरचीं सगळीं बायलां न्हेसून एक–एक करून भायर सरलीं आनी देवळाचे वटेन चलत रावलीं.

देवळांत गेलीं, नाटक पळयलें, जेवण जेवलीं, आरत केली आनी सगळे कार्यक्रम सोंपले की घरा परतलीं. रातचीं दोन जालीं पूण हांच्यो खबरीच सोंपना जाल्यो. म्हजो केन्ना दोळो लागलो म्हाका कांयच कळ्ळें ना. सकाळ जायना फुडें सगळीं उठलीं. न्हावन धुंवन सगळीं दर्या वेळेर वचपाक तयार. सकाळच्या धा वरांचेर आमी घरांतल्यान हरमला वचपाक भायर सरलीं. दर्या वेळेर पावना फुडें केन्ना उदकांत उडक्यो मारतां अशें जाल्लें. पळयत जाल्यार आमचें नशीब सामकें फुटकें. आयज भरती आशिल्ली. आमी सकयल देंवलीं, बरीऽऽ सावळी सोदली आनी काळंगां खायत बसलीं. एके वाटेन सगळीं बायलां बसून खबरी करतात जाल्यार दुसरे कडेन आमी सगळीं भुरगीं फोटो काडटात.

दादाक उदकांत केन्ना वता कशें जाल्लें. बेगोबेग कपडे काडले आनी धावंत उदकांत गेलो. काका फाटल्यान सावन सांगत आसा, 'बाबू आयज भरती आसा! सांबाळून. उदका कडेन खेळ खेळूं नाकात. घरा बरे बशेन पावपाक जाय.' तरीय दादा कोणाचें एक उतर आयक नासतना चलत रावलो. ताज्या फाटोफाट आमीय गेलीं. न्हावपाक तर मज्ञा येताली. न्हातां – न्हातां केन्ना दादा फुडें पावलो कांय कळ्ळें ना. काका दादाक परतो–परतो सांगत आसा,' बाबू, फुडें वच नाका, आमच्या लागींच राव.' पूण दादा आयकलो ना. अकस्मांत एक व्हडलें ल्हार आयलें. आमी सगळीं उदकांत बुचकळ्ळीं. वयर उठून पळयतां जाल्यार दादा दिश्टी पडना जालो. ल्हारांच्या नेटान दादा खंय पावलो कांयच कळ्ळें ना . सगळीं जाणां दादाक उलो मारतात, दादा आतां उठ्ठलो, आतां वयर सरतलो... पूण ना. तो वयर आयलो ना. काका धांवत लायफगार्ड कडे गेलो आनी सांगलें तांका अशें–अशें जालें म्हण. सांगना फुडें ते दादाक सोदपाक गेले. दनपारच्या बारा वरांचेर ते गेल्ले आनी आतां सांजेचीं पांच जालीं. लाईफगार्ड वयर सरले. काका धांवत तांचे म्हऱ्यांत गेलो. लाईफगार्ड आयले पूण दादा मात आनी केन्नाच आयलो ना. आमचेर सामको आकांत आयलो. आमचे दोळ्या मुखार आमचो दादा सदां खातीर ना जाल्लो. दोळ्यां मुखार घडिल्ली ही घडणूक म्हजे खातीर सासणाचो घाय घालून गेलो.

*धारगळ, मो. 8767172007*

## तातयांचो सोंपो पुडींग

**साहित्य–** 3 तातयां. 1 कप कन्डेन्स मिल्क, 1 व्हड कुलेर वेनिला ईसेन्स.

**करपाची तरा–** एका मिक्सराच्या आयदनांत तातयां आनी कन्डेन्स मिल्क घालून एकठांय करून घेयात. उपरांत दूद आनी वेनिला ईसेन्स गालून परतून मिक्सर चालू करून हें मिश्रण एका तोपांत काडून कुकरांत दवरून 4–5 शिटयो काडून घेयात. न्हिवतकीच हें आयदन अर्दवर फ्रिजांत दवरात. उपरांत थंड सोंपो पुडींग खावपाक तयार.



**डॉ. रिना लवंदे**

*नामनेची डेंटीस्ट,कविता आनी ललित लेखनांत उमेदवारी चलता*


## कुवाळ्याच्यो वडयो

**साहित्य–** 1 मध्यम कुवाळो,अर्द किल्ल उड्डां दाळ,150 ग्राम हळदी पिठो, 300 ग्राम मिरसांगे पिठो, 10 ग्माम शंकर छाप हींग, 5 ग्राम सांसवां, 8–10 मिरयां, 1 व्हड कुलेर मेथयो, अर्द वाटी मीठ.

**करपाची तरा–** कुवाळो निवळ धुवन घेयात, ताजे कुडके करात, साली सकट बरीक किसणेर किसात. हो कीस एके चाळणींत घालून 2–3 वरां उदक निस्तावपाक दवरात. त्याच उदकांत उड्डां दाळ 2–3 वरां भिजत दवरात. दोन वरांनी ही दाळ सुकीशी वाटून घेयात. एका व्हड तोपांत ही वांटिल्ली दाळ आनी सांसवां एकठांय करून धापून दवरात. तशेंच मिरयां,हींग आनी मेथयो उदक घालून भिजत

दवरात. दुसरे दिसा सकाळीं हे वांटिल्ले उड्डां दाळींत कुवाळ्याचो कीस, मिरसांगे पिठो,हळदी पिठो, मीठ घालून बरेंऽ एकठांय करात. मेथयो, मिरयां आनी हींग वांटून तें वांटप ह्या कुवाळ्या मिश्रणांत घालात. परत एक फावट हातांनी बरेंऽ एकठांय करात. मागीर प्लास्टिकाचेर दोन बोटांच्या अंतराचेर घालात. सात दीस ह्यो वडयो वतांत सुकयात.उपरांत एक एक काडून घट्ट धाकण्याच्या डब्यांत घालून दवरात.

ह्यो वडयो तरेकवार भाजयांनी घालात. त्यो सगळ्या मंगल कार्याक वापरतात.



---




## *मोठ्या सुंगटांची उड्डमेथी*

**साहित्य–** 1 वाटी निवळ केल्लीं सुंगटां, 4 मध्यम कांदे बारीक शिंदून, 1 ल्हान कुलेर हळदी पिठो, 2 वाटयो नाल्ला सोय,10–12 तांबड्यो सुक्यो मिरसांगो, 1 व्हड कुलेर तांदूळ, 1 व्हड कुलेर उड्डां दाळ, 10 मिरयां,1 ल्हान कुलेर मेथयो, 3 व्हड कुलेरां तेल, लिंबा इतली आमटाण, रुची पुरतें मीठ.

**करपाची तरा–** एक दाटसार कायल उज्यार दवरून तातूंत तेल घाल नासतना तांदूळ फुलोवन घेयात. उपरांत तेच कायलींत एक ल्हान कुलेर तेल घालून उड्डां दाळ, मेथयो आनी मिरयां वेगवेगळीं भाजून घेयात. हें साहित्य काडून कुशीक दवरात. हे कायलींत थोडें तेल घालून सोय आनी दोन कांदे भाजात. उपरांत मिरसांगो,कोथमीर भाजून घेयात. सोय, कांदो, मिरसांगो, हळदी पिठो,कोथमिऱ्यो आनी आमटाण घालून मोठशेंच वांटप तयार करात.

एका तोपांत उरिल्ले दोन कांदे आनी सुंगटां तेल घालून तळशियात. दोन मिनटांनी उदक घालून शिजत दवरात. मिरयां, तांदूळ वांटून घेयात. कांदो. सुंगटां शिजतकर सोयेचें वांटप आनी तांदूळ,मिरयां वांटप घालून शिजयात. एक खतखतो येतगीर उड्डां दाळ, मेथयां वांटप आनी मीठ घालून दोन मिनटां शिजयात.






# बार्देस कोंकणी अस्मिताय केंद्रान मनयलो रुप्या उत्सव

साहित्य, शिक्षणीक, सामाजीक आनी सांस्कृतीक मळाचेर वावुरपी बार्देस कोंकणी अस्मिताय केंद्र हे नामनेचे संस्थेन फाटल्या म्हयन्यांत आपलो रुप्या उत्सव व्हडा दबाज्यान मनयलो. ह्या वेळार नामनेचे ज्येश्ठ साहित्यकार आनी ज्ञानपीठ पुरस्काराचे मानेली दामोदर मावजो हे मुखेल सोयरे आशिल्ले जाल्यार कोंकणी भाशा मंडळाची अध्यक्ष आनी साहित्य अकादेमीच्या बाल साहित्य पुरस्काराच्यो मानेली अन्वेषा सिंगबाळ मानाचीं सोयरीं आशिल्लीं. ह्या वेळार अस्मिताय केंद्रान कोंकणी विश्य घेवन वेगवेगळ्या परिक्षांनी सगळ्यांत चड गूण संपादन केल्ल्या बार्देस म्हालांतल्या विद्यार्थ्यांचो इनामा भेटावन भावमान केलो जाल्यार साहित्य अकादेमी पुरस्कार फावो जाल्ले बद्दल साहित्यकार माया अनिल खरंगटे तशेंच हेर मानेस्तांचो तांच्या समाजीक वावरा पासत भावमान जालो. तातूंत डॉ.सचिन यशवंत गांवकार, अनघा विठ्ठल कामत, नूतन अरूण साखरदांडे, ॲड.ईशान उसपकार, कुसूम अगरवाल,रत्लपाल साळकार हांचो





आसपाव आशिल्लो. त्या भायर फाटल्या पंचवीस वर्सांत केंद्रा पासत तन,मनधनान वावर केल्ले पासत केंद्राच्या ज्येश्ठ वांगड्यांचोय भोवमान मुखेल सोयऱ्यांच्या हस्तुकी जालो. केंद्रान ह्या वेळार स्मरणिकेचेंय लोकार्पण केलें. कार्यावळीचें सुत्रसंचालन चंद्रिका पाडगांवकार,गोविंद मोपकार,अपर्णा गारुडी,सोनाली चोडणकार हांणी केलें. ह्या सुवाळ्याक मुजरत हाजीर आशिल्ल्यां साहित्यकारां मदीं दिलीप बोरकार, हर्षा शेटये, अलका सिनाय असोळडेकार हांचो आसपाव आशिल्लो.



**नयना आडारकार हांच्या 'कृष्णचूड' कथासंग्रहाचो विमोचन सुवाळो हालींच जालो. त्या वेळार माचयेर आशिल्ले मुखेल सोयरे देविदास कदम, आकाश गांवकार.दिनेश मणेरकार आनी मेधा सडेकार .**

## ► उतरकुवाडें




**संतोष हळर्णकार**

बांदिवडे-बंदर,फोंडा-गोवा 403 401

मो. : 9762641615




### आप्रील 2023 उतरकुवाडें

| | | | | | | | | | |
|---|---|---|---|---|---|---|---|---|---|
| 1 | | | 2 | | 3 | | 4 | | 5 |
| | | 6 | | | | | | | |
| 7 | 8 | | | | 9 | 10 | | | |
| | | | 11 | | | | | 12 | |
| 13 | | | | | 14 | | 15 | | |
| 16 | | | 17 | 18 | | | | | 19 |
| 20 | | 21 | | | | 22 | | | |
| | | | | 23 | | | | | 24 |
| | 25 | | | | | | | 26 | |
| 27 | | | | | 28 | | | | |

**आडवे :** 1-पुताची वा धुवेची चली. 2-पसरो चलोवपी. 6 - बंदखण (इंग्लीश). 7-जायत्या जातींचें बारीक एकठांय नुस्तें. 9-धावी तीथ. 11- सात आनी दोन. 12 - नृत्य, डान्स. 13- नातें, सोयरीक. 16- सोद (मराठी). 17- वायट घडणूक, अडचणिचो प्रसंग. 19-शंबर (हिन्दी). 20 - धन आनी संपत्ती. 22- मसाल्याचें एक आंग. 23- हड्ड्या भोंवतणी घाल्लें लोखंडी कवच. 25- अजापाचें, नवलांचें. 26- वर्ण, कलर. 27- आठ भाग आशिल्ली वस्त. 28- शिजयल्ल्या बारीक तांदळांत तूप, साकर, लवंग, बदाम बी घालून केल्ली गोड पोळी (मराठी).

**उबे :** 1-ड्रामा. 2- शिपायकांचो व्हड जमो. 3- निरोप, कळोवणी, संदेश. 4- मणी XXX दक्षिणे कडलो एक सिने दिग्दर्शक. 5- ग्रामपंचायतीचो मुखेल पंच. 6 - बोल्स (हिन्दी). 8- भयणीन भावाच्या हाताक राखी बांदपाची परब. 10- नाटकांतलो पार्ट. 12- सोरोप. 13-शास्त्रीक सोद, नवें गिन्यान. 14- धर्मीक कामां करपी, पुरयत. 15- श्रीकृष्ण भगवान. 17- हरताळ, बंद, बंड. 18- एकादलें, एकाद्रें. 21- खबरेपत्राचें संपादन करपी. 22 सकयलें (मराठी) 24- इश्टागत, सांगात. 25- आठ. 26- सर्गांतली एक अप्सरा.

### मार्स 2023 ची जाप

| | | | | | | | | | |
|---|---|---|---|---|---|---|---|---|---|
| न | सा | य | | बा | जा | र | पे | ठ | |
| व | | म | स्क | री | | च | | रा | त |
| दु | का | न | | क | रु | णा | | व | न |
| र्गा | | | आं | | ख | व | ळी | | म |
| | जा | | ग | | | ळ | | सा | न |
| ज | न | ग | ण | म | न | | सा | व | ध |
| | व | | वा | | ग | र | | का | न |
| ब | र | ग | डी | | र | वि | वा | र | |
| र | | रु | | रे | वा | | ट | | मु |
| ड | म | ड | म | | सी | ता | | दो | न |




पुरण शेतांत कबाड कश्ट करपी
म्हादय न्हंयेचे तडी वयल्या शेतकारांची
शोकान्तिका,सामाजीक, लोकसांस्कृतीक
आनी राजकीय स्थित्यंतरां, बंधाऱ्याक लागून
नामशेश जाल्लें कृशीजीवन
आनी गोसंस्कृताय, तशेंच रेवेंच्या
उत्खननाक लागून जाल्ल्या
न्हंयच्या विद्वंशी रुपाचो
वेध घेवपी

# डॉ.प्रकाश पर्येकार

हांची नवी ताल्ल कादंबरी

# पुरण

डॉ.प्रकाश पर्येकार हांचें उजवाडाक आयिल्लें हेर साहित्य



- **दवरणें**
  निबंद-२००५
- **इगडी बिगडी तिगडी था**
  बालनाट्य-२००६
- **कोल्याचीं नाडेपेन्नां**
  काव्यकाणी-२०१०
- **म्हादय : काळजांतल्यान कागदार...**
  ललीत-२०११
- **आमचे आमी**
  कविता-२०१३
- **वर्सल** कथा-२०२१



वर्षा बूक स्टॉल, आझाद मैदानालागीं - पणजे,
गोवा कोंकणी अकादेमी, पाटो-पणजी
कोंकणी भाशा मंडळ, मडगांव हांगा विक्रे पासत उपलब्ध आसा.

मोल फकत २०० रुपया.

बिम्ब प्रकाशन

BIMB/APR. 2023/Vol.22/ISSUE4/Panaji-Goa. REGISTERED GOA/01/2021/2023

RNI Regd. No. GOA KON/2008/30413

Published on 1st and Posted on 5th & 10th day of every month

